# पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान

**(Establishment Of Rachol Seminary During The Portuguese Era And It's Contribution To Konkani Language)**

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON-650 Dissertation

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Masters Degree

MA in Konkani

by

**MS. CLERIE SIQUEIRA**

Seat Number: 22P0180004

ABC ID: 525534005199

P.R. NO. 201903968

Under the Supervision of

**MS. KRIPALI NAIK**

Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

**Goa University**

**April 2024**

# DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, 'पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान' (Establishment of Rachol seminary during the Portuguese era and it's contribution to Konkani language) is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of Konkani at the Shenoi Goembab school of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Ms. Kripali Naik and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings Given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Ms. Clerie Siqueira

Seat Number: 22P0180004

Date:

Place: Goa University

## COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report, **'पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान'** is a bonafide work carried out by **Ms. Clerie Siqueira** under my supervision in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of **Master of Arts** in the **Discipline of Konkani**, at the Shenoi Goembab School of Languages and Literture, Goa University.

Ms. Kripali Naik

Discipline of Konkani, SGSLL

Date:

School Stamp

Prof. Anuradha Wagle

Dean, Shenoi Goembab school of languages and literature

Date:

Place: Goa University

## उपकाराची उतरां

रायतूर हो गांव म्हाका ल्हानपणात सावन खूब लार्गींचो आशिल्यान आनी रायतूर सेमिनारींत सदांच यो वच केल्यान ताचेर अभ्यास करूंक म्हाका खूब उमेद आसली. देखून हांवेन पुर्तुगेज काळांत स्थापन जाल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान हो विश्य घेतलो. ही पुराय प्रबंधिका बरें तरेन जालो देखून देवाक आर्गां. हो विश्य निवळपाक आनी प्रकल्पाची मांडांवळ तयार करपाक आधार दितोल्याक आयवन फेर्नांडीस हाका म्हजो दिनवास. रायतूर सेमिनारीचेर अभ्यास करताना म्हाका जायत्या लोकांचो हातभर लागला. म्हजी आवय आनी बापूय हांचे लार्गीं रायतूर गांवचो इतिहास म्हाका व्हडा उमेदीन सांगलो आनी फावो त्या वेळार सकारात्मका दिवन म्हाका सदांच आधार दिल्या पास्त काळजांतल्यान दिनवास. तशेंच म्हजो प्रकल्प बरें तरेन जावपाक पावलो म्हज्या आवय आनी बापायच्या आशिर्वादा लागून अशें हांव मानता.

हो प्रबंध सुरु जाल्लो तेन्नाच्यान तो पुराय जाय मेरेन हांव म्हजी मार्गदर्शिका प्रा. कृपाली नायक हिचे उपकार मानता. कारण हो सोद वावर सुरू करत सावन ती सदांच म्हज्या फाटल्यान म्हाका आदार दिवपाक उबी आशिल्ली. म्हज्या वावरांत कितेंय चुकल्यार तें सारकें करप, जंय बदल करपाची आसा थंय बदल करप, आनी कसली म्हायती जाय नाका हें सगळे म्हाका तिणें

बरें तरेन समजावन सांगिल्ले. तिचे कडेन केन्नाय गेल्यार तिणें आपलो वेळ आनी मार्गदर्शन दिल्या खातीर तिका काळजांतल्यान दिनवासतां.

तशेंच डॉ. डॉनीस वाझ म्हजो आदलो सर हांणी म्हजो पुराय वाचून शुद्धलेखन करून, जाय ती सुदारणा हडिल्या कारणाक लागून तांकां हांव काळजांतल्यान देव बरें करूं म्हणटा. म्हज्या इश्टानी म्हजो प्रबंधाक लागून मदत केल्या देखून ताकां मनांतल्यान देव बरें करूं म्हणटा. हो पुराय सोद वावर करपाक म्हाका मुखेलपणांत आधार दिल्ल्यांक रायतूर सेमिनारीचो रॅकटर फा. डॉनाथो रोड्रीगीस  तशेंच रायतूर इगर्जेचो पादवीगार फा. ऐरमिटो रिबैलो तशेच फा. विक्टर फेरांव, फा. हॅस्टन फेरांव, मेतीव रिबैलो, सेमिनारिस्ट बॉनी फेर्नाडीस, से. जॉफो क्रिरसपिनो फेर्नांदीस, से. लॉरॅन्स अर्नस्ट वाज, से. डियोन रोड्रीगीस, जॅस्न कुलासो, से. बॅवन रिबैलो, से. फेलफ्रन आनी हेर सेमिनारिस्टाकांक तुमचो मोलादीक वेळ आनी म्हाका फावो ती म्हायती दिल्या खातीर काळजांतल्यान देवं बरें करूं.

तशेंच हांव आमच्या कोंकणी अध्ययन शाखेचो सचांलक डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांका म्हाका सदांच मार्गदशर्ण दिल्या खातीर देव बरें करूं म्हणटा.

रायतूर सेमिनारिचें ग्रथंपाल मनीशा डायस हांणी म्हाका सोद वावर करपाक जायतो आधार दिल्या खातीर दिनवास. तशेंच गोंय विद्यापीठ (ताळगांव), गोवा कोंकणी अकादेमी (पणजी ), रायतूर सेमिनारी ग्रथांलय, कृष्णदास

श्यामा राज्य ग्रंथालय (पणजी), फा. थोमस स्टिफन्स केंद्र (पोरवोरीं) आनी डॉ फ्रान्सीसको लुईश गोमस ग्रंथालय (मडगांव) ह्या ग्रंथांल्यानी म्हाका जायतो फायदो जाला देखून तांच्या ग्रथाल्याचे हांव उपकार मानतां.

निमणे कडेन पुर्तुगेज काळांत स्थापन जाल्ल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान हो प्रबंध बरो जातलो अशी हांव आस्त बाळगीतां. तशेंच हांव ह्या वावरांत म्हाका प्रत्यक्ष रुपान आदार दिवपी व्यक्तिंक हांव काळजा सावन देव बरें करूं म्हणटा.

## प्रस्तावना

‘पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या रायतूर सेमिनारींचे कोंकणीक योगदान’ हो सोद वावर कोंकणी भाशीक नदरेंतल्यान केलो खूब मोलाचो वावर आसा. आयज रायतूर सेमिनारींक राशोल सेमिनारीक म्हण वळखता. पुर्तुगेज गोंयांत आयले तेन्ना धर्म प्रचाराच्या नांवान जायत्यो धर्मीक आनी शिक्षणीक स्संथा सुरू केल्ल्यो. तातूंतली एक रायतूर सेमिनारी. ह्या सेमिनारींतल्यान जायतो धर्मीक, भाशीक आनी शिक्षणीक वावर जालो आनी आयज लेगीत जाता. हो वावर जाणून घेवप हो ह्या सोद वावराचो मुखेल हेतू.

हो पुराय प्रबंध 6 प्रकरणांत आसा. पयल्या प्रकरणांत प्रबंधिकेची प्रस्तावना मांडल्या. प्रस्तावनेंत विशय प्रवेश, संशोधन प्रस्न, अभ्यासाचीं उद्‌दिश्टां, संशोधनाचो आवाठ आनी मर्यादा, साहित्य नियाळ, सोद वावराची पद्‌दत आनी प्रबंधिकेची उपयुक्ताय हांचे रीतसर अध्ययन केलां.

दुसऱ्या प्रकरणांत रायतूर गांवची वळख दिवन तांतूत गांवचो भुगोलीक आनी राज्यकी इतिहास विसतारान मांडला आनी गांवची

समाजीक वळक जांतूत जात वेवसाय भास शैली आनी संस्कृतीक वळख म्हळ्या धर्म, फेस्त, परब श्रद्धा- अंदश्रद्धा, मिथक, लोकगिंतां हाचेर भाश्य केलां.

तिसऱ्या प्रकरणांत रायतूर सेमिनारीची वळख करून दिल्या. तातूंत सेमिनारीची वळख करून दिल्या. तांतूत सेमिनारीचो इतिहास, सेमिनारीची स्थापने फाटलीं कारणां, संस्थेचीं उद्दिश्टां आनी सेमिनारींत आशिल्या कांय म्हत्वाचे आनी इतिहासीक विशय जशें वास्तुकला, धर्मीक मुर्ती, चित्रां, वस्तू, संग्रहालय, ग्रंथालय, महाविद्यालयां विशीं विस्तारान भाश्य केलां.

चवथ्या प्रकरणांत स्थापणुके सावन गोंय स्वातंत्र्य मेरेन रायतूर सेमिनारींन कोंकणी खातीर दिल्या योगदाना विशीं म्हायती दिल्या. हातूंत पुराय आशिया खंडांतल्या पयल्या छापखानयाचें विश्लेशण दिवन गोंयांत येवपी मिशनरी पाद्रींनी केल्ल्या वावराचो नियाळ केला आनी जेझूईट पाद्रींनी केल्या साहित्यीक आनी भाशीक वावर खोलायेन मांडला. तशेंच हेर लोकांनी केल्ल्या वावरा विशीं वळख दिल्या.

पांचव्या प्रकरणांत गोंय स्वातंत्र्या उपरांत ते आयज मेरेन संस्थेत कोंकणी खातीर चालू आशिल्ल्या कामा विशीं नियाळ केला. संस्थेत जाल्या धर्मीक, भाशीक, आनी शिक्षणीक वावरा विशीं महायती दिल्या. तशेंच संगीताच्या मळार केल्ल्या वावरा विशीं मांडला. तशेंच संस्थेंत जाल्या धर्मीक आनी संस्कृतीक कार्यावळीची वळख दिल्या आनी आमचे दायज ह्या कोंकणीच्या उदरतीक हातभार लावपी कार्यावळी विशीं खोलायेन मांडला.

जाल्यार सव्या प्रकरणांत पुराय अभ्यासाचो समारोप आनी निशकर्श रीतसर मांडला.

## सारांश

‘पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान’. ह्या सोद वावरा खाला स्थापणुके सावन गोंय स्वातंत्र्य मेरेन सेमिनारींत कोंकणी खातीर जाल्ले काम आनी स्वातंत्र्य उपरांत ते आयज मेरेन संस्थेंत चालू आशिल्ले कोंकणी खातीर काम हाचेर वेग- वेगळ्या पद्धीन महायती एकठांय करून अभ्यास

केला. हो विश्य निवडपा फाटलें कारण म्हणल्यार ह्या विशयाचेर आयज मेरेन ह्या संस्थेचेर संशोधन पद्धतीन वळख जावंक ना. तशेंच हे संस्थेचेर खोलायेन अभ्यास जावचो. संस्थे विशीं आनी कोंकणीक दिल्या योगदाना विशीं लिखीत स्वरुपांत दस्तावेजीकरण जावचें तशेंच समाजाक सस्थे विशीं जाणीव जावची.

हया विश्यांत अध्ययन करून रायतूर सेमिनारी हे संथतेची भाशीक आनी साहित्यीक वळख जातली जायत्या व्यक्ती आनी पाद्रींनी दिल्या योगदानाचीं वळख जातली. कोंकणीचो आनी हेर भाशेचो कितलो वावर जाला ताचेर अभ्यास जातलो. सेमिनारी कोंकणी मनशांक आनी भाशे खातीर ज्यो समाजीक आनी संस्कृतीक कार्यावळी घडोवन हाडटा ताची हांतूत जाणीव जातली. रायतूय सेमिनारी आयज पासून कितलें मेरेन योग्दान दिला हे जाणून येतली.

**विशय केंद्रीत उतरां**

राशोल सेमिनारी, पुर्तुगेज, कोंकणी, छापकानो, जेझूईट पाद्रीं.

# पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान

## मांडावळ

**1. विशय प्रवेश** **पांन न. 3-14**

1.1 प्रस्तावना

1.2 विशयाची निवडः - म्हत्व आनी कारण

1.3 संशोधनाची व्यापती आनी मर्यादा

1.4 संशोधन विशयक समस्या

1.5 संशोधन विशयाची उपयुक्ता आनी आवश्यकता

1.6 संशोधनकर्यांची उद्‌दिश्टां

1.7 संशोधनविशयाक साहित्याचो आढाव

1.8 गृहितकांची मांडणी

1.9 संशोधन पध्दती

**2. रायतूर गांवची वळख** **पांन न. 15-40**

2.1 गांवचो इतिहास

2.2 गांवची समाजीक वळख

2.3 गांवची संस्कृतीक वळख

**3. रायतूर सेमिनारीची वळख** **पांन न. 41-65**

3.1 सेमिनारीचो इतिहास

3.2 सेमिनारीची स्थापने फाटलीं कारणां

3.3 संस्थेची उद्‌दिश्टा

3.4 वास्तुकला

3.5 धर्मीक मुर्ती

3.6 चित्रां

3.7 वस्तू संग्रहालय

3.8 ग्रंथालय

3.9 महाविद्यालय

**4. स्थापणुके सावन गोंय स्वातंत्रय मेरेन सेमिनारीचें कोंकणी खातीर योगदान** **पांन न. 66-91**

4.1 छापकानो

4.2 मिशनरी पाद्रिनीं केल्लो वावर

4.5.2 जेझुईट पाद्रीनीं केल्लो वावर

4.3. हेर लोकांनी केल्लो वावार

**5. स्वातंत्रय उपरांत आयज मेरेन संस्थेंत चालू आशिल्ले कोंकणी खातीर काम** **पांन न. 92-112**

5.1 धर्मीक वावर

5.2 भाशीक शिक्षणीक वावर

5.3 संगीताच्या मळार केल्लो वावर

5.4 वेग-वेगळ्यो कार्यावळी

5.4.1 आमचें दायज

**6. निश्कर्श** **पांन न. 113-117**

**7. आदारावळ** **पांन न. 118-120**

# प्रकरण 1:

# विशय प्रवेश

1.1 प्रस्तावना

1.2 विशयाची निवड:- म्हत्व आनी कारण

1.3 संशोधनाची व्यापती आनी मर्यादा

1.4 संशोधन विशयक समस्या

1.5 संशोधन विशयाची उपयुक्ता आनी आवश्यकता

1.6 संशोधनकर्यांची उद्‌दिश्टां

1.7 संशोधनविशयाक साहित्याचो आढाव

1.8 गृहितकांची मांडणी

1.9 संशोधन पध्‌दत

# प्रकरण 1: विश्य प्रवेश

## 1.1. प्रस्तावना

गोंय हें भारताच्या पश्चिम दिशेंत आशिल्लें 25 वें राज्य. 1961त पुर्तुगेजांच्या ताब्यांतल्यान मुक्ते जालें. “1510 ह्या वर्साक पुर्तुगेज गोंयांत आयले. मुखेलपणान ते गोंयांत मसाल्याचो वेपार करूंक आल्ले. पयल्या शेंकड्या सावन 15 व्या शेंकड्या मेरेन जायत्या जवटिंनी गोंयचेर आपली राजवट चलयली. पुर्तुगेजांनी 450 वर्सां गोंयचेर राज्य केलें.”[1] पुराय गोंय आपल्या ताब्यांत करून गोंयांत जावपी सगळो व्यापार तांणी बंद उडयलो. सगळे सक्तिचे बदल गोंयांत पुर्तुगेज राज्य आयल्या उपरांत सुरू जाले. पुर्तुगेज गोंयांत फक्त क्रिस्ती धर्म हाडपाक सोदताले. गोयांल्या धर्मीक बदलां वांगडा राजकी स्थितींत लेगीत जायतो बदल जाल्लो. धर्माक लागून गोंयांत चड बदल जाल्लो. कर एकठांय करपाची पद्धतूय सुरू जाल्ली. हिंदू आनी मुस्लमानांच्या सगळ्या धार्मीक थळांचो नाश जालो. “आपल्याक लागी आशिल्ले तिसवाडी, बार्देझ आनी साश्ट वाठार 16व्या शेंकड्यांत जिकून घेतले तांकां पोरण्यो काबिजादी म्हणटात. उपरांत 1763 वर्सा फोंडें, काणकोण आनी सांगे वाठारांचे जैत तांच्या वांट्याक आयलें. 1781 वर्सा डिचोली आनी 1788 वर्सा तांणी पेडणेचो वाठार मेळयलो. हे सगळे वाठार 17व्या शेंकडयांत मेळयल्ल्यान तांकां नव्यो काबिजादी म्हणटात.”[2] पुर्तुगेज

अपल्या वांगडा ते क्रिस्तांव धर्म घेवन आयले. 1540 वर्सा सगळी देवळां मोडून उडोवपाक सुरवात जाली. देवळच्या सुवातेर पुर्तुगेजानी इगर्जो बांदल्यो. तेन्ना सावन सक्तीची धर्मांतरणां जावपाक लागलीं. गोंयांत वेग वेगळ्यो धर्मीक इमारती बादल्यो आनी तशेंय कांय शिक्षणीक सस्थां उब्यो केल्यो.

पुर्तुगेज देशांतल्यांन फ्रांसिस्कन, डोमिनिकन आनी 1542 वर्सा जेजुईत मिशनरींनीं भारतांतल्या गोंय राज्यांत 16व्या शेंकड्यांत आपलें पावल दवरलें. पुर्तुगेजांच्या गरजांक चड वेळ दिनासतना, गोंयच्या स्थानीक लोकांक व्हडा प्रमाणांत धर्मांतर करपाक लागले. तांणी धर्मप्रसाराच्या वावराक नेटान सुरू केली. धर्मप्रचाराचे गरजेंतल्यान कोंकणी भाशेचो अभ्यास सुरू केलो. “1541 वर्सा येता म्हणसर तांणीं सांत पावल ही कॉलेज सुरू केली. हे कॉलेजींत शिकपी आंद्रे वाझ ह्या गोंयकार तरणाट्यान पयलो कोंकणी व्याकरणीक मसुदो तयार केलो. आंद्रे वाझ करमळे गांवचो आसलो, जो पयलो गोंयाकार पाद्री जावपाक पावलो. ताच्या व्याकरणाचें हात बरप आयज मेळना पूण त्या काळावेल्या जायत्या कागद-पत्रांनी आंद्रे वाझाच्या व्याकरणा विशीं उल्लेख मेळटा.”[3] 1578त जेजुईत पाद्रींनी आगुस्तीन कोयेता लागीं दोंगरार सेंट रॉक नांवाची आनीक एक कॉलेज बांदली आनी उपरांत तिका 'नीव कॉलेज ऑफ सेंट पॉल' म्हण नांव दिलें. तशेंच 1569 ह्या वर्साक जेजुईत पाद्रीनी मडगांव साश्ट गोंय हांगा भुरग्यां खातीर मुळावी शाळा सुरू

केली आनी तिका 'हॉली स्पिरीट कॉलेज' म्हण नांव दिलें. “हे कॉलेजींत फक्त 14 जेजुईत पाद्रीं शिकताले आनी थियोशास्त्र, कोंकणी आनी पुर्तुगेज भास शिकयताले. कांय वर्सांनी ही कॉलेज राजा अदील शाह हांणी उजो घालून ती नश्ट केली. उपरांत हांगा गांवच्या भुरग्यां खातीर शाळा बांदली जी आजून लेगीत आसा”[4]. 1610 वर्सा ही कॉलेज राजा अदील शाह हांच्या हातांतल्यान वाचोवपा रायतूरच्या गांवांत हाडली. थंय पुर्तुगेजाचो किल्लो आशिल्लो आनी चारूय वाटांनीं उदक आशिलें. फा. ऐरमिटो हाच्या मतान “सुरवेक तीन वर्सां ही सेमिनार रायतूरचे इगर्जेंत आसली. मागीर ती सद्याक आसा ते सुवातेर स्थालंतरीत जाली”.[5] तेन्ना सावन कोंकणींतल्यांन वावर जावपाक लागलो. तातूंत फादर थॉमास स्टीफन्स, फादर मिंगेल द आलमेदा, फादर इनाजियो आर्कोमोनी, फादर जुवांव द पेद्रोज, फादर कारेल प्रिक्रिल अशे साभार पाद्रीं आसात, जांणी वेग- वेगळे तरेन कोंकणी भाशेच्या वावराक आदार दिलो.

डॉ. डॅनीस वाज हांणी सांगला ते मता प्रमाण “गोंयांत पयलीं फ्रांसिस्कन पाद्रीं आयलें आनी उपरांत जेजुईत पाद्रीं आयलें.”[6] फ्रांसिस्कन पाद्री मठानीं रावताले आनी धर्म प्रचार करताले. पूण फ्रांसिस्कन पाद्रींची परिस्थिती, जेजुईत पाद्रीं परस खूब सकयल्या पांवडयाची आसली. फ्रांसिस्कन पाद्रीं कडेन स्वताचो छापखानो नाशिल्लो. पूण जेजुईटत पाद्रीं कडेन तांचो स्वताचो

छाप्पकानो आशिल्लों जो रायतूरचे सेमिनारींत आशिल्यान जेजुईट पाद्रिंनी कोंकणी भाशेक आदार दिलो. ते मेरेच्यान कोंकणी साहित्यची निर्मणी जावपाक लागली. तशेंच फ्रासिस्कन पाद्रींनी कोंकणीच्या वावरांक पयलो फुडाकार घेतलो आनी कोंकणीच्या भाशीक आनी साहित्यीक वावराक म्हत्वाचो हातभार लायलो. तशेंच कोंकणी सरस्पतीचो इतिहासा ह्या पुस्कांत मांडलां ते प्रमाण "पुर्तुगेजांनी, पाद्रींक कोंकणी भास शिकोंवपा खातीर तांच्या जाळवणदारांनी गोंयांत रायतूर, चोडणां आनी म्हापश्यां शाळा आनी संस्था उगडल्यो. त्यो खूब तेप बरयो चल्यो. 1556त गोयांत भारतांतलो पयलो छापखानो रायतूर गावांत पावलो आनी थंय कोंकणींतल्यान काम जावपाक लागलें"[7]. आनी आयज पासून कोंकणी भाशेक चालना मेळटा.

## 1.2 विशयाची निवड:- म्हत्व आनी कारण

*हो विश्य निवडपा फाटलें मुखेल कारण म्हळ्यार:-*

ह्या विश्याचेर आयज मेरेन संशोधन पद्धतीन, संस्थे विशीं कोंकणीची वळख जावंक ना, देखून ह्या विशयाचेर खोलायेन अभ्यास जावचो. रायतूर सेमिनारी हे इतिहासीक म्हत्व आशिल्लें संस्थे विशीं आनी कोंकणीक दिल्या योगदाना विशीं लिखीक स्वरूपांन दस्तावेजीकरण जावचें. समाजाक हे संस्थे विशीं जाणीव जावचीं. ही संस्था सद्दया कोंकणी खातीर आपलें योगदान दिता कांय ना हे जाणून घेवपाचो उददेश आसा.

## 1.3 संशोधनाची व्यापती आनी मर्यादा

गोंयांत जायत्यो सेमिनारी आसात, जंय भुरग्यांक पाद्रीपणाचें शिक्षण मेळता. देखीक: फा. आगनेल मायनर सेमिनारी- वेर्ना, पिलार सेमिनारी, सेमिनारी ऑफ आवर लॅडी आसगांव, एस.वी.डी मीशन सेमीनारी- राय, सॅट जॉन इन्हानजेलिस्ट सेमिनारी- मापसा, सॅट. चार्ल्स सेमिनारी- पोर्वारी, आसगांव सेमिनारी आदीं ; पूण ह्या प्रबंधिके खातीर गोंयांतल्या सगळ्या सेमिनारींचेर अभ्याक करूंक शक्य जावचे ना वा त्या विश्याक न्याय दिवंक पावचें ना, देखून ह्या गोंयची मुखेल आनी म्हत्वाची पुर्तुगेजांनी बांदिल्ली आनी पुराय आशियांतली व्हडली सेमिनारी रायतूरची पेट्रियाकल सेमीनारी अभ्यासपाक घेतल्या. हो विश्य इतिहासीक नदरेंतल्यान खूब व्हड आशिल्यान तशेंच वेळाची आनी पानांची मर्यादा आशिल्ल्यान, पुराय रायतूर सेमिनारीचेर अभ्यास करूंक घेतली ना, पूण फकत त्या संस्थेन कोंकणीक कितें योगदान दिलां आनी आयज पासून कितलें दिता हाचेर अभ्यास केला. ह्या विशयाचेर लिखीत साहित्य निर्माण जावंक नाशिल्यान, चडशें मौखीक पद्दतीचेर निबून रावचें पडता. तशेंच मुलाखतीक गेल्ले कडेन थोड्यांनी फावो तशी म्हायती दिवंक ना. ह्या विश्याचेर कांय म्हायती पुर्तुगालाक आनी हेर भायल्या देशांत आशिल्यान थंय वचपाक शक्य नाशिल्यान थंयची म्हायती एकठावपाक पावली ना. तशेंच कांय म्हायती पुर्तुगेज, लातीन आनी हेर

भासांतल्यान आशिल्ल्यान आनी त्या अभ्यासपाक भाशेची जाण नाशिल्लयान ती म्हायती घेतिलती ना. तशेंच कांय लिखीत पुरावे आनी दस्तावेज शेणील्ले आसात. जाका लागून ह्या प्रकल्पाक पुरायतायेन न्याय दिवपाक मेळ्ळो ना.

## 1.4. संशोधन विशयक समस्या

'पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान' ह्या विशयाचेर आजून कोंकणींतल्यान वावर जाल्लो ना. रायतूर सेमिनारींत कोंकणी खातीर योगदान दिवपी व्यक्तींची म्हायती लोकां मेरेन पावली ना. गोंय मुक्ती पयलीं आनी गोंय मुक्ती उपरांत, सेमिनारींत कितले मेरेन कोंकणीचो वावर जाला हें आजून लिखीत स्वरूपांत आयले ना.

## 1.5. संशोध विशयाची उपयुक्ता वा आवश्यकता

*संशोधन विश्याची भास आनी साहित्य क्षेत्रांत आवश्यकता*

'पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान' ह्या विशयाचेर सोद वावर केल्या उपरांत रायतूर सेमिनारीची इतिहासीक फाटभूंय आनी तिचे म्हत्व लोकां मेरेन पावतलें. हे संस्थेन कोंकणी खातीर कसलो आनी कितलो वावर आयज मेरेन केला, हें जाणून येतलें. वेग-वेगळ्या पाद्रींनी कोंकणी भाशेच्या उदर्गती खातीर वावर केला हें जाणूंक येतलें आनी लिखीत स्वरूपान दस्तावेज जातलें. जाचो वापर कोंकणी

शिकतल्या विद्यार्थ्यांक जातलो. फुडाराक ह्या विशयाचेर कोणूय खोलायेन वावर करपाक सोदता तांकां फायदयांचें जातलें

## 1.6. संशोधनकार्यांची उद्दिश्टां

- रायतूर सेमिनारीची फांटभूय सोदलां.
- सेमिनारींत कोंकणी खातीर केल्लें भाशीक, धर्मीक आनी शिक्षणीक योगदान जाणून घेतली.
- कोंकणी खातीर खंयच्या-खंयच्या पाद्रींनीं आनी हेर व्यक्तीनीं योगदान दिलां तें सोदून काडलां.
- जेजूईट पाद्रींचो वावर सोदून काडलां.
- गोंयचें दायज आनी कोंकणी भास राखपा खातीर रायतूर सेमिनारींत वेग-वेगळ्यो कार्यावळी घोडून हाडून केल्लो वावार हांचो संस्कृतीकतीक अभ्यास केलां.
- संस्थेन कोंकणीचे उदर्गती खातीर आयज मेरेन कितलें योगदान दिलां तें सोदून काडलां.

## 1.7 संशोधनविशयाक साहित्याचो आढाव

*सोद*, तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, *Konkani sod potrika:12*, September 2007. ह्या पुस्तकांत मिशनरी पाद्रीनी गोंयांत येवन कोंकणी भास, साहित्य, संस्कृताय आनी शिक्षणाच्या मळार कशें तरेन

योगदान दिलान हाचे विशि म्हायती आसा. तशेंच भासविज्ञानाच्या मळार मिशनरी पाद्रींचो वावर आसा. Dr. Shirodkar *P.P. Fortresses and Forts of Goa. Prasad, Directorate of Art and Culture.* Government of Goa. ह्या पुस्तकांत रायतूर ह्या किल्या विशीं म्हायती आसा. Albuquerque Teresa. *Goa: The Rachol Legacy*. Published by Joseph Fernandes and printed by him at weden offset Private L.T.D Matsunaga, Mumbai. 1997. ह्या पुस्तकांत पुराय रायतूर गांव, ताचो इतिहास, आनी सेमिनारी हांचे विशीं म्हायती आसा. Ataide de Mousinho. *Rachol*. Rachol seminary,Goa. 2010-2012.ह्या पुस्तकांत रायतूर गांवची तोडक्यान म्हायती आसा. Pereira Antonio. *The Makers of Konkani Literature.* Published by Antonio Pereira, 1982. ह्या पुस्तकांत कोंकणी भाशेक त्या सुरवातेच्या काळार कोणे कोणें आपलें योगदान दिले हाची म्हायती आसा. तशेच कांय पाद्रीचो वावर ह्या पुस्तकांत आसा. वेरेकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर. कोंकणी *भास, साहित्य आनी संस्कृताय.* कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय. 2003.(ह्या पुस्तकांत कोंकणी भास, भाशेचो उगम, कोकणी खातीर केल्लो कांय लोकांचो आनी पाद्रीचो वावर तशेच कोंकणी साहित्य आनी कोंकणी

संस्कृताय विशीं म्हायती आसा. डॉ. गोमिश ओलिवीऱ्यु. *कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास.* कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय. 1989. ह्या पुस्तकांत कोंकणी भास आनी तिचो उगम हाचे विशीं म्हायती आसा.

## 1.8 गृहितकांची मांडणी

रायतूर सेमिनारी हे संस्थेची भाशीक आनी साहित्यीक वळख जाली. जायत्या व्यक्ती आनी पाद्रिनीं दिल्ल्या योगदानाची वळख जाली. कोंकणी आनी हेर भासांचो कितलो वावर जाला हाचेर अभ्यास जालो. सेमीनारी, कोंकणी समजाक आनी कोंकणी भाशे खातीर ज्यो कार्यावळी घडोवन हाडता ताची जाणीव जाली. रायतूर सेमिनारी आयज पासून कितलें मेरेन योगदान दिलां तें जाणून आयलें.

## 1.9. संशोधन पध्दती

ह्या प्रबंधिके खातीर म्हायती एकठांय करपाक मुखेलपणात सर्वेक्षण पध्दीचो वापर जातलो. ह्या पद्‌दतीच्या आदारान वेग-वेगळ्या पाद्रीं कडच्यान मुलाखत घेवन रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदाना विशीं म्हायती मेळटली. सर्वेक्षण पद्‌दतीच्या आदारान एकठांय केल्ल्या म्हायतीचें लेखन करपा खातीर वर्णात्मक पद्‌दतीचोय वापर जातलो. प्रबंधिकेचो चवथो अध्याय "*स्थापणुके सावन गोंय स्वातंत्र्य मेरेन*

*सेमिनारीचें कोंकणी खातीर योगदान"* आशिल्ल्यान वेग वेगळ्या मिशनरी पाद्रींचो वावर सोदून काडपा खातीर इतिहासीक पद्तीचो वापर जातलो. तशेंच रायतूर गांवची वळख दिताना गांवचो समाजीक आनी संस्कृतीक अभ्यास करपा खातीर समाजशास्त्रीय पध्दतीचो वापर जातलो.  एकठांय केल्ली म्हायती बरोवूंक वर्णात्मक पद्धतीचो वापर ह्या प्रबंधिकेंत जालो.

## 1.7. संशोध विशयाची उपयुक्ता वा आवश्यकता

*संशोधन विश्याची भास आनी साहित्य क्षेत्रांत आवश्यकता*

'पुर्तुगेज काळांत स्थापन केल्ल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणीक योगदान' ह्या विशयाचेर सोद वावर केल्या उपरांत रायतूर सेमिनारीची इतिहासीक फाटभूंय आनी तिचे म्हत्व लोकां मेरेन पावतलें. हे संस्थेन कोंकणी खातीर कसलो आनी कितलो वावर आयज मेरेन केला, हें जाणून येतलें. वेग-वेगळ्या पाद्रींनी कोंकणी भाशेच्या उदर्गती खातीर वावर केला हें जाणूंक येतलें आनी लिखीत स्वरूपान दस्तावेज जातलें. जाचो वापर कोंकणी शिकतल्या विद्यार्थ्यांक जातलो. फुडाराक ह्या विशयाचेर कोणूय खोलायेन वावर करपाक सोदता तांकां फायदयांचें जातलें.

## संदर्भ

1. म्हामल मिलिंद. *गोंय मुक्तीचो इतिहास.* एरिअल प्रिंट, गोवा वेल्हा गोंय, 2022. पान. 9.

2. https://pilarmuseum.org/portuguese-conquest/
3. डॉ. गोमिश ओलिवीऱ्यु. *कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास*. कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय. 1989 पान. 19.
4. तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र. *सोद. Konkani research bulletin:12.* पान.61.
5. 7th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा रायतूर इगर्जेचो पादविगार फा. ऐरमिटो रिबैलो. हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत
6. 10th एप्रील 2024 ह्या दिसा डॉ डॅनीस वाज हांचे कडेन घेतिली मुलखत.
7. डॉ. गोमिश ओलिवीऱ्यु. कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास. कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय. 1989 पान. 19.

# प्रकरण 2.

# 2. रायतूर गांवची वळख

2.1 गांवचो इतिहास

2.2 गांवची समाजीक वळख

2.3 गांवची संस्कृतीक वळख

# प्रकरण 2: रायतूर गांवची वळख

## 2.1. गांवचो इतिहास

गोंय राज्यांतल्या दक्षीण गोंय जिल्ह्याच्या साश्ट तालुक्यांतलो एक ल्हान गांव म्हणल्या रायतूर. हो गांव जुवारी न्हंयचे देगेर स्थापीत जाल्लो आसा. भुगोलीक आनी राजकी नदरेंतल्यान ह्या गांवच्या सरभोंवतणीं तीन दोंगर आनी एके वटेन न्हंय आसा. तशेंच उत्तरेक आनी पच्छिमेक राय गांव जाल्यार दक्षिणेक कुडतरी गांव आसा. तशेंच उदेंते वटेन जुवारी न्हंय व्हांवता. ह्या गांवांतल्यांन पलतडच्या गांवांत म्हणल्यार शिरोडा वचपाक आदी सावन फॅरी बोटींची सुविधा आसा.

*"इल्हा द राशोल" (Island of Rachol)* हो सोबीत जुंवो रायतूर गांवचो एक भाग आसा. ह्या जुंव्याक लागून ह्या गांवची सोबितकाय वाडट्टा. “इल्हा द राशोल” वा "*जुंयार*" हो नागरी नदरेंतल्यान एक पंचायत आसा. धर्मीक नदरेंतल्यान एक इगर्ज मेळून हो गांव तयार जाता. तशेंच ह्या गांवांत 7 वाडे आसात. ते म्हळ्यार कुंड्याभाट- सायलाभाट, इगर्जेवाडो, सिमिनारीवाडो, पियेदाद वाडो, ताकांवाडो, दोंगरा वाडो आनी “इल्हा द राशोल”. इल्हा द राशोल हाचे उप वाडे आसात. रायतूर पंचायतींतल्यान मेळिल्ले महायती प्रमाण पुराय गांवांत 494 घरां आसात. *'प्रासा दे राशोल'* 220 घरां आसांत तांतूतलीं सात हिंदूची आनी एक मुसलमानाचें घर आसा. तशेंच 'प्रासा दे

राशोल' 273 घरां आसात. तातूंत एक घर मुसल्मानाचें आसा. हो रायतुरचो गांव इतिहासीक नदरेन म्हत्वाचो. इतिहासीक म्हत्व आशिल्ल्यो वेग-वेगळ्यो इमारती ह्या गांवांत सांपडटात. तशेंच ह्या गांवचें सैमीक वातावरण गिरेस्त आसा. तशेच शेतां भांटानी भरिल्लो आसा. ह्या गांवचो इतिहास नियाळपा सारको आसा. 'रायतूरा' हें उतर काडना फुडें रायतुरचो किल्लो, रायतूरची सेमिनारी, रायतुरची इगर्जें आनी हेर इतिहासीक म्हत्व आशिल्लीं कोपेला, सिमितेर आनी गांवचे हेर दायज मुखार येता.

फा. ऐरमिटो रिबैलो, हांच्या मतान "आदल्या काळार हो गांव राय गांवचे परस एक वेगळो गांव नासलो, पूण रायचोच एक भाग म्हळ्यार रायचो एक वाडो आसलो; राय गांवचीं आनी रायतूर गांवचीं एकूच कोमनिदाद आसली. तशेंच 'इल्ल द राशोल' होवूय रायचोच एक वाडो आसलो. उपरांत राय आनी रायतूर हे दोनूय गांव वेगळे जाले. हाका लागून हो गांव आकारान ल्हान आसा."[1]

*'रायतूर' (Raitur)* हें मूळ कोंकणींतलें नांव. *'राशोल' (Rachol)* हें पुर्तुगेजानीं दवरिल्लें नांव. इतिहासकार हॅन्री हेरास आनी पी. एस्. एस्. पिसुर्लेन्कार हांणी 'गोवा: द राशोल लॅगसी' ह्या पुस्तकांत मांडला ते प्रमाण "रायतूर हे उतर *Ray* (Royal)+*Chalu* (Port) ह्या उतरांच्या आदारान तयार जालां"[2]. 'रायतुरा' म्हळार *Port Of King,* 'राय' म्हळार (राजा*)* आनी 'तूर' म्हळ्या

(बंदर) तशेंच *Royal Town Or Harbor* अशेय ताचो अर्थ दिल्लो आसा."[3] त्या काळार रस्ते नाशिल्यान राजा आनी हेर लोक दर्या मार्गांतल्यान यो वच करताले. फा. ऐरमिटो रिबैलो हांच्या मता प्रमाण "त्या काळार ह्या गांवांत धोको (बंदर) बांदिल्लो. पुर्तुगेज गोंयांत येवचे पयलीं ह्या गांवांत व्हेपार-धंदो (Trade) चलतालो. अरबी आनी हेर देशांतले लोक खाजूर, मसालो आनी हेर सामान घेवन येताले. हो गांव हेर गांवां पसर गिरेस्त आशिल्लो."[4] "ह्या गांवांत पयली 'प्रासा दे राशोल' म्हणटाली *('Praca' is a Portuguese word meaning square or a carrier stand, or a commercial hub)* आनी कांय जाणा आजून पासून म्हणतात. हांगा पयली वेपार बरो चलतालो. ही सुवात वेपारी सुवात आशिल्ली. तशेंच ह्या गांवांत कोट्ट (किल्लो) म्हणटात. ह्या न्यायसभा (कोट्ट) आशिल्ली."[5]

फा. ऐरमिटो रिबैलो हांच्या मतांन "रायतूर गांवचो लोक मुळांत ह्या गांवचो न्हय. हो सथलंतरांतल्यान राबितो जाल्लो लोक जावन आसा. ह्या गांवांतल्या लोकांक पुर्तुगेजाच्या जेजुईट पाद्रींनी कॅपें आनी साश्ट तालुक्यांल्यांन हाडिले. जेजूईट पाद्रिनीं हो जुवो घेतीलो. आपलो धर्मप्रचार करपाक नव्यो काबिजातिच्या काळार कॅपें आनी साश्ट तालुकांतल्यान लोकांक हाडून थंय घातिले"[6]. फा. ऐरमिटो रिबैलो हांच्या मतान आनी 'राशोल' ह्या पुस्तकांत मांडलां ते प्रमाण "ह्या गांवांत सुमार 1787 वर्साक

दुसमानांनी हो किल्लो नश्ट केलो. ह्या गांवांत ह्या गांवांत वोशाची पिडा (Plague) ही महामारी पडली. पिडेचे भिरांतेन घरां सोडून गेले. पळून वचून राय, मडगांव, कुडतरी, आनी हेर लागिच्या गांवांत रावलो. हो गांव नश्ट जालो. गांवांतलीं सगळीं घरां मोडून गेलीं. ह्या गांवांत फकत दोनूच इमारती उरिल्यो. त्यो म्हळ्यार रायतूरची इगर्ज आनी रायतुरची सेमिनार. त्या काळार हो गांव व्हडले मनशांचो, म्हळ्यार फिदालगांचो (Noble people) आनी मोर्गादोज (Elite people) हांचो आशिल्लो. वीस पुर्तुगेज कुटुंबाची घरां त्या गांवांत आशिल्लीं"[7]. तशेच सुमार 5000 तें 6000 लोक ह्या गांवांत आशिल्लो. हे पिडेक लागून ह्या गांवांत एकूय मनीस रावंक ना. तशेच मिनिनो सिक्वेरा हाच्या सांगणया प्रमाण "रायतुरचे शिमेर म्हळ्यार राय गांवांत कलामुर्ती ह्या सुवातेर 'चांद दे बाजार' नांवांचो एक व्हड बाजार आसलो. लोक थंय आपलो वेपार धंदो करतालो. हे पिडेक लागून हो बाजार मडगांवां वयलो. हेच खातीर आयज पासून मडगांवां रायकार नांवाचे वेपारी दिसतात"[8]. कांय काळांन ही पिडा सोंपली. इल्लें-इल्लें करून गांवांत लोक येवपाक लागलो. रोगाक लागून राय आनी जुयांर पळून गेल्लो लोक इगर्जेचें कर्तव्य पाळपाक रातुरचे इगर्जेंत येताले. सुमार 20व्या शेंकड्याच्या सुरवेक हो गांव परतून सुरू जालो. ह्या गांवांत कोणूच नीज आनी मुळावो लोक परतून येवंक ना. आतां हांगा स्थालांतरीत जाल्ले लोक आसा. रायतूरचे

गांवांत, भितर सरता तेन्ना आर्क आसा. तो त्या काळा वयलो किल्ल्याचो दारवंटो आसलो. फा. ऐरमिटो रिबैलो हांच्या सांगण्या प्रमाण, “सर भोंवतणींच्या लोकांनी हांतानी बांदून उदक भितर घेतिलें आनी हो गांव एक जुंवो कसो तयार केल्लो. ते काळार झुजां आनी गॅर्रां चड जातालीं आनी किलयाचेर लोक आक्रमण करताले. देखून हो गांव अशे तरेन बांदिलो, कोणूच दुस्मान भितर सरचो न्हय म्हण. ह्या गांवांत भितर सरपाक दोन वाटो दवरिल्ल्यो. एक जमनिची वाट *(Door of land)* आनी दुसरी वाट दर्या वाटेनची *(Door of water).* उदेंतीक दर्याची जाल्यार अस्तंतेक जमनीची. दारवटया कडेन एक राखणदार दवरलो. थंय एक साकोव आनी एक दारवंटो आशिल्लो.”[9]

ह्या गांवां भितर सरतनाच एक आर्क आसा. हो आर्क वा दारवंटो पुर्तुगेजांनीं बांदिल्लो. हो किल्लो पुर्तुगेज येवचे आदी सावन आशिल्लों. हो किल्लो चड करून मुसलमान सुलतान भिजापूर हांच्या काळार बांदिल्लो. ह्या किल्ल्याचो उपेग पुर्तुगेजांनी केलो. त्याच बुन्यादिचेर हो किल्लो आनीक मातशे नटयलो. कॉर्ट आनी कादय बांदली. गांवांत आदी पुलीस स्टेशन आशिल्लें तशेच वेग-वेगळे तरेचे ऑफीसर तशेंच नॉबल्स ह्या गांवांत रावताले. हो गांव बरो विकसीत जाल्लो.

## 2.2. रायतूरचो किल्लो

रायतूरचो किल्लो साश्ट वाठारांत जुवांरी न्हंयचे उजवे वटेंन शिरोडा गांवांक तोंड करून जुंव्याचेर आशिल्लो. हो पुर्तुगेज काळांतलो भोव म्हत्वाचो किल्लो. ह्या किल्ल्याची राखण सुमार शंबर बंदुकांनीं केल्ली. “हो किल्लो बहामनी मुसलमान राजवंशाच्या काळांत बांदिल्लों. उपरांत हो किल्लो बिजापूरच्या आदिलशाहान जप्त केलो. विजयनगर वंशाचो राजा श्रीकृष्णादेवा राया (1509-1529) हाणें आदिलशाहा कडल्यान जप्त केलो. सोळाव्या शेंकड्यांत हिंदू राजा कृष्णादेवरायान पुर्तुगेजाच्या आदारान अदिलशाहक हारायलो आनी कोची सावन प्रशासन करपी गव्हर्नर डिओगो लोपेस द सिक्वेरा (1518-1522) हांच्या काळांत ताच्या ह्या आदाराचो इनाम म्हण कृष्णादेवरायान हो किल्लो पुर्तुगेजांक भेट दिलो. व्हायसरॉय आयरेस द साल्दान्हा (1600-1605), 1604 वर्सा ह्या किलयाची परत बांदावळ जाली. तशेच आठ दशकां उपरांत संभाजीच्या घुरये उपरांत 1684 ह्या वर्सा ताची नवी पुनर्बांदणी केली. 1794 वर्सा आलोर्नांचो पयलो मार्कीस पेद्रू मिगेल द आल्मेदा पुर्तुगाल ई वास्कोन्सेलोस हांच्या आदेशा खाला तातूंत नवी सुदारणां केली. तशेंच ह्या किल्यांत कादय आशिल्ली. कांय काळांत हो किल्लो दुस्मानांनी नश्ट केलो. आयज ह्या किल्याचे फकत प्रवेश दार दिश्टी पडता.”[10] नश्ट केल्ल्या किल्ल्यांत जोडिल्ले सांत आंतोनिचें कोपेल आसा जें साश्ट वाठारांतल्या

सगळ्यांत पोरणे कोपेल. तें “31 नोव्हेंबर 1834 ह्या दिसा, पुर्तुगेजान आदेशा केलो आनी 31 नोव्हेंबर 1834 ह्या दिसा ताची जमनी पुर्तुगेज राष्ट्रीय मालम्तेंत आस्पावन घेतली. आनी सांत आतोनिची मुर्ती राशोलच्या नोसा सेन्होरा द ग्लोरियाच्या कोपॅलांत स्थापीत केली. मंच (Pulpit) लोटलीच्या नोसा सेन्हेरा दो रोजारियो हांगा स्थापीत केलो. तशेंच 1841 वर्सा जॉस्फ जोआकीन लोपेस द लिमा हांणी 30 नोव्हेंबर 1841 ह्या दिसा दिल्ल्या आदेशावरवीं लश्करीत जाल्ल्या रायतूर किल्ल्यांत आशिल्ली कादय रेस मागोश पणजी ह्या किल्ल्यांत वयली.”[11]

## 2.3 इगर्ज

गोंयच्या इतिहासांत राजकी आनी धर्मीक मळार रायतूरचो गांव खूब इतिहासीक आसा. रायतूर प्रदेशांतल्यान जेझुईट पाद्रींनी आपलो वावर सुरू केलो. ह्या गांवांत पयलीं इगर्ज नाशिल्ली, पयलो किल्लो आशिल्लो. फा. ऐरमिटो रिबैलो हांच्या मतान “हांगा इगर्ज येवचें पयली ह्या गांवांत सांत जुआंव दे बातिस्ताचें कॉपेल, खुरसार खिळाल्ल्या जेझुचें कॉपेल आनी सांत आंतोनिचें कॉपेल आसलें उपरांत इगर्ज बांदली”[12]. “1556 वर्साक रायतूर किल्ल्या भितर रावपी सैनीक आनी अधिकाऱ्यां खातीर मातेच्या वण्टींनी आनी तणाच्यो आलाशिरो तयार करून पयलें कॉपेल बांदलें. उपरांत जेजुईतान ती फातरांनीं बांदलें तें नेवीस सायबीणीक (Our lady of snow)

संमर्पीत केलें. रायतुची इगर्ज, रायतुरची पयली इगर्ज आशिल्लयान तिकां साश्ट वाठांरातली 'माय इगर्ज' (*Matriz*) अशें म्हणतात. 1596 वर्साक ही इगर्ज परतून बांदली. 1596 वर्साक फा. इनासियो रिबैलो हो रायतुरच्या नेवीस सायभाणीच्या इगर्जेंत पयलो जेजुईट पाद्री विकार (Parish priest) आशिल्लो. तशेंच 66 जेजुईट पाद्रीं ह्या इगर्जेंचें सेवेक आशिल्ले. आनी निमाणे 1759 वर्साक फा. मानुवेल डायस हो पाद्री विकार आसलो".[13]

'इल्हा दे राशोल' ह्या जुंव्यार रावपी लोकां खातीर जेजुईट पाद्रींनीं एक कपेल बांदलें. हें कपेल ऑवर लॅडी ऑफ ग्लौरिया हिका संमर्पीत केलें. तशेंच जेजुईट पाद्रींनी ल्हान-ल्हान कपेलां ह्या गांवांत बांदलीं. तशेंच प्रासा दे राशोल हांगा इगर्जेच्या रस्त्या कुशीक आशिल्ल्या सांत आंतोनीच्या कपेलांत 18 जुलाय 1583 ह्या दिसाचे राती कुंकोळी बंडातले फा. थोमास स्टिफन्स हांणी हाडीलें पवित्र अवशेश हांगा दवरलें. हें कपेल रायतूर किल्ल्याचो एक भाग आशिल्लें"[14]. ह्या गांवांत दोन सिमितेरी आसात. एके सिमितेरींत पयलीं पुर्तुगेज काळांत सैनिकांक पुरताले आनी दुसरे सिमितेरेंत गांवच्यो लोकाक पुरताले. हांगासर पाद्री आंगनेल हाचो फोंड आसा.

## 2.4 कुंकळी बंड (Cuncolim Revolt)

रायतूर गांवचो आनीक एक इतिहास म्हळ्यार कुंकळी बडांत शहीद जाल्ले पांच जेजुईत पाद्रीं रायतूरचे इगर्जेंत पुरिल्ले आसात. "1583 वर्साक जुलाय

म्हन्यांत पांच जेजुईत पाद्री फा. रुदोल्फ ऑक्वाविवा, फा. पॅरो बॅर्नो, फा. आंतोनियो फ्रांसिस्को, फा. आल्फोनस पाचेको आनी फा. फ्रांसिस अरान्हा हांकां धर्म प्रचार आनी हेर धर्मीक कारणांक लागून कुंकळीच्या गांवांत ताकां जिवेशीं मारले. तांच्यो कातरिल्यो कुडी रायतूरच्या इगर्जेंत हाडल्यो. ही साश्ट वाठारांतली पयली इगर्ज. पुर्तुगेजाचे सगळे मिश्नरी पाद्रीं ह्या इगर्जेंत रावताले, देखून तांकां हांगा हाडून पुरलें"[15]. "1597 मेरेन तांचे फोंड दवरले आनी उपरांत तांचो फोंड उगतो करून तांची हाडां अर्दीं रोमाक व्हेली आनी अर्दीं हाडां 1862 ह्या वर्साक सॅट कॅथिड्रल ऑल्ड गोवा हे इगर्जेंत सांक्रिस्तीक दवरली. उरिल्लीं कांय हाडा रायतूर इर्गजेच्या आलतारा लागीं आशिल्ल्या पांवड्याचेर पुरल्लीं आसात. तशेंच ह्या पांचूय पाद्रींचे फोंड ह्या इगर्जेंत आयजूय आसात."[16]

### 2.5 सांकव

रायतूर गांवांत जायते इतिहासीक इमारत्यो आनी हेर इतिहासीक दायज आयज पासून दिश्टी पडता. ते म्हळ्यार रायतूर इगर्जे लागीं शिरोडा वचपाक फॅरी आसा. थंय शेंकड्यांनीं वर्सां आदीं पुर्तुगेज तेंपार बांदिल्लो सांकव आसा. हो सांकव फातरांन बांदिल्लो. हो सांकव बांदपाक शिमिटाचो मातूय लेगीत वापर केल्लो ना. पूण locking system वापरून हो बांदिल्लो आसा. आयज पासून इतल्या शेंकड्यानी हो सांकव अखंड आसा.

## 2.2 गांवची समाजीक वळख

### 2.2.1 समाजाची संकल्पना आनी व्याख्या

"मनीस जातिचो वा मनशाच्या समुहाचो जेन्ना उल्लेख जाता तेन्ना दोळ्यां मुखार येता तो समाज. समाज हो घडटा तो मनशाक लागून, मनीस जेन्ना एकठांय आयलो तेन्ना व्यवस्थीत रितीन जगपा खातीर कांय नेम आनी कांय पद्धती तयार केल्यो. ह्यो तयार करपी मनशांक 'समाज' अशें नांव पडलें. समाज शास्त्र समजून घेवपाक जाय जाल्यार सगळ्यांत पयलीं 'समाज' उतर समजून घेवप गरजेचें थरता. सामान्य रितीन समजून घेतलें जाल्ल्यार समाज म्हणल्यार मनशांचे समूह"[17]. इंग्लीश भाशेंत समाजाक 'society' म्हणटात. "Society unlike culture is not limited to human kind. In the general sense, society refers only to an association of living creatures functioning in organized relationship of mutual dependence".[18] समाजशास्त्राचो विवेचनाचो विशय आसता 'समाज' व्यवहारीक रुपान पळयल्यार समाज ह्या उतराचो प्रयोग मनशांच्या गटा खातीर करता. पूण अशे तरेन समाज उतराचो अर्थ वास्तवीक रुपान स्पश्ट जायना. ह्या संवसारांत मनीस केन्नाच एकलो रावंक शकना. ताका सदांच कोणाची तरी गरज लागता."[19] "society refers to the people who interact in a defined territory and share

culture”[20]. मनशांच्या जिणेंत एक नेम आसता. ह्या संवसारांतलो जण एक मनीस त्या नेमा प्रमाण वागता. एका जातीचे वा एका धर्माचे लोक सदांच एकवट करून आसतात. होच नेम जनावरांक आनी हेर प्राणयाक लेगीत लागू जाता. त्या त्या जातीची जनावरां संदाच एकठाय रावतात. हेंच समाजाचें खाशेलपण आसता.

“एकठांय रावप हो समाचो मूळ धर्म आसा. एकठांय रावप म्हणल्यार कोणें एकठांय रावप? एका विशिश्ट जातीच्या लोकांनी. तेच तरेन समाजांत कसलेंय पावल उखलतना लोक कितें म्हणीत हाचो जण एक मनशाक भंय आसता. होच लोक म्हणल्यार समाज”[21]. ह्या समाजांत आपली प्रतिश्टा राखून दवरपाक मनशाची सदांच धडपड आसता”[22]. इमायल डरकायन म्हणटा "society is more than the individual who compose it, society has a life of its own that stretches beyond our personal experience. Society was here long before we are born, it shapes us while we live, and it will remain long after we are gone.”[23] मनीस ह्या समाजांत कितलोय एकलो उरलो म्हणला जाल्यार लेगीत हेर समाजांतल्या लोकां लागी ताका संपर्क दवरचो पडटा.

### 2.2.2. गांवचो वेवसाय

रायतुरचो गांव ल्हान आसून लेगीत ह्या गांवांत शेती  वेवसाय आनी तशेच हो गांव जुवारी न्हंयचें देगेर आशिल्यान नुस्तेमरी वेवसाय मुखेलपणात दिसून  चलता. तशेंच त्या काळार जेजुईटांनी थळाव्या लोकांच्या फायद्या खातीर उजवाडायल्लीं Arte Palmarica नांवाची नामनेंची कबलाती, ह्या शेती नाशिल्ल्या जुंव्याचेर लागू केल्ल्यान आयज पासून 'इल्हा दे राशोल' हांगा पांचविचार शेतां दिसून येतात. प्रासा दे राशोल मुखेलपणान शेती वेवसाय करतात जाल्ल्यार इल्हा दे राशोल नुस्तें मारी हो वेवसाय करून आपलो घराबो चलयतात. ह्या गांवचे दादले नुस्तें मारतात आनी बायलो व्हरून तें सांतेमोळ, राय आनी मडगांव विकतात. इल्हा दे राशोल ह्या गांवच्यो बायल्यो चड कश्टकरी आसात. 'इल्ला दे राशोल' हांगां चड प्रमाणांत क्रिस्तांव गावडा खारवी समाजांतले लोक आसात. तशेंच 'प्रासा दे राशोल' हांगा क्रिस्तांव बामण, सुदीर, गावडा आनी हेर जातिंतले लोक रावतात.

### 2.2.3 भास शैली

इंडो-युरोपी ह्या भाशीक कुळांतल्यांन आयिल्ली कोंकणीची साश्टी बोली ह्या थळाव्या लोकांची भास आसा. सगळें रायतूर गांवाचे लोक ही बोली उलयतात. तशेंच ह्या गांवांत आशिल्ली पुर्तुगेज वंशाची पिळगी (Elite people) आनी त्या काळा वयली जाण्टी आयज पसून पुर्तुगेज भास उलयतात. टी.वी.,

मोबायल आनी शाळेंत इंग्लीश ही मुखेल भास जाल्ल्यान ह्या गांवची आतांची पिळगी इंग्लीश भास उलयतात. तशेंच गोंयां भायले, ह्या गांवांत स्थलांतरीत जाल्ले लोक हिंदी भास उलयतात. इल्हा दे राशोल हांगा क्रिस्तांव गावडा खारवी समाजाची बोली उलयतात. ह्यां गांवांत कांय पारंपारीक नुस्त्यामारी आनी शेती वेवसायाची उतरांवळ मेळटा.

## 2.3 गांवची संस्कृतीक वळख

### 2.3.1. संस्कृतायेची संकल्पना

प्रत्येक समाजांत वा वाठारांत आप-आपली एक खाशेली जिवन पद्दत आसता. तांची जीण राहणीमान, विचारधारा, रिती, परंपरा, आदी. दर एकल्याची वेगळी जीण आसता. अशें आसलें तरीय, ही जीण त्या-त्या वाठाराचें खाशेलपण जावन मुखार येता. हें खाशेलेपण म्हणल्यारा 'संस्कृती'. 'संस्कृती' अशें म्हळ्यार त्या थरावीक वाठारांतल्या लोकाचो भेस, खाणां-जेवणां, सण-उत्सव, फेस्ता, धर्मीक विधी देव- देवा कडेन आशिल्ले संबंध, ताचे वयलो भावार्थ, हें दिसून येता. तशेंच श्रध्दा वा अंधश्रध्दा हांचोय आसपाव संस्कृतीत जाता. संस्कृती वरवीं, बऱ्या वायट गजालींची शिकवण मेळटा. संस्कृती वरवीं खाशेल्या समाजाचें म्हत्व कळून येता. एम्. हेरालेम्बोस हाच्यां मतान, "संस्कृती बगर मनशाच्या समाजाची निर्मणी शक्य ना”.[24] म्हणल्यार, मनशां बगर संस्कृती आनी संस्कृती बगर मनशाची

जीण तयार जावंक शकना. दर एका समाजांत संस्कृतीक खूब म्हत्व दिलां. प्रत्येक संस्कृतीची आपली एक सरचना आसता. कोंकणी विश्वकोशांत मेळिल्ल्या म्हायती प्रमाण, "संस्कृती म्हणल्यार, एक जिवन पद्दत. थरावीक वाठारांतल्या, थरावीक काळांतल्या, थरावीक मनीस समुहीचो भौतीक तसो आध्यात्मीक वेव्हार".[25]

संस्कृती वरवीं मनशाचे जिणेक एक नवी दिका मेळटा. करण संस्कृती मनशाक कितें करप आनी कितें करप ना हे सांगता. समाजाचे नेम, नियम वा संस्कार हांची पोसवण करता. संस्कृती मनशाक कशें रावप, खावप, वागप, कसल्या विचारांची मनशान आपले जिणेंत पोसवण करप, भेस कसलो करप, आदीं गजाली शिकयता. म्हळ्यार मनशान आपली जीण, वेवस्थीतपण रिती बद्द कशी जगप हें शिकयता. तशेच मनीस, समाज आनी संस्कृती हांचे मदीं खूब खोल संबंद आसा. मनशाच्या व्यक्तित्वाचे निर्मणेन फकत समाजूच न्हय तर, संस्कृती लेगीत म्हत्वाची थारता. जे तरेन समाज मनशाचें अस्तित्व घडयता तेच तरेन, संस्कृती मनशाची रितीबद्द वेवस्थेंत जगपाक मदत करता".[26] आयज समजांत आनी संस्कृतींत बदल घडत आसात. बदलत्या काळा वांगडाच, कितलीशींच समाजीक आनी सांस्कृतीक मुल्ल्यां मनशाच्या जिणेंतल्यान ना जावंक पावल्यात.

### 2.3.2 गांवांत क्रिस्ती धर्म आनी भावार्थ

रायतूरचो गांव हें एक धर्मीक थळ आसा. ह्या गांवची इगर्ज साश्ट वाठारांतली पयली इगर्ज जाल्ल्यान ह्या इगर्जे विशीं लोकांक जायतो भावार्थ आसा. रायतूर गांवांत रावपी लोक चडसो क्रिस्ती धर्माचो आसा. लोकां मदी धर्मीक विधींचेर, चाली-रितींचेर भावार्थ आशिल्लो. गांवांत ल्हान भुरग्यांक धरून जाण्ट्यां मेरेन धर्मीक कार्या पाळटाल्ले. इगर्जेंत सदांच सकाळीच्या 6:30 वरांचेर मीस जाता. तशेंच ह्या गांवांत जानेवारीच्या पयले तारखे बोम जेझूचें फेस्त व्हड दबाज्यान मनयतात. ते दिसा खास परबेचें मीस जाता. फेस्ताच्या निमतान फेरी भरता आनी रातचे वेळार गांवच्या लोका खातीर तियात्र जाता. गांवच्या लोकांक सोडून हेर गांवचे वा लागींच्या गांवांतलो खास करून राय गांवचो लोक व्हड सख्यांन ह्या फेस्ताक येतात. हें मुखेल फेस्त सोडून ह्या गांवांत आंगस्ताचे पांच तारीख जाल्या उपरांत जो पयलो आयतार येता ते दीस नेवीस सायबिणीचें फेस्त मनयतात. त्या दिसा गांवचीं पयलीं कणसां कातरतात. हें गोंयचें दुसरे कणसाचे फेस्त (*Second harvest festival of Goa*) आनी पयली पवित्र सभा राय गांवांत घडली देखून पयलें कणसाचें फेस्त थंय जाता. ही कणसां आल्तारार दवरून देवाक भेटयतात आनी शेताचेर आशिर्वाद मागतात. तशेंच कांय कणसां पलतडच्या शिरोडा

कामाक्षी देवळांत व्हरून देवीक भेट्यतात. नेवीस सायबीण आनी कामाशी देवी हे दोनूय भयणी असो समज आसा.

तशेंच ह्या इगर्जेंत खुरसार खिळायल्ल्या जेझुची मूर्त आसा. दर म्हयन्याचे पयल्या शुक्राराक हे इगर्जेंत दबाजान मीस जाता. गोंयांतलो हजारानी लोक ह्या मिसाक येवन जेझुच्या मुर्तीक पांया पाडटात आनी भावार्थान मागतात. जायत्यो मिलाग्री लेगीत जाल्ल्यो आसात. अशें म्हणतात, जेन्ना गांवांत पावस पड़ना तेन्ना ही खुरसार खिळायल्ल्या जेझुची मुर्ती भायर काडल्यार रोकडोच पावस येता असो समज आसा.

पाद्री आंगनेल हो जेजुईट पाद्री. ह्या गांवांत आयलो तेन्ना ताणें जायतो बरो वावर केलो. ताणें क्रिस्ती धर्माचो प्रचार केलो. एक बरो मनीस आसलो. ताका रायतुरचे सिमिनारींत सेरमांव करतना मरण आयलें. ताका रायतुरचे शिमतेरींत पुरलो. आयज पासून ताचो फोडं थंय आसा. दर बिरेस्ताराक गोंयचो लोक ताच्या फोंडां लागीं मागणें करूंक येतात. ताच्या फोंडची माती घेवन वता. ही माती उदकांत घालून पिलीं जाल्ल्यारर व्हडातले व्हड दुयेंस बरें जाता असो भावार्थ आसा. पाद्री आगनेलाच्या मोजोतीन जायत्यो मिलग्री जाल्यात. मोनें जल्माक आयिल्लें भुरगें णव वर्सांनी उलोवंक लागलें. ते खातीर ह्या गांवांत ताचे देवस्पण चलता. दर बिरेस्ताराक सांजेच्या स वरांचेर ताचें मीस जाता. ताका आलताराचो मान फावो जाल्यार पुरो म्हण

मागतात. तशेंच 'इल्हा दे राशोल' हांगा आवर लॅडी ऑफ ग्लोरियाचें कपेल आसा. दर मंगळाराक ह्या कपेलांत भागीवंत सांत आंतोनीचें देवसपण चलता. गोंयांतलो हजारांनीं लोक सांत आंतोनीचे श्रद्धेन थंय वतात. ते सुवातेर येवप्यांक जायते बरेपण मेळटा आसा. 12 वर्सां भुरगें नाशिल्ल्यांक भुरगें फावो जालां. दर मंगळार एका- एक गरजे खातीर भेट्यल्लो आसा. पयलो मंगळार भुरगीं नाशिल्ल्यां खातीर, दुसरो मंगळार दुयेंत आशिल्ल्यां खातीर, तिसरो भुरग्यांच्या बऱ्या फुडारा खातीर आनी चवथो कुटुंबा खातीर मागणें. ही सुवात पवित्र आसा. सांत आतोनीच्या मोजोतीन हांगा जायतीं अचार्यां जाल्लीं आसात.

### 2.3.3. गांवांत आशिल्लो हिंदू धर्म

रायतूर गांवांत क्रिस्तांवां वागडां हिंदू धर्म आशिल्लो. पुराय रायतूर गांवांत 8 हिंदूचीं घरां आसात. तातूंतलें एक घर इल्हा दे राशोल हांगासर आसा. हे भायले राज्यांतल्यान आयिल्ले हिंदू आसात. इल्हा दे राशोल हांगा एक देवूळ आसा, जंय एक कुटुंब आपलें देवसपण चलयता. प्रासा दे राशोल हांगा एकूय मंदीर नाशिल्यान ह्या गांवांतलो चडसो लोक शिरोडा कामाक्षी देवळांत वतात. कांय लोक राय सांतेमोळ गांवांत आशिल्ल्या सांतेरी देवळांत वतात. तशेंच ह्या गांवांत चवथ व्हडा दबाज्यान मनयतात. आनी जुवांरी न्हंय लागीं आशिल्ल्यान थंय गणपती विसर्जन करतात. दिवाळी गांवचे हिंदू आनी

स्थालांतरीत जाल्ले हिंदू व्हडा दबाजान मनयतात. तशेंच ह्या लोकाक गांवांत आशिल्ल्या आर्का विशीं भावर्थ आसा.

### 2.3.4 श्रध्दा

ह्या गांवांत एक श्रध्दा आसा. आयज पासून लोकांचो भावार्थ आसा, की प्रवेश दार (आर्क) हांगा एक राखणदार आसा. जाका 'कोटाचो देंवचार' म्हणतात ह्या किल्याचो राखणदार अशेंय म्हणटात. हो देवचार माडा इतलो व्हड, धवी धोती, तकलेक पगडी आनी हांतीत दांडो घेवन थळाव्या लोकांक दिश्टी पडला. हो राखणदार वाट चुकलेल्याक घरा व्हरून पावयता आनी वायट कर्णी करतेल्यांक आनी वायट उलयतल्यांक त्या दारवटया भितर घेना असो लोकांचो समज आसा. तशेंच हो रखणदार थंयच्या शेता-भाटांची आनी गांवची राखण करता अशें लोक मानतात. तशेंच थंयचो हिंदू आनी कांय क्रिस्तांव लोक खास करून शिरोडा त्या रस्त्यातल्यांन सदांच यो वच करपी लोक दर बुधवार आनी आयताराक त्या राखणदाराक सोरो आनी फुलां घालतात, तशेंच वात्यो पेटयतात. आनी तोच राखणदार तांची राखण करता असो लोकांचो समज आसा.

#### 2.3.4.1. गांवांत माहामारी आयिल्ली तेन्ना लोकांचो भावार्थ

रायतूर गांवांत सुमार 1787 वर्साक दुसमानांनी रायतुर किल्लो नश्ट करपा खातीर हत्ती मारून उदकांत घातलो म्हणपाचीं आख्यायिका आसा. तशेंच

दर्या मार्गांतल्यान वेपार करताना चुकून हत्ती पडलो अशेंय कांय जाणट्यांचें सांगणें आसा. ह्या कारणाक लागून उदक कुसलें. धाम पातळी आनी वोशाची पिडा ही माहामारी पातळ्ळी आनी सगळो लोक जोर येवन मरूंक लागलो तेन्ना अशेंय म्हणटात ती राय गांवांत सिमतेरी लागी एक फोंड (tomb) आसा. आदल्या काळार त्या फोंडा कडेन मागलें जाल्यार रोग बरो जातालो. रोगाक लागून हो गांव नश्ट तशेच भिरांकूळ जालो. लोक ह्या गांवांत येवपाक भिताले अशें मिथक आसा.

### 2.3.5. गांवा विशीं आशिल्लीं कांय मिथकां

हो रायतुरचो गांव इतिहासीक आशिल्ल्यान ह्या गांवांत त्या काळा वयल्या जाण्ट्यांनी सांगल्यो मिथक काणयो मेळटात.

### 2.3.51. मुखेल दारवट्या विशीं मिथक

पयली म्हळ्यार मुखेल दारवटयाची (Arch) मिथक, अशें म्हणटात, त्या काळांर हो किल्लो राखपा खातीर राजान ह्या दरवटयाचेर एक सैनीक दवरीलो आनी तो आपलें काम बरे तरेन करतालो. खंयचेय वायट मनशांक भितर येवपाक दिना आसालो. पूण एक  दीस झुजाच्या वेळार ह्या सैनिकाक फारान जितोच मारलो. आयज पासून त्या दारवट्या कडेन त्या सैनीकाचो आत्मो आसा आनी कांय मुखेल दिसांनीं तो आपलें पुराय युनिफॉम घालून ह्या गांवची राखण करताना दिसता अशें गांवच्या लोकांनी सांगला.

### 2.3.5.2. गरीब गांवची मिथक

मिनिनो सिक्वेरा हांणी सागलां ते प्रमाण, “पयलीं हो गांव गिरेस्त आशिल्ल्यान एका राजान ह्या गांवांत एके कडेन जमनींत जायतें भांगार पुरून दवरलें. हो गांव जेन्ना समको गरीब जातलो आनी इगर्ज मोडूंक येतली तेन्ना हे भांगार कडून वापरचे अशें सांगलें पूण कांय काळांत एका पाद्रीन पयशांच्या आशेक लागून इगर्ज गरीब जावचें पयलींच ती जमीन खणली आनी भांगराचे सगळे कोळशे जाले. ह्या कारणाक लागून ही इगर्ज गरीब उरली अशें सांगतात”[27].

### 2.3.5.3. इगर्जेंच्या घांटी विशीं मिथक

इसपोरंसा कोस्ता हांणी सांगला ते प्रमाण, “त्या काळार आख्या साश्ट वाठारांत पयलीं इगर्ज बांदपाची सर्त चलताली. पयलीं इगर्ज बांदून तयार जाता थंय गोंयचो भिस्म मीस सांगपाक येतालो. आनी ह्या खातीर सगळे लोक आप-आपल्या गांवांत नेटान इगर्ज बांदपाचे तयारेक लागले. राय आनी रायतूर ह्या दोनूय गांवां मंदी खर सर्त चलताली. रायतूर गांवची इर्गज बांदून तयार केली आनी पयले मीस सांगपाक भिसम आयलो. मिसा आदी घांट मारूक जाय आसली ती घांट रायचे लोकानीं चोरून व्हरून आपले इगर्जेक लायली. वयर चुट्टा मल्लांचो आनी ल्हान आलतार तयार करून पयलें मीस दभाजान राय गांवांत केले. हें पळोवन रायतूरचे लोकांनी रायचेर

स्त्राप घालून म्हणले "ही घांट सदांच वाजत रावूं". देखून आयज पासून रायचे गावांत चड घांट वाजत आसता"[28]. म्हळ्यार ह्या गांवांत चड लोक मरता असो समज आसा. कारण किस्ती धर्मांत कोणूय मनीस गांवांत मेलो जल्यार घांट वाजोवपाची चाल आसा.

**2.3.6. 'इल्हा दे राशोल' ह्या गांवचे आधारीत लोकगितां.**

***1.*** *व्हडेकारा व्हडेकारा*

*म्हाका व्हरून पावोय* ***शिरवोडया***

*दुड्ड दिता जायते तुका*

*म्हजो मोगी म्हाका आपोयता*

*दूड्ड नाका जायता म्हाका*

*चोयलें तोंडगार दर्या आसा*

*दिसतोच तुजें रुपणे म्हाका*

*म्हजे काळीज उचाबोळ जाता.*

हे फामाद लोक गित 'दुल्पद' ह्या गांवांत तयार जाल्लें. त्या काळार ह्या गांवांत व्हांवपी जुवारी न्हंय रायतूर आनी शिरोड्डा गांवांक एक शीम आशिल्ली. ही न्हंय एका-मेका परस वेगळी करताली. ते काळार त्या गांवांत वचपाक पासर्पोट लागताले. रायतूर गांवचे चलेक आपल्या मोगीक मेळूंक त्या पलडच्या गांवांत वचपाक जाय आसता. आनी तें व्हडेकारा कडेन

आपल्याक शिरवोड्या पावय म्हण मागणें करता. पूण ताचे कडेन पासर्पाट नाशिल्ल्यान थंय ताका वचपाक मेळना. देखून तें व्हडेकाराक तुकां जायते दुडू दिता म्हण संगता.

**2**. *हांव सायबा पोलोडी वयता*

*दामुल्या लग्नाक  वयता*

*म्हाका सायबा वाट दाखोय*

*म्हाका सायबा वाट कळोना.*

*दामूल्या लग्नाक कलवतांचो खेळ (2)*

*आगा म्हज्या ताऱ्या मामा*

*आमकां व्हरून पावोय* ***शिरवोडया***

*व्हय शिरवोड्या*

*घे, घे, घे, घे, घे, घे, गा सायबा*

*म्हाका नाका गो म्हाका नाका गो......*

ही फामाद देखणी रायतूर गांवांतल्यान तयार जाल्या, कारण हांतूत शिरोडा गांवचो उलेक आयला. आनी त्या काळार रायतूर सावन शिरोडा वचपाची

दर्या मार्गांतली एकूच वाट आशिल्ली. हीं दोनूय लोक गितां आशिल्ल्यान ती कोणें रचयल्यांत हाचो उलेख मेळना.

**संदर्भ**


1. 7th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा रायतूर इगर्जेचो पादविगार *फा. ऐरमिटो रिबैलो*. हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
2. Albuquerque Teresa. *Goa: The Rachol Legacy*. Published by Joseph Fernandes and printed by him at weden offset private L.T.D. Matsunaga, Mumbai.1997. pg. no.-9.
3. Ataide de Mousinho. *Rachol*. Rachol seminary, Goa. 2010-2012. Pg. 16.
4. 7th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा रायतूर इगर्जेचो पादविगार *फा. ऐरमिटो रिबैलो.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
5. Ataide de Mousinho. *Rachol*. Rachol seminary, Goa. 2010-2012. Pg. 16.
6. 7th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा रायतूर इगर्जेचो पादविगार *फा. ऐरमिटो रिबैलो.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत
7. 7th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा रायतूर इगर्जेचो पादविगार *फा. ऐरमिटो रिबैलो.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.

8. 17th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *मिनिनो सिक्वेरा.* हांची राय साश्टी गोंय हागां घेतिली मुलाखत.
9. 7th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा रायतूर इगर्जेचो पादविगार *फा. ऐरमिटो रिबैलो.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
10. वयलोच संदर्भ
11. 7th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा रायतूर इगर्जेचो पादविगार *फा. ऐरमिटो रिबैलो.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
12. रोड्रीगीस सावियो *SJ. Jesuit Heritage in Goa.* Goa Jesuits, Jesuit house, post Box 112, at municipal garden East, Panjim, Goa, India 403001. 2009. Pg no. 83.
13. वयलोच संदर्भ.
14. https://en.m.wikipedia.org/wiki/Cuncolim_Massacre
15. रोड्रीगीस सावियो *SJ. Jesuit Heritage in Goa.* Goa Jesuits, Jesuit house, post Box 112, at municipal garden East, Panjim, Goa, India 403001. 2009. Pg no. 85.
16. Biesanz hiltumen Mavis and biesanz john;*what is society; “introduction to sociology:* third edition” library of Congress cataloging in publication data; United States of America; pg. no-136.
17. वयलोय संदर्भ.

18. आमोणकर राखी, *समाज अर्थ आनी परिभाशा;* कोंकणी निबंध लेखन: समाजशास्त्रीय अध्ययन; गोंय विश्वविद्यालय कोंकणी; 2011.

19. Macionis.J.John; *society*; “sociology tenth edition” Dorling kindersley pvt ltd;India, 2006, pg.no-89.

20. आमोणकर राखी, *समाज अर्थ आनी परिभाशा;* कोंकणी निबंध लेखन: समाजशास्त्रीय अध्ययन; गोंय विश्वविद्यालय कोंकणी; 2011.

21. (वयलोच संदर्भ).

22. (वयलोच संदर्भ).

23. पाण्डेय, गणेश, *“संस्कृती”,* समाजशास्त्र के सिध्दांत. 4378/दवी, अंसारी रोड, दरिया गंज, नई दिल्ली- 2: राधा पब्लिकेशन्स्, प्रथम संस्करण 2003, पान. 116.

24. तानाजी, हळर्णकार. (संपा.) *“सांस्कृती”, कॉकणी विश्वकोश, खंड-4.* ताळगांव गोंय 403002 :गोवा विश्वविद्यालय, पयली आवृत्ती 2000, पान. 806.

25. तानाजी, हळर्णकार. (संपा.) “*सांस्कृती”, कोंकणी विश्वकोश, खंड-4.* ताळगांव गोंय 403002 :गोवा विश्वविद्यालय, पयली आवृत्ती 2000, पान. 806.

26. 17th जानवरी 2023 ह्या दिसा राय गावांत रावपी *मिनिनो सिक्वेरा हांचे* कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.

27. 9 ऑक्टबर 2023 ह्या दिसा राय गावांत रावपी *इसपोरंसा कोस्ता* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.

# प्रकरण 3:

# रायतूर सेमिनारीची वळख

3.1 सेमिनारीचो इतिहास

3.2 सेमिनारीची स्थापने फाटली कारणां

3.3 संस्थेची उद्दिश्टा

3.4 वास्तुकला

3.5 धर्मीक मुर्ती

3.6 चित्रां

3.7 वस्तू संग्रहालय

3.8 ग्रंथालय

3.9 म्हाविद्यालय

# प्रकरण 3: रायतूर सेमिनारीची वळख

## 3.1. सेमिनारीचो इतिहास

रायतूर सेमिनारी 1 नोव्हेंबर 1610 ह्या वर्साक रायतूर साश्ट गोंय वाठारांत स्थांपन केल्ली. ही सेमिनारी एके दोंगुल्लेचेर किल्ल्यावरी बांदिल्ली आसा, जंय सगळे वटांनी जुवारी न्हंयचें सुंदर दृश्य पळोंवक मेळटा. सेमिनारी बांदपाक सुमार चार वर्सां लागलीं. ही पुराय आशियांतली पयली तशेंच गोंयांतली सगळ्यात व्हडली आनी पोरणी सेमिनारी  आसा. ह्या सेमिनारीक इतिहासीक म्हत्व खूब आसा. सुरवेक 1574 ह्या वर्सां मडगांव स्थापन केल्ली शाळा 1579 वर्साक बिजापूरच्या आदीलशाहान हल्लो करून उजो लायिल्यान, ही संस्था रायतूर इगर्जेंत हाडली. फा. हॅस्टन रिबेरो हांच्या मतान "सुरवेक हांगा मुसलमानाचो किल्लो आशिल्लो. उपरांत हो किल्लो रुपांतरीत करून जेजुईट पाद्रीनीं पुर्तुगेज राजा साबस्तयांव हाच्या आदारान आनी ताच्या आदेशा खाला ही सेमिनारी बांदली."[1] आयज पासून राजा साबस्तयांव हांचें प्रतीक चिन्न सेमिनारीच्या दारा वयर आसा. रायतुर किल्लयाच्या भोंवतणीच्या वाठाराक लागून आनी बिजापूरच्या घुर्यां पसून जेजुईट पाद्रींक सुरक्षीताय मेळळी. मडगांव आशिल्लें हॉस्पिटल आनी शाळा रायतूर हाडलें. ही सस्थां रायतूर इगर्जेंत तीन वर्सां उरली. 1610 वर्साक सद्या सेमिनारी आशिल्ल्या सुवातीचेर स्थलांतरीत जाली.  रोकडीच ही

शाळा गोंयांतलें एक भव्य महाविद्यालय जालें. एस्. जे. जेझूईट हॅरिटेज इन गोवा ह्या पुस्तकांत मांडलां तें प्रमाण "ह्या नव्या महाविद्यालयाचो बुन्यादिचो फातर गॉस्पार सोअरेस एस. जे.न. 1 नोव्हेंबर 1606 दिसा घातलो. 1610 वर्सा पुराय महाविद्यालय बांदून तयार केलें. ह्या पुराय प्रकल्पाक पुर्तूगालाच्या राजान कांय थळाव्या लोकाच्या योगदाना वागडां आपली निधी दिलो"[2]. ही सेमिनारी जेझुईट पाद्रीं खातीर बांदिली देखून तांचो लॉगो 'I.H.S.' म्हण सेमिनारींत आसा.  फा. हॅस्टन फेरांव हांणी सांगलां ते प्रमाण, "सुरवेक ही कॉलेज मडगांवां आशिल्यान ती पवित्र आत्म्याक संमर्पित केल्ली.  ह्या सेमिनारीक 1 नोव्हेंबर 1606 ह्या दिसा स्थापन केल्ल्यान 'ऑल सॅन्टस सेमिनारी' म्हण नांव दिलें कारण क्रिस्ती धर्मांत नोव्हेंबराचे 1 तारकेर सगळ्यां सतां- भक्ताची परब मनयतात देखून हें नांव ह्या संस्थेक दिलें. 1622 वर्साक पवित्र सभेंत जेझूईटाच्या आनी ह्या संस्थेच्या स्थापनाकार, ईनास द लोयेला हाका सांत म्हण नेमलो आनी ही संस्था, कॉलेज आनी इगर्ज ह्या भागिवंताक भेट्यली. सॅट इंन्गोशियस कॉलेज हे नांव तांका दिलें. 1759 वर्सांक, पुर्तुगालाक राजकी मळार आनी धर्मां वाटेन एक व्हडलें झूज जालें तेन्ना ज्या-ज्या देशांनी ते राज्य चलयताले त्या-त्या देशांतल्यान सगळ्या जेजुईट संस्थेच्या पाद्रीलक भायर काडले आनी ते गोंयांत आयले. गोंयांत येवन धर्म प्रचार सुरू केलो. धर्म

प्रचाराच्या गरजेंतल्यान कोंकणी भाशेचो अभ्यास सुरू केलो. 1762 ह्या वर्साक ही संस्था डियोसिटिची सेमिनार जाली. ती बऱ्या गोंवळ्याक भेट्यली (Seminary of good shepherd). कांय जाण हे संस्थेक 'कॉलेज ऑफ सालसेट' म्हण वळखताले. एका बिशोपाक 'ईस्ट इंडीजाचो पेट्रीयाक' म्हण घोशीत केल्या उपरांत 1886 वर्सांक 'पेट्रियाकल सेमिनारी ऑफ राशोल' हें नांव दिलें. सदयाक ह्या सेमिनारीचें नांव 'आर्चडायोसीजंन मेजर सेमिनारी' आसा."[3]

फा. विकटर फेरांव हांणी '*स्वामी विवेकानंद इन गोवा पारट 2'* ह्या म्हायतीपठांत सांगलां ते प्रमाण, "जेन्ना 1779 वर्सां जेझुईट पाद्रीक गोंयांततल्यांन धावडायले तेन्ना ही संस्था लाजारियस (Vincente's) हाका दिली. पूण ते फकत तीग जाण आशिल्ल्यान तांच्यांनी ही संस्थां चलोवंक जाल्ली ना तेन्ना ही संस्था सांत जोझफ आशिल्ल्या संस्थेन घेतली. तांचे कडेन सुद्दां ही संस्था चलोवंक जाली ना. उपरांत ती सेंट डोमनीक्नसांनी घेतली. सेमिनारीच्या कपेलांत सेंट डोमनीक्नस हांची रोजरी मेळटा. हाचे उपरांत कांय वर्सां सेमिनारी बंद उरपाचो उलेख मेळटा. आतां ही संस्था डायसीजन चलयतात"[4].

रायतूर सेमिनारी म्हणता तेन्ना ह्या संस्थेंची तीन वस्तू खूब गरजेच्यो. पयली 1556 ह्या वर्साक ह्या सेमिनारींत एक छापखानो आयिल्लो. हो

*Cape of good hope* ह्या दर्या मार्गांतल्यान येवपी पयलो छापखानो. पुराय आशियांतलो चवथो आनी गोंयांत येवपी तिसरो छापखानो आशिल्लो. ह्या छापखान्यांतल्यान फादर थॉमास स्टिफन्स, जाका 'भारतीय क्रिस्ती धर्मीक साहित्याचो बापूय' लेखतात ताचें क्रिस्त पुराण हें पयलें पुस्तक छापलें. 16 भाशीक आनी धर्मीक पुस्तकां ह्या छापखान्या वरीं छापलीं. दुसरी, स्वामी विवेकानंद हांणी ह्या सेमिनारींत भेट दिली. तिसरे सुवातेर ह्या सेमिनारींत इतिहासीक म्हत्व आशिल्ल्यो वस्तू आसात. सेमिनारीच्या वणटींचेर हांतान चित्रायलीं चित्रां पळोवपाक मेळतात. चित्रांतल्यान भारतीय संस्कृताय दिसता. आजॅलो मोनसेका हांची फामाद चित्रां हांगा चित्रायलीं आसात. इतिहासीक म्हत्व आशिल्ली आनी धर्मीक चित्रां सेमिनारीच्या वस्तू संग्रहालयांत दिसतात. म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार गोंयांत पयलेच फावट 1618 ह्या वर्साक रायतूर सेमिनारीच्या आंगणांत कॉमेट (एके तरेंचे नकेत्र) पळोवपाक टॅलस्कोपाचो वापर केल्लो.

गोंयांत जायतीं कपेलां आनी इगर्जो आसात, जंय पाद्री धर्म प्रचार करतात. तांणी आपलें शिकप ह्या सेमिनारींतल्यान केल्लें आसता. थ्योशास्त्र (Theology) आनी तत्व गिन्यांन (Philosophy) शिकयतात. तशेंच कोंकणी भास बरोवपाक आनी कोंकणींतल्यान प्रवचनां करपाक भुरग्यांक

शिकयतात. तशेच हांगा कोंकणी भास, कोंकणी समाज आनी संस्कृताय सांबाळपा खातीर वेग- वेगळ्यो कार्यावळी जातात.

## 3.2 सेमिनारीची स्थापने फाटलीं कारणां

पुर्तुगेज देशांतल्यांन जेझुईट, फ्रांसिस्कन, डोमिनिकन, कार्मल्याट आनी आगुस्तीस ह्यो मिशनरींनीं भारतांतल्या गोंय राज्यांत 16 व्या शेंकड्यांत आपलें पावल दवरलें. तांणी धर्म प्रचाराचे गरजेंतल्यांन कोंकणी भाशेचो अभ्यास सुरू केलो. 1541 वर्सा तांणीं सांत पावल ही कॉलेज सुरू केली. हे कॉलेजींत शिकपी आंद्रे वाझ ह्या गोंयकार तरणाट्यान पयलो कोंकणी व्याकरणीक मसुदो तयार केलो. आंद्रे वाझ करमळे गांवचो आसलो जो पयलो गोंयाकार पाद्री जावपाक पावलो. ताच्या व्याकरणाची हात बरपां आयज मेळनात. सोद हातूंत छापून आयिल्ल्या लेखा प्रमाण "1578 जेजुयीत पाद्रीनी आगुस्तीन कोयेता लागीं दोंगरार सेंट रॉक नांवाची आनीक एक कॉलेज बांदली. तिका 'नीव कॉलेज ऑफ सेंट पॉल' म्हण नांव दिलें."[5] "तशेंच 1569 वर्साक जेजुयीत पाद्रीनीं मडगांव साश्ट गोंय हांगा भुरग्यां खातीर मुळावी शाळा सुरू केली. तिका 'होली स्पिरीट कॉलेज' म्हण नांव दिलें. हे कॉलेजीत फकत 14 जेईट पाद्रीं शिकताले. तियोशास्त्र, कोंकणी आनी पुर्तूगेज भास हांगा शिकयताले. कांय वर्सानी ही कॉलेज राजा उदील शाह हांणी उजो घालतून ती नश्ट केली उपरांत हांगा गांवच्या भुरग्यां खातीर

शाळा बांदली. 1610 वर्सा ही कॉलेज राजा अदील शाह हांच्या चपकांतल्यान वाचोवपाक रायतूरच्या गांवांत हाडली. थंय पुर्तुगेजांचो किल्लो आशिल्लो. किल्ल्याच्या चारुय वाटेचानी उदक आशिल्लें. सुवेर तीन वर्सां ही सेमिनार रायतूरचे इगर्जेंत आसली. उपरांत ती सदयाचे सुवातेर स्थालतरीत केली. ही सेमिनार मिशनरी शाळा ह्या रुपांन बादिल्ली. आनी पाद्री हागां येवन थळावी भास शिकची, ह्या हेतून बांदीली. तशेंच दुयेंत खातीर एक हॉस्पीटल तशेंच 'स्कूल ऑफ केटीक्यूमस' जें 'क्रिस्ती धर्माचें शिक्षण घेताले तांचे खातीर तयार केल्ले."[6] तशेंच जेजूईट पाद्रीक साश्ट वाठारांत धर्मप्रचार करपाचे म्हत्वाचे काम दिल्लल्यान ते रायतूर सेमिनारींत रावन मीस करताले.

## 3.3 संस्थेची उद्‌दिश्टा

*"राशोल'* ह्या पुस्तकांत मांडलां ते प्रमाण; त्या काळार हे सेमिनारीची उद्‌दिश्टां अशीं आसात.

***बोर्डिंग शाळा-*** रायतूर सेमिनारी त्या काळार चले आनी चली भुरग्यां खातीर बोर्डींग शाळा आशिल्ली. त्या भुरग्यांक वाचपाक, बरोवपाक, अंकगणीत, संगीत आनी धर्माचे शिक्षण दिताले.

***कोंकणी भास आनी थियोशास्त्र शिकोवप-*** सेमिनारींत कोंकणी शाळा आशिल्ली, युरोपी शिक्षकांच्या हाताखाला कोंकणी भास भुरग्यांक शिकयतालें. व्याकरण, शब्द आनी वाक्य रचना हाचें मार्गदर्शन दिताले.

थळाव्या लोकां कडेन संवाद सादून भाशेचो अभ्यास आसताले. पाद्रीपण शिकपी भुरग्यांक फावो त्या लिपेंन (देवनागरी वा रोमी) वाचपाक आनी बरोवपाक शिकयताले. तशेंच ह्या सेमिनारींत थियोशास्त्राच्यो वर्ग आशिल्ले, जंय भुरगर्यांक थियोशास्त्राचें गिन्यान दिताले.

***गरीब लोकांची सेवा करप-*** त्या काळार ह्या संस्थेंत हॉस्पीटल आशिल्लें. दुयेंत, गरीब आनी हेर धर्माच्या लोकांचो फुंकट उपचार करताले. तशेंच ह्या हॉस्पीटलांत एक कपेल आशिल्लें, जातूंत दुयेंती खातीर दर आयताराक मीस जातालें.

***पुस्तकां छापून हाडप-*** हे संस्थेन छापखानो आशिल्ल्यान थळाव्या लोकाची भास (कोंकणी) शिकपा खातीर तांकां आदार जावपी पुस्तकां आनी तशेंच धार्मीक पुस्तकां छापून हाडपाचो हेतू आशिल्लो"[7]

रायतूर सेमिनारी इतलीं वर्सां लागिच्यान अणभल्या उपरांत ह्या काळार रायतूर सेमिनारीच्यो उद्दिश्टा अशें तरेन आसात.

***पाद्रीपणाचें शिक्षण आनी निर्मिती करप-*** रायतूर सेमिनारीचो एक मुखेल हेतू म्हळ्यार पाद्रीपणाची तयारी करपी विद्यार्थ्यांक शिक्षण दिवप. तांकां धर्मशास्त्र, थियोशास्त्र, तत्वगिन्यान आनी आध्यात्मीक प्रशिक्षण दिवप. ताकां क्रिस्ती इगर्जेंतले सेवे खातीर गरजेचें गिन्यान, कुशाळटाय आनी आध्यात्मीक निर्मिती दिवप.

***अध्यात्मीक निर्मिती करप-*** सेमिनारी आपल्या विद्यार्थ्यांच्या आध्यात्मीक निर्मितीचेर लक्ष केंद्रीत करता, ताची वयक्तीक वाड, मागण्याचें जिवीत आनी क्रिस्ती धर्माच्या शिकवणेक पाळो दिवपी वचनबद्धताय घट्ट करतात.

***क्रिस्ती भावार्थ आनी मुल्यांचो प्रसार करप-*** थळाव्या समाजा भितर आनी समाजा भायर रावपी मनशांक क्रिस्ती भावार्थ आनी मुल्यांचो प्रसार करपाक रायतूर सेमिनारी म्हत्वाची भुमिका पाळटा. शिक्षणीक कार्यावळी, पाद्रींच्या संबंदान कार्यावळी (Pastoral Programs) आनी समाज सेवेतल्यांन सेमिनारी ह्या वाठारांततल्या क्रिस्ती भावार्थाची अध्यात्मीक वाड आनी उदरगत करपाक योगदान दिता.

***संस्कृतीक आनी बौध्दिक समृध्दी-*** रायतूर सेमिनारी संस्कृतीक आनी बैध्दिक समृद्धीचें केंद्र म्हूण काम करता. व्याख्यानां, परिसंवाद आनी शिक्षणीक कार्यावळी आयोजीत करता;  जातूंत धर्मशास्त्र, अध्यात्म आनी क्रिस्ती सिद्धत हांच्या वेग- वेगळ्या आंगांचो अभ्यास करता. तशेंच किस्ती बौद्धीक परंपरे भितर संवाद, चिंतन आनी शिकपाची मंच दिता.

***इतिहासीक आनी धर्मीक दायज सांबाळप-*** रायतूर सेमिनारी ही पुराय आशियांतली सगळ्यांन पयली आनी पोरणी सेमिनारी. तांतूत इतिहासीक आनी संस्कृतीक दायज खूब गिरेस्त आसा. हें दायज सांबाळपाक आनी राखपाक रायतूर सेमिनारी आपलें योगदान दिता. इतिहासीक नोंदणी

इतिहासीक दस्तावेज, पोरण्यो वस्तू, वास्तुशिल्पाचीं स्थळां सांबाळपाचो ताचो हेतू आसा.

***समुदायेंत कार्यावळी करप***- रायतूर सेमिनारी थळाव्या समाजा कडेन गवळीक मंत्रालयां (pastoral ministers) वरवीं, समजीक प्रसार कार्यावळी वरवीं आनी पॅरीश आनी धर्मीक संघटनां कडेन एकठांय जावन कार्यावळी करता. क्रिस्ती आनी बीगर किस्ती गोंयकारांक आदार दिता. धर्मीक शिक्षण आनी आध्यात्मीक मार्गदर्शन दिता. अशें तरेन समाजाच्या खातीर योगदान दिवप होच हेतू आसा.

***गरीब लोकांची सेवा करप***- रायतूर सेमिनारी समाजांतल्या गरीब, कुशीक काडील्या लोकाची आनी दुबळ्यांच्यो गरजो भागोवपा खातीर समाज सेवेच्यो कार्यावळी आनी उपक्रम करतांत .

## 3.4 वस्तुकला

1510 वर्साक पुर्तुगेज गोंयांत आयले. गोंयचेर राज्य चलयलें. तांणी गोंयची संस्कृताय, धर्म, जेवण-खाण, शिक्षण, भेस सगळें बदल्लें. भायले देशांतली संस्कृताय आनी वस्तुकला गोंयांत हाडली. 17 व्या शेंकडायतले indo colonial क्रिस्तांव वस्तुकलेचें एक बरें उदारण म्हणल्यार गोंयांतली साश्ट वाठारांतली रायतूची सेमिनार. ही सेमिनार व्हड तांबड्या रंगाच्या फातरान (red laterite stone) बांदिल्ली, जी दुस्मानाच्या घुऱ्या पासून प्रतिकार

करपाक घट्ट आशिल्ली. सेमिनारीच्या मुखेल दारा वयर "Arms Del Red Sebastiao Fundador de Colegio म्हणल्या 'ही पुरायर कॉलेज आनी संस्थेचो संस्थापक राजा डोम सेबस्टियांव' हांचे मार्गदर्शन बांदला म्हण जाहीर केलां. हे सेमिनारींत 'वॉटर हार्वस्टींग' करचे खातीर. 1610 वर्सांक बांदिल्ली टांकी आसा. पावसाचें उदक एकठांय करून झाडां शिप्पाक आनी कपडें धुवपाक वापरतले. आतां ताचेर सेमिनारीच्या भुरग्यांक खेळपा खातीर 'बॅटमींटन कॉट' बांदला. 'द राशोल लॅगसी' ह्या पुस्तकांत माडलां ते प्रमाण "आदल्या काळार ही टांकी चड करून बायलांक आनी भुरग्यां दुसमानाच्या घुर्यां पासून वाटावपा वा लिप्पा चड करून बायलांक खातीर एक सुरक्षीत स्थळ आशिल्लें. झुजाच्या दिसांनी जेवण, उदक आनी हेर वस्तू लिपोवपा खातीर तिचो वापर करताले. हे टांकेंत एक भुंयेर आशिल्लें, जें दुसऱ्या गांवांक जोडिल्लें.  कांय काळा पयलीं एक पाद्री आपल्या सुण्याक घेवन हें भुंयेर खंय मेरेन आसा ते पळोवपाक गेल्लो, तो परत आयलोच ना. फक्त ताचे वांगडा गेल्लें सुणेंच आयलें"[8]. सेमिनारीचे पावंडे काळ्या रंगाच्या फातराचे आसात. हे फातर गोंयांत दिसनात, पूण हे फातर त्या काळार पुर्तुगेजानी भायल्या गांवांतल्यांन हाडिल्लें.

## 3.5. धर्मीक मुर्ती

ह्या सेमिनारींतली इगर्ज जेझ्ईट संस्थापक सांत इग्नेशस द लोयेला हांकां भेटयल्ली आसा. तशेच ह्या सेमिनारींत बऱ्या गवळ्याचे कॉपेल आसा.

### 3.5.1. मिनीन जेझूची मुर्ती

हे इगर्जेंत आल्ताराच्या दाव्या वटेन ल्हान आल्ताराचेर मोजांबीक जुंव्याचेर, एका पाद्रीक मेळिल्ली मिनीन जेझुची मिलाग्रीची मुर्ती आसा. गोंयचो फामाद इतिहासकार लिओरनादो पायस हांच्या पुस्तकांत मेळपी मता प्रमाण, "ऑफ्रीकेंच्या देशांत रेवेंत एका फातराचेर फा. बँटो फेरेंरो ह्या जेझूईट पाद्रीक मेळिल्ली. ताणें ती अपल्या वांगडा गोंयांत हाडली. तेन्ना ताकां 'कोलवेंचो पादविगार' म्हण नेमलो. तेन्ना ती मुर्ती पयलीं कोलवेच्या इगर्जेंत व्हरून दवरली". फिलीप नेरी देसाय हाच्या मता प्रमाण, "जेन्ना कोलवा इगर्जेंत जेझुईट पाद्रीक भायर काडापाचें फर्माण आयलें तेन्ना फा. बँटो फेरेंरो हो रायतूर सेमिनारींत आयलो. तेन्ना ताणी आपणा वागडा ती मुर्ती रायतूर हाडली".[9]

### 3.5.2. सांत कॉन्सटेंस

इगर्जेच्या प्रवेशदाराचेर मरण आयिल्लया सांत कॉन्सटेंस हांकां भेटयल्ले सेमिनारीच्या दारवट्या कडेन उजवे वटेन एक ल्हानशें कपेल आसा. व्हिन्सेंटियन्स हे सिमनारीचे मुखेली आसतना 1782 वर्सांक तांणीं त्या

सांताचे अवशेश जाचेर रगताचो थेंबो आशिल्लो तो ह्या इगर्जेंत हाडिल्लो. गोमंतक टायमस हाचेर आयिल्या एका लेखांत मांडाला ते प्रमाण, "तो एका विदवे बायलेक आधार करताना शहीद जालो."[10]

### 3.5.3 पाद्री आग्नेल

रायतूर सेमिनारी म्हणटा तेन्ना पाद्री आंग्नेल आमच्या दोळ्या मुखार येता. आग्नेलो गुस्तावो आडोल्फो द सोझा जाका पाद्री आंगनेल ह्या नांवान वळखतात तो ह्या सस्थेंत रावन शिकलो. ताणें 1918 तें 1927 मेरेंन आपलो धर्म प्रचार केलो. सेमिनारींत मिसाक सेरमांव सांगताना काळजाचो ॲटॅक येवन 20 नोव्हेंबर 1927 ह्या वर्साक ताका मरण आयलें. त्याच दिसा ताका रायतूरचे नेवीस सायबिणीच्या इगर्जेच्या शिमितेरींत पुरलो ताचीं हाडां पिलार व्हेलीं पूण आयज पासून ताच्या मानाक ताचो फोंड तसोच रायतूर दवरिल्लो आसा. आनी ताची रावपाची कूड दसतावेज करून दवरिल्ली आसा. ताचें कुडींत ताच्या जल्म ते मरण मेरेंचीं चित्रां आसात. ताचो निजाचो फोटो आसा. तशेंच तो वापरतालो तो खुरीस सांबाळून दवरिल्लो आसा. तशेंच ताची न्हिंदपाची खाटी दस्तावेज करून दवरिल्ली आसा.

## 3.6 चित्रां

रायतूर सेमिनारिच्या पवित्र वण्टीनी वेग- वेगळीं तरेचीं  रंग-भिरंगी चित्रां चित्रायलीं आसात. ही चित्रां हातांन चित्रांयलीं आसात. दर एक चित्रांचेर

तारीख आनी चित्रकाराचें नांव आनी सय आसा. कांय चित्रांनीं भारतीय संस्कृताय दिसून येता. तशेंच धर्मीक म्हत्व आशिल्लीं चित्रां, ते काळा वयलीं झुजांची चित्रां हांगा आसात. राजा साबेस्त्यांव हांचे 200 वर्सां पयलीचें चित्र आसा. चित्रांर त्या काळार गोंयचे बिशप पुर्तुगेज आशिल्ल्यान ताचेर पेट्रीयाक्स ऑफ द सेमिनारी वा आर्चडायोसीस बरयलें आसा. हालींच हें चित्र पुनस्र्थापना केलां. तशेंच ह्या चित्रांनी देव, धर्म आनी सर्ग हाची सकल्पनां दिसता. तशेंच सांत आगॉस्टीन आनी मोनिका, सांत बँटो, सांत डोमिन्गोस, सांत फ्रांसिस्को दे आसिस, सांत इनासियो, सांत फ्रांसिसको दे पावलो आदीं सांता-भक्तांचीं चित्रां आसात. चित्रां पळयल्यार तातूंत चित्रांयलीं मनशां तोडांन वाटकुळीं, मोटी आनी मोडवी आसात. चड करून भारतीय मनशांची रचणूक ह्या मुर्तीक दिल्या. आंजॅलो फोन्सेका, रुबेन राफेल आनी आल्बर्टिनेली सारकेल्ल्या त्या काळा वयल्या फामाद चित्रकारांची चित्रां हांगा चित्रायल्ली आसात. हातूंतलीं कांय चित्रां गोंयचो हिंदू भाव आनी फामाद चित्रकार एस् .के. परब हांणी 1943 ते 1944 ह्या कळांत चित्रांयलींय चित्रां आसात. हीं चित्रां खूब पोरणीं आनी इतिहासीक आसात. कांय चित्रां तापमानाक लागून पिड्डार जाल्यांत. कांय चित्रां पुनर्स्थापना केल्यांत. हातूंतलीं कांय चित्रां, भायले चित्रकार हाडून ती परत रंगोवपाचो यत्न केला. हालीच कांय कॅनव्स चित्रां पुनर्स्थापना केल्यांत, पूण व्यक्तिचित्रणा

आशिल्लीं चित्रां पुनर्स्थापना करपाक मातशें कठीण जाता. चित्रांनी चित्रीत केल्ली पवित्र कला आनी सर्जनशीलताय पळोवपाक खूब सुंदर आसा. तशेंच सेमिनारीच्या वण्टींचेर सगळ्यांत बरें आनी पोरणें सांबाळून दवरिल्लें भक्ती चित्रां मदीं 'अवर लेडी ऑफ लोरेटोच्या मॅरियनाचो पयलो भाग' दाखोवपी चित्र आसा जें सकयल्या माळेर साक्रीशीक वचपाचे वाटेर आसा. इकरा वण्टी चित्रांची लडीनीची माळ "*किरिये एलिसन" (O lord have mercy)* हाचे पासून सुरू जावन *"डिव्हिने ग्राटिया" (mother of divine grace)* ह्या आवाहनान सोंपता.

**3.6.1. रायतूर सेमिनारींत चित्रायलीं कांय फामाद भक्ती चित्रां आनी तातूंत दिल्लो संदेश:**

1. ***किरिये एलिसन (Kyrie eleison) O lord have mercy कोंकणी भाशेंन सोमिया आमची काकुळट कर. -*** ही हेर लादीनी प्रमाण किरिये एलिसन ह्या आवाहनांतल्यान सुरू जाता. ह्या चित्रांत एक पाद्री स भुरग्यां( alter servers) पवीत्र साक्रामेंताक भुजयताना दिसता. ताचे वयर मारिया आपल्या बाळका जेझूक ओपून दिताना ह्या चित्रांतल्यान चित्रकार सदेश दिता, की पवित्र साक्रामेंतात उड्याच्या रुपान हाजीर आसा तो जेझू आनी तो मारिये पासून जल्मला. तांणी

दिल्ल्या मनशांच्या मासान आनी पवित्र साक्रामेंता वरवीं तो आमचें मदीं हाजीर आसा.

2. ***हॉली त्रिनिटी (Holy Trinity, one God)-*** *कोंकणी भाशेंन त्री देव म्हळ्यार बाप, पूत आनी पवीत्र आत्मो-* ह्या चित्रांत त्री देव वेग-वेगळ्या पवित्र मनशांच्या रुपांन दाखयल्यात. दाढी आशिल्लो पुज्य मनीस म्हूण ताच्या तकलेक मुकूट घालून त्रिकोण, व्हडल्या आल्फाच्या माथ्यार दवरला. तशेंच एक वटेन देव पूत आनी दुसरें वटेन छातीचेर देव पवित्र आत्मो (पारवो) आसा. हे तिनूय व्यक्ती पवित्र आनी भव्य त्रिमुर्तीच्या सकयल दिसपी मारियेक येवकार दितात. तशेंच ही पुराय सेमिनार सिलिंनड्रीकल खांबयाच्या आदारान बादिल्ली आसा. तशेच मुखेल इगर्जेचें पाख्खें मदेराचें आसा. जाका लागून सेमिनारीचें भितरलें वातावरण थंड आसा.

## 3.7 वस्तू संग्रहालय

सेमिनारींत एक वस्तू संग्रहालय आसा. जातूंत खूब पोरण्यो वस्तू दवरील्ल्यो आसात. ह्या वस्तू संग्रहालयांत आदले टायपरायटरस, साइक्लोस्टाइलींग मशीन, तेलाचे दिवे, पेट्रोमास दिवे, बैलांच्या खादांर दवरपी नागर, तांब्याचे बुडकले, मोडकी, दोणां, भुयांव, मातेचीं वेग- वेगळ्या आकाराचीं आयदनां आसात. आदल्या काळार झाडां शिप्पाक वापरलीं आयदनां, कांचीच्यो बशियो

आनी ताचेर चित्रां चित्रायलीं आसात. वेग-वेगळ्या काळांतले पयशे, दर्यांत मेळपी वेग- वेगळ्यो शिंपयो नुस्त्याची (मोरी) हाड आसात. वेग- वेगळ्या काळांतले फोटे आनी इतिहासीक म्हत्व आशिल्लीं चित्रां सांबाळून एका वेगळे तरेचें मदेराच्या फ्रेमींत घालून सांबाळून दवरल्यात आसात. ह्या मदेराचे कॅटलॉग आसात. जातूंत पुर्स्थापन करपी चित्रां आनी फोटू आसात. पुर्तुगेज काळांतल्यो वेग- वेगळी मदेराचीं कदेलां आनी रोतेसावांचे सोफा आसात. वस्तू संग्रहालयांत कोणाचीं तरी हाडां दवरील्लीं आसात तीं कोणाचीं हाडां? हाचो पुरावो मेळना.  आदल्या काळांर वापरिल्ल्यो आयज आमकां दिसूंक येनात त्यो वस्तू सेमिनारींत पळोवंक मेळटांत.

हे सेमिनारींत फकत गोंयांतूच दिसपी पोरणीं जनेलां पळोवपाक मेळटात. ताकां 'ऑयस्टर विडो पेन शेल्स' अशें म्हणतात. हीं जनेलां दर्यांत मेळपी शिंपयांच्या आदारान केल्यांत जाका 'विंडोपेन ऑयस्टर' म्हणटात.  ह्या जनेलांतल्यान थंड वारें येता आनी सुर्याची किरणां आर पार जातात. ह्या वस्तू संग्रहालयांत वेग- वेगळीं चित्रां आनी त्या काळा सावन आयज मेरेन पास जावन गेल्ल्या विद्यार्थ्यांच्या पंगडाचे फोटू आसात.

### 3.7.1 पायप ओर्गन

हे सेमिनारींत इतिहासीक वस्तू आसात. म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार हांगा एक 130 वर्सां पयलींचे 'पायप ओर्गन' आसा. मध्यमयुगाच्या निमाण्या

काळांत तयार केल्ल्या सात पायप ओर्गना मदलें एक पायप ओर्गन रायतूर सेमिनारींत पळोवपाक मेळटा. हें पायप ओर्गन जर्मनींत तयार केल्लें. ताचो निर्मातो *Gebruder link* आसा. चड करून ह्या पायप ओर्गनाची स्थापूक 1888 ते 1904 ह्या वर्सांमदीं जल्लीं जेन्ना चौरांव आशिल्ली सेमिनारी बदं पडली, तेन्ना तें रायतूर सेमिनारींत हाडलें. आयज मेरेन हें पायप ओर्गन बऱ्या स्थितींत आसा. ताचो वापर आयताराच्या मिसाक आनी परबेच्या दिसाक करतात. एका काळार गोंयांत 7 पायप ओर्गनां आसली; पूण आयज फकत 3 बऱ्या स्थितींत आसात. जीं उरिल्ली दोन मडगांव पणजी इगर्जेंत आसात आनी आजून तांचो वापर मिसाच्या वेळार करतात. 2023 वर्सांक ह्या पायप ओर्गनाची पुर्नस्थापना करून ताची उगतावणी गोंयचो बिस्म सायब फिलीप नेरी हांणी केल्ली आसा. हें पायप ओर्गन खूब पोरणें आशिल्यान तें सारकें करपी गोंयांत एकलोच मनीस आसा. जो खूब जाणटो 70रां वयर वर्सांचो आसा. फा. मेतीव रिबैलो हांणी सांगला ते प्रमाण, "ह्या पायप ओर्गनाक तीन वेग- वेगळे स्टॉपस आसात. दर एक स्टॉपाक 56 पायप आसात. दर एक पायपाक वेग- वेगळे सूर आसात. पयलो प्रिन्सीपल स्टोप जातूंत बेस नॉट येता. दुसरो दुलसियाना म्हणल्यार गोड आनी तिसरो फुलूट. प्रिन्सीपल स्टॉप नासताना हेर वाजोवपाक मेळनात. तिनूय वांगडा वाजयले जाल्यार खूब मदूर संगीताचो आवाज येता."[11]

## 3.8 ग्रंथालय

गोंयांत जेन्ना छापकानो आयलो तेन्ना जायतें साहित्य निर्माण जालें. सेमिनारींत रावन जेजुईट पद्रीनीं धर्मीक, शिक्षणीक, आनी भाशीक नदरेंतल्यान कोंकणीं आनी हेर भासांक आपलें मोलादीक योगदान दिलें. हे संस्थेत पाद्रीपणाचें शिक्षण घेवपी भुरग्यां खातीर शाळा सुरू केली. ह्या सेमिनारीत भुरग्यां खातीर वेग-वेगळीं पुस्तकां हाडून एक ग्रंथालय तयार केला. हें ग्रंथालय पयलीं सकयल्या माळेर आसलें उपरांत, ताचें सादारण करून 1885 वर्साक वयले माळेर हाडलें. आर्च बिशप आमोरीम पेसोआ हांणीं हें ग्रंथालय स्थापन केलें. ताणें वेगळीं- वेगळी पुस्तकां एकठांय करून ग्रंथालयांत हाडिल्लीं. वेगळ्या-वेगळ्या कोयेंतांतलीं पुस्तकां, बिशप सायब पायस IX हांणी रोमांत सावन गौंयच्या इगर्जीनी धाडिल्लीं पत्रिकां, आपलीं खासगी एकठांय केल्लीं पुस्तकां आनी 8 हजार खंड ग्रंथालयाक भेट दिलें. ताच्या बऱ्या कार्याक लागून 13 जानेवरी 1868 वर्साक ताका मंत्रलायची पदवी मेळळी. फा. कासिमिरो क्रिस्टोराओ दे नोरारें हांणी 2750 खंड, आंतोनियो सबस्टियाओ हांणी 2000 खंड आनी माथेस दे ऑलिवेरा हांणी आपले कांय खंड सेमिनारीक भेट दिलें. तशेंच हालींच विन्सी कुवाड्रोस ह्या कोंकणी बरोप्यान कांय कोंकणींतली आनी आपलीं पुस्तकां सेमिनारींत भेट दिलीं. आयज पासून गोंयचें कांय पाद्री सेमिनारीच्या ग्रंथाल्याची गिरेस्तकाय

वाडोवपा खातीर आपली खासगी एकठांय केल्ली पुस्तकां हाडून दितात. चौरांव गांवांत आशिल्लीं ग्रंथालय बंद पडलें तेन्ना थंयची कांय पुस्तकां ह्या सेमिनारींत हाडल्याचो उल्लेख मेळटा. 1961 वर्सा आदीं सेमिनारींत सगळें पुर्तुगेज आनी लॅटीन भाशेन चलतालें. देखून ह्या ग्रंथालयांत पुर्तुगेज आनी लॅटीन भाशेंतलीं पुस्तकां आसात. तशेंच कोंकणी, हिंदी, इंग्लीश, हीब्रू आनी हेर भाशेंतली पुस्तकां आसात. वेग- वेगळ्या विश्यांचीं थियोशास्त्र, विज्ञानशास्त्र, धर्मशास्त्र, तत्व गिन्यान, मानसशास्त्र, सामजशास्त्र, कथा, रोमानसी, इतिहासीक पुस्तकां, जर्नलस, धर्मीक ग्रंथ, विश्वकोश आनी हेर पुस्तकां आसात. वेग- वेगळीं रोमी लिपेंतलीं नेमाळी आनी दिसाळीं देखीक गुलाब आदीं दवरिल्लीं आसात, पुतुगेज काळांतली कांय पुस्तकां आनी कांय दसतावेज ह्या ग्रंथाल्यांत आसात. दर म्हन्याचे वेग- वेगळ्या इगर्जींतले चर्च बुलेटीन हांगा मेळटात. फा. थोमस स्टिफन्साचो ‘क्रिस्त पुराण, ऑल्ड आनी नवीन टेस्टमेंट पवित्र पुस्तक, सांत आंतोनिची आचार्या, दोत्रिना क्रिस्ता, वनवळ्यांचो मळो आनी हेर धर्मीक ग्रंथ मेळटा, वेग-वेगळ्या सांतांची व्यक्ती चित्रणांची पुस्तकांय आसात, पाद्रीपणाचे शिक्पी भुरग्यांच्या अभ्यास क्रमांतली पुस्तकां आसात. ह्या ग्रथांलयांत वेग- वेगळ्या भासांची आनी हेर गिन्यानाचीं पुस्तकां आशिल्ल्यान वेग- वेगळ्या शाळेची,

महाविद्यालयाची आनी विद्यापिठांतली भुरगीं भेट दिवंक येतात. सेमिनारींत रावन पाद्रीपण शिकपी भुरग्यांक हे ग्रंथालय म्हत्वाचें थारता.

### 3.8.1 स्वमी विवेकानंद हांची सेमिनारीच्या ग्रंथालयांत भेट

रायतूर सेमिनारीचेंच आनीक एक खाशेलपण म्हळ्यार भारताचो फामाद विधवान स्वामी विवेकानंद हांणी तीन दीस 15th ते 16th ऑक्टोबर 1892 ह्या दिसानीं सेमिनारींत भेट केल्ली. ग्रंथाल्यांतलीं क्रिस्ती धर्मांतलीं पुस्तकां वाचून, जेझुईट पाद्री कडेंन स्वांद सादलो आनी क्रिस्ती धर्म शिंकून घेतलो. 11 सेप्टेंबर 1839 ह्या दिसा अॅनरीकाच्या चिकागो गांवांत जाल्ल्या वल्ड कॉनफर्न्स ऑफ रिलिजन हांतूत वांटो घेतलो. आनी भारताक नवी वळख दिली. संजीव सरदेसाय, हिस्ट्री एक्टिविस्ट हांणी प्रूडंट मिडियांत सांगलां ते प्रमाण “स्वामी विवेकांदनाची चिकागोची सुरवात गोंयच्यान जाली. तो बेळगांव आसताना ताका गोंयांत किस्ती धर्म शिकोवणेचें कैंद्र आसा म्हण कळून आयलें. तेन्ना ताणें मडगांव रावपी सुब्रायन नायक ह्या गिरेस्त धंदेकारा कडेन संपर्क सादलो आनी मडगांव रेलवे स्टेशनाचेर येवन तांच्या पुर्वजांच्या घरांत दामोदर सल हागां वर्स भर 27th ऑक्टर ते 2nd नोवेंबर मेरेन रावलो. सांता दुर्गा, मंगेशी, माहलसा, ऑल्ड गोवा आनी तीन दीस सेमिनारींत भेट दिली. आनी वेग- वेगळ्या धर्माची शिकवण घेतली”[12]. त्या काळार मोटर गाडी नाशिल्ल्यान तो बैल गाडेचेर यो वच करतालो. नायक

फामील ताका सेमिनारींत हाडाची-वरपाची वेवस्ता करताली. स्वामी विवेकानंदान रायतूर सेमिनारींत भेट दिल्यान ताचो फोटू थंय लायिलो आसा.

## 3.9 महाविद्यालय

रायतूर सेमिनारी फकत एक धर्माचोच प्रचार करपी संस्था न्हय पूण पाद्रींपणाचो वावर करपी भुरग्यां खातीर एक महाविद्यालय आसा. ह्या संस्थेत पाद्रीपण शिकपी भुरग्यां खातीर बोर्डींग शाळा आसा. थंय रावन ते आपले शिकप करतात. भुरग्यांक शिक्षणा बरोबर मानसीक, अध्यात्मीक, आनी बौध्दीक नदरेंतल्यान तयार करतात. जातूंत तांकां इगर्जेंत हेर पाद्री वांगडा वावर करपाक आदार मेळटा. पाद्री जावपाक भुरग्यांक पयलीं मुळावें शिक्षण सालिगांव सेमिनारींत रावन करचें पडटा. ग्रेजुयेशनाची पद्धवी घेतले उपरांत 6 वर्सां सेमिनारींत शिकचें पडटा. 1 वर्स Propaedeutic वर्स- सालिगांव सेमिनारी, 2 वर्सां Philosophy - रायतूर सेमिनारींत (Bachelor in philosophy),1 वर्स regency in the parish - रायतूर सेमिनारीचो एक भाग), 3 वर्सां Theology - रायतूर सेमिनारी, 1 वर्स diaconate @ Pastoral Institute, Old Goa with weekend parish ministry. अशें तरेन भुरगें जांकां ब्रादर म्हणटात ते ह्या सस्थेंत, 6 वर्सां शिकतात. सेमिनारीचो खर्च चड आशिल्ल्यान सेमिनारींत शिकपी भुरग्यां कडेन फकत टॉक्न फी घेतात. चॅरीटी वयल्यान सगळो खर्च करतात. तशेंच ह्या पुराय

सेमिनारीची नितळसाण आनी घरची कमां स्वता पाद्रीं जावपाक आयिल्लें भुरगे करतात. पावसाच्या दिसानीं गांवच्या लोकांच्या आदारान शेतीं करतात. पावस सोंपल्या उपरांत भाजी रोयतात आनी गांवांत व्हरून विकतात. ह्या सेमिनारिची बागायती विभागांत नोंदणीं केल्ली आसा. अशें तरेन चॅरीटी वांगडा स्वता खर्चा खातीर पयशे जोडपाचे साधन म्हण वावरतात.

पद्रीपण शिंकपी भुरग्यांक शिक्षणा वांगडां हेर सगळें शिकयतात. देखीक संगीत. 25 विदयार्थ्यांचो ब्रास बैंड आसा.  ऑर्केस्ट्रा आसा. एक फुटबॉल आनी एक वॉलीबॉल टीम आसा. तशेंच तियात्र, कॉन्सेर्ट आनी सांस्कृतीक कार्यक्रम जातात. एका पाद्रीक सगळे कळपाक जाय अशें रायतूर सेमिनारीचो हेतू आसा. ह्या भुरग्यांक कोंकणी आनी इंगलीश भासो येवपाक जाय. पुर्तुगेज भास तांकां शिकयतात कारण कांय दस्तावेज पुर्तुगेज भाशेंत आसात. हिंदी भास शिकयतात कारण कांय भायले क्रिस्तांव लोक गोंयांत स्थालंतरीत जाल्ले आसात. तांकां एका वर्सां खातीर सेवाधर्मीक संगीत शिकयतात. ह्या संस्थेची पुराय जापसालदारकी रॅक्टर सांबाळटा. आध्यात्मीक जिवनाचो सांबाळ करपाक, शिस्त सांबाळपाक, तशेंच खेळ इंचार्ज, चेरिटी इंचार्ज, एक्स्ट्रा करिकूलर एक्टिविटींज अशें वेग-वेगळे इंचार्ज मेळून ही सेमिनारी साबाळटात.

# संदर्भ

1. 10th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा फा. हॅस्टन फेरांव. हांचे कडेन रायतूर सेमिनारी साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
2. रोड्रीगीस सावियो SJ. Jesuit Heritage in Goa. Goa Jesuits, Jesuit house, post Box 112, at municipal garden East, Panjim, Goa, India 403001. 2009. Pg no. 83.
3. 10th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा फा. हॅस्टन फेरांव. हांचे कडेन रायतूर सेमिनारी साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
4. https://youtu.be/iwgz7Ztqgco?si=ei76uAdkkPKAEVXO
5. सोंद. तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र. कोंकणी सोद पोत्रीका:12 pg no. 60-61
6. https://youtu.be/4w4ejamsUkM?si=ktD5j4aOe1agi3BA
7. Ataide de Mousinho. Rachol. Rachol seminary, Goa. 2010-2012. Pg. 17
8. Albuquerque Teresa. Goa:The Rachol Legacy. Published by Joseph Fernandes and Printed by him at weden offset private L.T.D. Matsunaga, Mubai. 1997. Pg no. 47.

9. (वयलोच संदर्भ).

10. https://www.gomantaktimes.com/my-goa/art-culture/cool-facts-about-this-400-year-old-seminary-in-south-goa-part-2

11. 12th नोव्हेंबर 2023 ह्या दिसा फा. मेतीव रिबैलो. हांचे कडेन रायतूर सेमिनारी साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.

12. https://youtu.be/X18MefdfTJg?si=CvLJuxpVvLFWEyrv

# प्रकरण 4:

# स्थापणुके सावन गोंय स्वातंत्र्य मेरेन सेमिनारीचें कोंकणी खातीर योगदन

4.1 छापकानो

4.2. मिशनरी पाद्रीनी केल्लो वावर

4.2.1. जेझुयीत पाद्री

4.3. हेर लोकांनी केल्लो वावर

# प्रकरण 4: स्थापणुके सावन गोंय स्वातंत्रय मेरेन सेमिनारीचें कोंकणी खातीर योगदन

## 4.1 छापकानो

“1515 वर्सा पयलो छापखानो आफ्रिकेंतल्या ऍबसिनिया शारांत धाडलो, पूण थंयचें सरकार मिशनऱ्यां आड आशिल्ल्यान तो थंय पावलो ना. आनी 6 सेप्टेंबर 1556 ह्या दिसा पोरण्या गोंयच्या सेन्ट पॉल महाविद्यालयांत छापखानो पावलो. हो छापखानो सेंट पॉल महाविद्याल्याक तेकून आशिल्या जुव्यां वयल्यान, रायतूर जुंव्या हाचें मंदी गरजे प्रमाण व्हरताले. इथियोपियाचो पाद्री जेजुईत डी. जुआंव न्युन्स बार्रटो हाणें 30 मार्च 1556 ह्या दिसा स्पॅनीशश जेजुईत ब्रदर जुआन बुस्तामन्ते हाचे वांगडा पुर्तुगाल सोडलें आनी ते आयताराक 6 सप्टेंबर 1556 ह्या दिसा गोंयांत पावले. अशे तरेन पोरन्या गोंयांतलो छापखानो गोंयांत आनी पुराय आशियांत पयलो थारलो.”[1]

“6 नोव्हेंबर 1556 ह्या दिसा पयलेच फावट प्रकाशन, “कॉन्क्लुसांव पब्लिकास दे लॉजिका ई फिलॉसॉफिया, प्रोफेरिडास नो कोलेजिओ” (प्रबंधाचो सारांश) ह्या पत्रकाच्या रुपांत तर्कशास्त्र आनी तत्वज्ञानांत पोरण्या गोंयच्या सेंट पॉलाच्या जेजुईत महाविद्यालयाच्या दोन आदल्या विद्यार्थ्यांनी समर्थन करपा खातीर एक प्रबंध छापिल्लो. आदीं हातान बरयल्लो प्रबंध पयलेंच

फावट छानकानातल्यांन छापून इगर्जेच्या दाराचेर चिकटायलो. डोमनीकन आनी फ्रान्सिस्कन हांका धाडून दिलो आनी कोणाक वाचपाची इत्सा आसली तांका वितरीत केलो. प्रबंधाच्या समर्थनांत दोनूय मठांतले जायते पाद्रीं, डोमनीकन, फ्रान्सिस्कन, शारांतले वैज, विद्धवान आनी हेर जायते लोक आनी ऊंच वर्गाचे लोक (फिडाल्गोस) हाजीर आशिल्ले".[2]

थंय जायत्या भायल्या लोकाचीं भाशणां जालीं. तातूंतल्या एका पोर्तुगेज सैनिकान ग्रीक भाशेंत सोसायटी ऑफ जिझसाची तोखणाय करपाचें भाशण करून भाग घेवप्यांक तृप्त केले. हें रात मेरेन चल्लें. 1557 वर्सा स्पॅनिश जुआंव बुस्तामन्ते हाणें एका गोंयकारा वांगडा मेळून पयलें पुस्तक प्रकाशीत केलें.

उपरांत ताणें कोंकणींत सेंट फ्रान्सीस शावियर वा प्राध्यापकान बरयल्लें *"कॅटेसिमो द् दोत्रीन क्रिस्ता"* छापलें; मागीर *"कुनफ्युसुनारी"* हें डी. जुआंव न्युन्स बार्रेटो हाचे मान्यताये खातीर मार्गदर्शक पुस्तक छापलें. 1561 वर्सा पयल्या आर्चबिशप डी. गॅस्पर द लिओ पेरेरा (1560-1570 आनी 1574-1576) हाचो *"कॉम्पेन्डियो एस्पिरिटुअल दा विन्डा क्रिस्ता"* जुआंव द क्विन्कॅनिओ हाणें छापलें; डॉ. गार्सिया द ऑर्टा हाचें *"कोलोकियोस डॉस सिम्पल्स ई ड्रॉगास मेडिसिनेस"* हें पुस्तक 1563 वर्सा जुआंव द एन्डेम हाणें छापलें. फा. थॉमस स्टिफन्स गोंयांत येवच्या धा वर्सां आदीं गोंयातल्या

तरणाट्यांनी तयार वा अणकारीत केल्ल्या कोंकणीतल्यान रोमन अक्षरां वापरून क्रिस्तांव धर्मांतली प्रस्नोत्तरावली (*कॅटेसिझम*) छापली. होच छापखानो आक्सांतल्या सेंट पॉल महाविद्यालय वा पोरण्या गोंयच्या सेंट रॉकच्या न्यू कॉलेजींत स्थलांतरीत केलो.

"सेन्ट पॉल कॉलेजीच्या एका गोंयकार विद्यार्थ्यान, घडये कोंकणींत फादर थॉमस स्टिफन्स हाचो प्रशिक्षक हाणें '*आर्ते*' हें कोंकणी व्याकरण तयार केलें, जें केन्नाच उजवाडाक आयलें ना. तशेंच ताणें एक क्रिस्तांव धर्मांतली प्रस्नोत्तरावली बरयली जी मागीर प्रकाशीत केली. जेजुईतांक तेन्ना कोंकणी भास कळनाशिल्ली. फकत 1561त कांय तरणाट्यांनी तांकां 'आर्ते' ह्या व्याकरणा वरवीं कोंकणी भास शिकयली."[3]

जपानांतल्यान सेंट फ्रान्सीस शावियर हाणें ताच्या वांगड्या सयत पावलू द सांता फे हाच्या आदारान रचिल्लें *"हिस्टोरिया द जिजस क्रिस्तो"* हें पुस्तक कॉलेज ऑफ सेन्ट पॉलच्या छापखान्यांत छापलें. पोरण्या गोंयांतल्या सेंट पॉलांतलो तोच छापखानो राशोल सेमिनारींत स्थलांतरीत केलो.

1616 वर्सा राशोल कॉलेजींत रोमी लिपेन छापून उजवाडाक आयिल्लें पयलें क्रिस्ती पुराण (वा डिस्कर्सो सोब्रे अ विन्डा द जिजस क्रिस्तो नॉसो साल्वादोर आओ मुन्डो, "*जेजू क्रिस्त आमच्या सोडवणदाराच्या संवसारांत येवपाविशींचें प्रवचन*" हें पुस्तक थॉमस स्टिफन्स हाणें बरयल्लें. ताणें तें थळावे भाशेंत

आनी मराठी भाशेच्या साहित्यीक काव्यरुपांत बरयल्लें. घुमट वाजोवन लोकांनी हें पुराण गायिल्लें. 1649 आनी 1654 वर्सा दोन फावटीं ताचें संपादन जालें, पूण आयज मेरेन ह्या दोनूय आवृत्त्यांची प्रत मेळूंक ना. मंगळूरांतल्या साल्दान्हा हाणें ती परतून छापून काडली पूण सद्याची प्रत नोंद जावंक ना. मराठी साहित्यांत क्रिस्ती पुराणांक खाशेली सुवात आसा. फादर स्टिफन्स दोन वर्सां वसईंत रावलो आनी थंय ताणें वसई कडेन आपलो संबंद उक्तायतना आपलें महाकाव्य बरयलें.

1674त निमाणें रॅग्रास दा कॉम्पॅन्हिया द जिजस हांणी *जेजूच्या समाजाचे नेम* हें पुस्तक छापलें. 1616 ते 1674 मेरेन छापखानो थंय आशिल्लो.

"ताचे उपरांत फा. थॉमस स्टिफन्स हाचो दोत्रीन *क्रिस्ता एम्. लिंग्वा ब्राह्मण कानारीम (1622)* क्रिस्तांव धर्मसुत्रा विशींचो ग्रंथ उजवाडा आयलो. फा. थॉमस स्टीफन्स हाणें गोंयच्या बामणाचे बोलींत, रोमन अक्षरांचो वापर करून संवादाच्या रुपान हो ग्रंथ बरयल्लो. 1945 वर्सा डॉ. मारियानो साल्दान्हा हाणें लिस्बनांत "दोत्रीन क्रिस्ता एम लिंग्वा कॉन्कानी पेलो पाद्रे थॉमस एस्टेवाओ" ह्या नांवान ताचें फोटो मुद्रीकरण केलें".[4]

फा. थॉमस स्टिफसन हाणें *आर्त दा लिंगोआ कानारी* (कनारी भाशेचें व्याकरण) (1640 )हें पुस्तक मुळांत रोमी लिपींत बरयल्लें जें उपरांत ताचो शिश्य फा. दियोगू रिबेरो हाणें सुदारून आनी विस्तारीत करून 1640 वर्सा

राशोल महाविद्यालयांत प्रकाशीत केलें. मिशनऱ्यांक साश्टच्या गांवांनी क्रिस्तांव धर्माचो प्रचार करपाक कोंकणी, कानारी भास शिकोवप असो ह्या पुस्तकाचो हेतू आशिल्लो. ह्या व्याकरणाच्यो तीन प्रती स्कूल ऑफ ओरिएऍन्टल स्टडीज (लंडन लायब्ररी), बिब्लियोटॅका नॅशनल (लिस्बन) आनी बिब्लियोटॅका द एव्हॉरा (पुर्तुगालांतल्या एव्हॉरा शार) हांगा आसात. ह्या पुस्तकाची दुसरी आवृत्ती जोकीम हेलियोदोरू द् कुन्हा रिव्हार हाणें 1867 वर्सा गोंयांत उजवाडायली.

रायतूर सेमिनारींत आशिल्या छापकानातल्यांन 1661 तें 1674 ह्या वर्सा मेरेन वावर जालो. आनी 16 पुस्तकां छापून आयली. उपरांत हो छापनो खंय गेलो हाची म्हायती मेळना. कांय पाद्रीचे सांगणें आसा. हो छापखानो कुड्तरी व्हलो. आनी थंयच्या पादीनी तो विखून खालो. तर कांय जाणांचे सांगणे आसा की तो ओल्ड गोवाच्या वस्तू सग्रहालयात व्हेलो. छापकानातल्यांन छापून आयिल्ल्या पुस्तकांची वळेरी अशें तरेन आसा;

1. “1616- **क्रिस्त पुराण-** फा. थोमस स्टिफन्स
2. 1622- **दोत्रीना किस्ता**- फा. थोमस स्टिफन्स
3. 1632- **देक्लारासांव द दोत्रीन क्रिस्ता** - फा. दियोग रिबेर
4. 1636- **Relacam de hum prodigioso milagre que o Gloroiso S. Franciso Xavier Apostolo do orieta Obrou na Cidade de Napoles No anno*.*** (ह्या पुस्तकांचे नांव आनी लेखक मेळना)

5. 1640- **आर्त द लिंग्वा कानारी** - फा. थोमस स्टिफन्स
6. 1649 - **क्रिस्त पुराण** - फा. थोमस स्टिफन्स (दुसरीं आवृती)
7. 1655- **सांत आंतोनींची अचार्यां** - फा. आंतोनियो साल्दान
8. - **जिवित्व राखांची अमृत फळां** - फा. आंतोनियो साल्दान
9. - **मरियेच्या धादोस्कायेच्या गिलाब बागींतलीं गुलाब आनी हेर सोबीत फुलां-** फा. आंतोनियो साल्दान
10. 1674- **Regras da Compandina de Jesus** (लेखक मेळना).
11. 1658-59- **वन वाळ्यांचो मळो** - फा. मिंगेल द आल्मेद
12. 1667- **सगळ्या वर्साचें वांजेल** - फा. इनजियो आर्कोमोनी
13. 1663- **जानुआ इंडिका -** फा. इनजियो आर्कोमोनी
14. 1663- **Commentarium a patre Ignatio Arcamone Societatis Jesu Concannice Compositum.**"[5]

## 4.2 मिशनरी पाद्रींनी केल्लो वावर

"1543 वर्सा पुर्तुगेजांनी बार्देज आनी साश्ट वाठार जिकल्यो उपरांत, धर्म पसरावचेपासत तांणी बार्देज वाठार फ्रांसिस्कन पाद्रींक आनी साश्ट वाठार जेझुईट पाद्रिंक दिलो. ह्या खातीर थळाव्या भाशेचें ज्ञान आसप मिशनऱ्यांक जबर म्हत्वाचें आसलें. ह्या दोनूय पंथांनी हुशार विद्यार्थी आनी भाशेचे ज्ञानी तयार केलें."[6] हे क्रिस्तांव पाद्री गोंयांत आयल्या उपरांत आपल्या मिसावांत लोकांक एकठांय करूक तांकां क्रिस्तांव करप हे तांचे म्हत्वाचे

ध्येय आशिल्लें. आपलो धर्म सगळ्यां मेरेन पावोवपाक तांकां कोंकणी भास शिकपाची गरज आसली. देखून तांणी हिंदू भटाक आनी बामणाक धरलें आनी तांचे कडल्यान कोंकणी भास शिकून घेतली. "घडय हाका लागून ते कोंकणीक *Lingua Brahamana (बामणांची भास*) म्हणटालें"[7]. तांणी कोंकणी भाशेचो बरोच अभ्यास केलो आनी त्याच भाशेंतल्यान व्याकरणांय रचलीं. ह्या व्याकरणांची समजणी मात पुर्तुगेज भाशेंतल्यान दिलीं. त्याच वांगडा तांणी *कोंकणी-पुर्तुगेज उतरावळ* रचली. 16व्या शेंकड्यांत सुमार तांणी हेर भासांतलें साहित्य कोंकणी भाशेंत अणकारीत केलें. हाका लागून तांणी रोमी लिपी अस्तित्वांत हाडली. तांणी कोंकणींतल्यान आनी मराठींतल्यान गद्य रचलें आनी छापलें. अशे तरेन कोंकणी भास फुडें व्हरपाक आनी कोंकणी भाशेची उदरगत जावपाक पुर्तुगेज पाद्रींनी जायतो वावर केलो. ह्या काळांत कोंकणीची उदरगत जाली नाजाल्यार घडये कोंकणी फकत उलोपाची भास जावन उतरता आसली. गोयांत जेजुईट पाद्रीं आयले तशें फ्रांसिस्कन पाद्रींय आयले. फ्रांसिस्कन पाद्रीं मठानीं रावताले आनी धर्म प्रचार करताले. फ्रांसिस्कन पद्रिंची परिस्थिती, जेझुईट पाद्रीं परस खूब सकयल्या पांवड्याचेर आसली. फ्रांसिस्कन पाद्रीं कडेन स्वताचो छापखानो नाशिल्लो. फ्रांसिस्कन पाद्रीनी कोंकणीच्या वावरांत पयलो वयलो फुडाकार घेतलो. कोंकणी शाळा सुरू केल्यो. फ्रासिस्कन पाद्रींनी कोंकणीच्या भाशीक

आनी साहित्यीक वावरांत म्हत्वाचो हातभार लायलो. आमादोर द सांतान हाणें '*Flos Sanctorum'* ह्या पुस्तकाचे मराठींन अणकार केलो. "हो अणकार म्हणल्यार फ्रांसिस्कन पंथांतले एकमेव छापिल्लें पुस्तक अशें मानतात."[8] जुआंव द सां मातिमश हाणें सेंट रॉबर्ट बॅलमायन हांचो '*Symbolum Fidei'* हो ग्रंथ कोंकणींत अणकारीत केलो. गाश्पार द सा मिंगेल होफ्रांसिस्कन पंथांतलो सगळ्यांत हुशार आनी व्हड तज्ञ आसलो. कोंकणी भाशेक तणें तीन म्हत्वाची पुस्तकां दिल्ली. आनी म्हळ्यार *"आर्त द लिंग्वा कानरिना, Syntax Copisissima Lingua Brahmanica,* आनी *पुर्तुगेज-कोंकणी आनी कोंकणी- पुर्तुगेज शब्दकोश."*[9] फ्रिआर क्रिस्तोआंव दे जेजु हो फ्रांसिस्कन पंथांतलो आनीक एक मिशनरी जाणें कोंकणी व्याकरणाक आपलें योगदान दिलें. ताणें "*arte grammatical da lingua canarina"* हो ग्रंथ बरयलो. फ्रांसिस्कन पाद्रीं रायतूर सेमिनारीचे भाग नाशिल्ले करें पूण ताचेंय कोंकणीक भाशेक दिल्ले योगदान म्हवाचे थारता. आनी नियाळ केल्लो बगर फुडें वचपाक शक्य ना देखून हाचो नोंदी केल्ल्यो आसा.

## 4.2.1. जेजुईट पाद्रीं

जेजुईट पाद्रींनीं गोंयांतल्यान तिसवाडी आनी साश्ट वाठारांत राबितो केल्लो. थंयसावन ताणीं आपलो धर्मप्रचाराचो वावर फुडें व्हरताले. जेजुईत पाद्रींनी

हांगाच्यो थळाव्यो भासो, कोंकणी आनी मराठी बारिकसाणेन शिकून घेतल्यो. गोंयकारांची उलोवपाची भास, कोंकणी तशेंच गोंयची धर्मीक आनी सांस्कृतीक भास, मराठी ह्या दोनूय भासानी ताणी फिशालकाय जोडली. आनीक कोंकणी भाशेचो जायतो वावर केलो.

“1540 वर्सा गोयांत कांय कॉलेज सुरू जाली. आनी कोंकणी भाशेचो भरपूर वावर जावन पडलो. हो वावर जावन पडलो. हो वावर करप्यांमदीं *फा. आंतोन द सालदान* (1598-1663), *फा. थोमस स्टीफन* (1549-1619), *फा. दियोग रेबेर* (1560-1633), *दो. जन्सन कुन्हा, इनसियो आर्कामोनी* (1615-1683), *फा. मिंगेल द् आल्मेद* (1607-1683) आनी आदी.”[10]

**1.फा. थोमस स्टिफन्स (1549-1619)**

फा. थोमस स्टिफन्साचो जल्म इंग्लंडाक जालो. भारतांत केप ऑफ गुड होप ह्या दर्या मार्गान येवपी हो पयलो मिशनरी पाद्रीं फादर थोमस स्टिफन्स हाणीं सुमार चाळीस वर्सां मडगांव, रायतूर, अश्या वाठारांत रावन पाद्रीपणाचो वावर केलो. फा. थोमस स्टिफन्साक भारतीय क्रिस्ती धर्मीक साहित्याचो बापूय लेखतात. फादर थोमस स्टिफन्सा उपरांत आयिल्ल्या पाद्रीनीं ताका गुरू मानलो आनी ताच्या पावलार पावल दवरून कोंकणीचो वावर चलयलो. फा. थोमस स्टिफन्स हाणी कृष्णदास शामाचें साहित्य वाचिल्लें म्हणपाचें समजता. हाचें कारण ताणे कृष्णदास ह्या नांवा वयल्यान स्वताक

'किस्तदास' हें नांव घेतिल्लें. जेजुईत पंथाचो हो पाद्री कोंकणी भाशीक इतिहासांत अमर उरला.

***साहित्यीक वावर***

फा. थोमस स्टेफन्साचें पयलें पुस्तकं 1614 वर्साक हात-बरपाच्या रुपान उजवाडाक आयलें. ताचे उपरांत 1616 वर्सा तें छापिल्ल्या रुपान उजवाडाक आयलें. तो ग्रंथ म्हळ्यार *'क्रिस्त पुराण'*. हो ग्रंथ मराठी भाशेन बरयलो. हो ग्रंथ जरी कोंकणी भाशेन नासलो तरीय ह्या ग्रंथाचे आनी कोंकणी भाशेचें लागशिल्लें नातें आसा. ह्या ग्रंथाचे प्रस्तावनेंत फादर थोमस स्टिफन्सान अशे म्हळां, 'गोंयच्या लोकांक शुध्द मराठी भास येना ते खातीर आपणे त्या ग्रंथांत थळावी भाशेंतल्या उत्तरांचो वापर केला'. होगा थळावी भास दुसरी हेर खंयचीय नासून कोंकणी आशिल्ली. फादर स्टिफन्साचे कोंकणी भाशेन बरयल्लें पुस्तक 1622 वर्सा उजवाडाक आयलें. तें पुस्तक म्हळ्यार *'दोत्रीना क्रिस्ता'*, ह्या पुस्तकाची आवृत्ती रायतुरचे सेमिनारींत छापली. पूण ताचे आदीं सुमार 35 वर्सां ह्या पुस्तकाचो हात बरपाच्या रुपान उपेग जातालो अशें जाणकार सांगतात. ह्या पुस्तकांत गुरू आनी शिश्य हांचे उलवणें प्रसन्नावळीच्या रुपान मांडला. जेजू क्रिस्ताचे जिणेचें तत्वगिन्यान आनी शिकवण ह्या पुस्तकांत आसपावल्या. आश्या खंडांतलें हे पयलें छापिल्लें पुस्तक आसा. ह्या पुस्तकांत 64 पानां आनी 11 प्रकरणां आसात.

***भाशीक वावर (व्याकरण)***

1640 ह्या वर्साक फादर थोमस स्टिफन्स हाणीं *आर्त द लिंग्वा कानारी* हे व्याकरणाचें पुस्तक उजवाडाक हाडलें. हें कोंकणींतलें व्हडलें व्याकरण अशें मानतात. त्या पुस्तकाचे तीन खंड आसात. पयल्या खंडात व्याकरण जाल्यार दुसऱ्या आनी तिसऱ्या खंडांत वाक्या बांदावळीक दरून व्याकरणाची फोडणी केल्या. ह्या तिनूय खंडांनी वर्णविचार, शब्दविचार आनी वाक्यविचार हांचो आसपाव जाला. हें व्याकरण आंद्रे वाझ ह्या गोंयकार पाद्रीन तयार केल्ल्या व्याकरणाच्या आदारान बरयलां अशें जाणकार सांगतात.

**2. फा. दियोग रिबेर (1560-1633)**

फादर दियोग रिबेर हाचो जल्म लिस्बन ह्या पुर्तुगालच्या शारांत जालो. रायतुरचे सेमिनारींत रावन ताणीं पाद्रीपणाचो वावर केलो. ताणीं कोंकणी, हिंदी, मराठी आनी संस्कृत ह्या भासांचो अभ्यास केल्लो. गोंयांत ते बरोवपी आनी शब्दकोशकार म्हण फामाद आसले. हेर पाद्री जे कोंकणी बरयताले तांचे बरवप तपासून पळोवपाचें आनी निवळावपाचें काम फादर दियोग रिबेर करताले. धर्मीक संकल्पनेतले ताणे निर्माण केल्लें साहित्य खूब मोलाचे अशें मानून ताका *'ऍपोस्ट्रल ऑफ लॉड जिझस* ही पदवी दिल्ली. ताणे क्रिस्त पुराणाचो रचनाकार फादर थोमस स्टिवन्स हांच्या 'दोत्रीना क्रिस्ता' आनी

'आर्ति द लिंगवां कानारी' ह्या ग्रंथांनी सुदारणा करून ताच्यो नव्यो आवृत्यो काडल्यो.

***साहित्यीक वावर-*** फा. दियोग रिबेर हांचो फामाद ग्रंथ म्हळ्यार *देक्लेरासांव द दोत्रीन क्रिस्ता.* हो ग्रंथ 1632 वर्सा उजवाडाक आयलो. "हो ग्रंथ ताणें जेजुईट पंथाचो कार्डिनल बेलर्मिनो हांच्या *'सिम्बोलुम फिदै'*, ह्या नामनेच्या ग्रंथावयल्यान रचला. ह्या ग्रंथांत रिबैरान क्रिस्तांव धर्माविशींचो विचार उक्तावपा खातीर संस्कृत परिभाशीक शब्दांचो व्हड प्रमाणा वावर केला"[11]. हाची एकूच प्रत लिसबनच्या शारांत आसा. रायतुरच्या छापखान्यान ह्या ग्रंथांत देशी संस्कृतायेंत वचपी कितलिशींच उतरां सांपडटात.

***भाशीक वावर (शब्दकोश)*** फादर दियोग रिबेर हांचो व्याकरणीक वावरूय खूबच म्हवाचो आनी मोलाचो आसा. कोंकणी भाशेची उतरावळ ताणी तयार केल्या. तशेंच कोंकणीचो शब्दसंग्रह हो ताचो म्हत्वाचो ग्रथं. साश्ट वाठारांतल्या जेजुईट पाद्रींच्या आदारान *'वॉकावुलारिया द लिंग्वा कानारी'* हो उतरावळीचो कोश 1626 वर्साक उजवाडाक हाडलो. हो कोश कोंकणी- पुर्तुगेज भाशेंतल्यान आशिल्लो आनी तो पुर्तुगेज पाद्रींक कोंकणी भाशेंतल्यांन सेरमांव सांगपाक आदार जावचो ह्या हेतून बरयल्लो. ह्या कोशांत 15,500 उतरांची नोंद आसा. ह्या शब्दकोशाचे दोन वांटे स्वत्रंत आसा जाल्यार दुसरो वांटो सबार जेजुईट पाद्रींच्या आदारान तयार केला. ह्या कोशांत कोंकणी

वाक्यप्रचार सांपडटात. ह्या कोशाची एक प्रत पणजेच्या सरकारी वाचप घरांत आसा. तशेंच ताणें फादर स्फिन्साचें पुस्तक *"आर्ति द कानारीं"* संपादन करून 1640 ह्या वर्साक छापलें.

**3. फा. आंतोनियो साल्दान (1598-1663)**

फा. आंतोनियो साल्दान हाचो जल्म आफ्रिकेंतल्या मोर्रोको शारांत जालो. हें शार त्या काळार पुर्तुगेजांच्या ताब्यांत आशिल्लें. ताचो बापूय नीज पुर्तुगेज आनी आवय इटालयन वंशाची आशिल्ली. 16 वर्सां पिरायेर तो फौजींत भरती जालो आनी गोंयांत आयलो. मागीर तो पाद्रीपणांत भितर सरलो. पाद्रीपणाचो अभ्यास करतना ताका गंभीर पिडा जाली आनी तो कुडो जालो. ताणें निमाणे कडेन पाद्रीपणाची दिक्ष घेतली आनी साश्ट गोंयच्या धर्म मळ्यांत ताका पाद्री आनी प्रवचनकार नेमलो. रायतुरचे कॉलेजींत ताणीं रॅक्टर म्हण वावर केला. कोंकणी आनी मराठी ह्या दोनूय भासांचें ताका गिन्यान आसलें. ते एक बरे प्रवचनकार आशिल्ले. 1663 वर्साक रायतुरचे सेमिनारींत ताका मरण आयलें. ताका 17 व्या शेंकड्यांतलो कोंकणींतलो व्हडांतलो एक गद्यकार मानतात."[12]

***साहित्यीक वावर***

फा. साल्दानचो फामाद ग्रंथ म्हळ्यार *'सांत आंतोनींची अचर्यां'.* भाशीक नदरेन वेग- वेगळी उतरां ताणी ह्या ग्रंथांत वापरिल्लीं दिसतात. फारसी

उतरां, कारवारी मोडींतलीं उतरां ह्या ग्रंथांत सांपडटात. ताचे दुसरें पुस्तक म्हळ्यार '*जिवित्व रुखाचीं अमृत फळां'.* ताचे भायर ताचीं 'प्रास्सि पाश्तोराल', '*मरियेच्या धादोस्कायेच्या गिलाब बागींतलीं गुलाब* आनी *हेर सोबीत फुलां आनी तांची माळ'* हीं पुस्तकां बरयल्यांत.

***भाशीक वावर (शब्दकोश)***

उतरावळीच्या मळार फादर साल्दानाचो वावर म्हळ्यार *वॉकावुलारिया द लिंग्वा कानारी.*

**4. फा. मिंगेल द आल्मेदा (1606-1683)**

फा. मिंगेल द आल्मेदा होंचो जल्म पुर्तुगालच्या गौवेया गांवांत 1604 वर्साक जालो. उदेंतेच्या धर्म मळ्यांत वावुरचे खातीर म्हणून तो गोंयांत आयलो आनी ताणें 1625 आंतल्या सेतेंब्राचे 12 वेर जेजुईत धर्म संघांत प्रवेश घेतलो. मागीर ताका भारतीय जेजुईत प्रांताचो व्हडील नेमलो. सांत पावल ह्या कॉलेजींत ताणीं डायरेक्टर म्हण वावर केला. तसोच गोंयचे चिकले गोंवचे ते पादविगार आसले. कोंकणी बरोवपी, अभ्यासक म्हण तांची नामना आशिल्ली. ताणीं कोंकणींत साहित्यीक आनी भाशीक नदरेन खूब मोलाचो वावर केला. तांच्या वावराक लागून तांका जेजुईत प्रांतात मुखेलपणाचे अदीकार दिल्ले. फादर आल्मेदा हांच्या साहित्या कडेन साहितीक मुल्ल्यां आशिल्लें साहित्य म्हण पळयतात.

***साहित्यीक वावर***

1658-59 वर्सा फादर मिंगेल द आल्मेदा हांचो *'वनवाळ्यांचो मळो'* हो फामाद ग्रंथ उजवाडाक आयलो. हो ग्रंथ पांच खंडांनी उजवाडाक आयलो. एका खंडांत सुमार अडेशीं पानां आसात. पयलो खंड गोंयच्या अनजूना गांवांतल्या कोन्ग पाद्री फ्रांसिश्कु वाज, हाणें कलकता वस्ती करून राविल्या हेत्री होस्टेन ह्या जेजुईत इतिहासकारा कडेन उशणें दिल्ल्यान, ताणें ताचो चिकित्सक अभ्यास करून मुंबय थावन उजवाडाक येतल्या *'एक्षामिनर नेमाळ्यार'* (1922) कांय लेख बरयल्ले. ग्रंथाची भास सहज आनी सोपी आसा. सुंदर आनी अलंकारीत शैली ताच्या साहित्यांत पळोवपाक मेळटा. 16व्या शेंकड्यांत निर्माण जाल्ल्या ह्या ग्रंथांवरवीं 'वनवाळ्यांचो मळो' ह्या ग्रंथांत उचेली सुवात फावो जाल्या. तांचे *'Summa Theologica'* ह्या म्हान ग्रंथाक सर करपा सारको हो ग्रंथ पांच खंडाचो ग्रंथ आसा. 16 वो - 17 वो शेंकडो हो कोंकणी साहित्याचो *'भांगराचो काळ'* मानतात आनी ह्या भांगरा काळांतलो सर्वोत्तम ग्रंथ म्हळ्यार 'वनवळ्यांचो मळो'.

***भाशीक वावर (शब्दकोश)***

फादर आलमेदा हांची उतरावळीच्या मळारूय वावर आसा. कोंकणी पुर्तुगेज कोश ह्या तांच्या कोशांत सुमार 19 हजार उतरां आसात.

**5. फा. इनाजियो आर्कोमोनी (1615-1683)**

फादर इनाजियो आर्कोमोनी, हे एक इटाल्यन पाद्री आशिल्ले. रायतूर, बाणावले, मजगांव ह्या वाठारांनी ताणीं पाद्रीपणाचो वावर केला. कोंकणी, मराठी, आनी कन्नड ह्यो तिनूय भासांचें ताचें प्रवृत्त आशिल्लें.

***साहित्यीक वावर***

“फा. इनाजियो आर्कोमोनी हांचो *‘जानुआ इंडिका’* हो ग्रथं तांचो खूब गाजलो. भारतांत येवपी भौंवडेकारांक मार्गदर्शन करपी असो हो ग्रंथ. *‘सगळ्या वर्साचें वांजेल’* ह्या पुस्तकांत ताणी वर्साक जावपी शेरमांव, प्रवचनां आनी धर्माविशीं शिकवण हाचेर लिखाण केल्लां. ह्या ग्रंथांतली भास भोव अलंकारीक आसा”.[13]

***भाशीक वावर***

तांचें मराठी आनी कोंकणी वावराचे तीन खंड उजवाडाक आयिल्ले. पयल्या खंडात कोंकणी भाशेचेर प्रबंध आसा जाल्यार दुसऱ्या खंडांत मराठी भाशेचेर प्रबंध आसा आनी तिसऱ्या खंडांत कोंकणी आनी मराठी भाशेचो तुळात्मक नदरेन केल्लो अभ्यास मांडला. तातूंत कोंकणी आनी मराठी ह्यो दोनूय वेग- वेगळ्यो भासो आसात म्हणपाचें स्पश्ट केल्लां.

6. **फा. जुवांव द पेद्रोज**

फादर जुवांव द पेद्रोज हो जुआंव फेर्नादिश हाचो पूत आशिल्लो. पुर्तुगालाच्या लेयरिया धर्म प्राथांतल्या कोयिंब्रा शारांत 1615 वर्सा ताचो जल्म जालो. तरणाटो आसतना गोंयां आयलो आनी ताणें जेजुईत धर्म संघांत प्रवेश घेतलो. उपरांत पाद्रीची दिक्षा जोडली. ताणें गोंयच्या साश्टी धर्म मळ्यांत जायतीं वर्सां वावर केलो आनी रायतुरचे सेमिनारिचो वा पाद्री प्रशिक्षण संस्थेची व्हडील जावंक पावलो. ह्या कार्य काळांत प्रधान अशे अभ्यास येवजण्यो आंखल्यो आनी त्या वाठारांतल्यान धर्मप्रसाराच्या कामाचे संचालन केलें. तो गोंयां 1672 वर्सा मायाचे 10 तारकेर अंतरलो.

***साहित्यीक वावर***

'*देवाची एकाग्र बोलणी*' हो तांचो ग्रंथ 1660 वर्साक उजवाडाक आयलो. ह्या ग्रंथांतली भास सोबीत रितीन आपल्या आनी खूब उणे प्रमाणान पुर्तुगेज उतरांचो प्रभाव दिसता. '*सदा आंकवारी मारी*' हें ताचें फामाद पुस्तक.

**7. फादर दियोग आरमाल**

***भाशीक वावर (शब्दकोश)***

फादर दियोग आरमाल हाणें *'प्रोसोडिया डेल लिंग्वा कानारी' (Prosodia della Lingua Canari)* हो कोंकणी भाशेचो शब्दकोश रचला.

**8. फादर कारेल प्रिक्रिल (1718-1785)**

हे एक बॅंकोस्लावियन पाद्री.

***व्याकरण***

"फा. कारेल प्रिक्रिल हाणे *प्रिन्सीपिला द लिंग्वा ब्राहमणी (Principila de Lingua Brahmani)* हो कोकणी भाशेचेर आदारीत व्याकरण ग्रंथ रचलो."[14]

## 4.3. हेर लोकांनी केल्लो वावर

### 1. एदुआर्दो जुझे ब्रुनो द सौज (1836-1905)

1556 वर्सा पयलेच फावट गोंयांत छापपाचें यंत्र आयलें. पयलें आशियांतलो पुराय वाठारांत छापखानो गोंयात आसलो खरो पूण भारताचे पयलें वर्तमानपत्र काळा रुपाचीं व्हडविकाय गोंयाक मेळूंक नाशिल्ली. 21 व्या शेंकड्यांत कोंकणीचे साहित्य बरोवपाचो यत्न चलतालो. तें कशें बरोवचें, खंयचें लिपी आपणावाची आनी जगाक कशे तरेन ती दिवंपी असले विचार जायत्यां जाणांच्या मनांत चलताले. पूण एकुआर्दो जुझे ब्रुनो द सौजान आपले हे विचार कर्तुबान बदलून कोंकणी भाशेचें मोंल आपल्या बरोवपांतल्यान दाखयलें. कोंकणी भाशेचो मोग आपल्यांक आसा आनी कोंकणी भास फुडाराक वाडयतलो चडयतलो म्हूण वाचकाक आशवासन दिलें. एदुआर्दो जुझे ब्रुनो द सौजा तो रायतूरचे सेमिनारींत भितर सरलो. थंय ताणें तियोशास्त्र आनी धर्मशास्त्राचे शिक्षण घेतलें. कांय वर्सांनी ताणी

सेमिनार सोडली. कोंकणींतली पयली कांदबरी *क्रिस्तांव घराबो* बरोवपी रायतूर सेमिनारींतल्यान शिकिल्ले.

एदुआर्द जुझे ब्रून द सौझ हाणें कोंकणी पत्रकारितेच्या मळार म्हत्वाचो वावर केल्लो. तो म्हळ्यार ताणे, कोंकणींतलें पयलें म्हयन्याळें *उदेंतीचे साळक* उजवाडाक हाडलें. हें म्हयन्याळे सुरवातेक म्हयन्याळें जाल्यार उपरान तें पंद्राळें जालें. तें 02 फेब्रुवारी 1889 ह्या वर्साक पुणेंच्यान उजवाडाक येवपाक लागलें. त्या काळार गोंयचेर पुर्तुगेजांचें राज्य चलतालें. गोंयांत पत्रां भी उजवाडाक हाडपाक मेळनाशिल्ली. देखून कोंकणी भाशेंतलें पयलें म्हयन्याळें 'उदेंतीचें साळक' पुणेंच्यान जल्मांक आयलें. उपरांतच्या काळार तेंच म्हयन्याळे मुंब्यच्यान उजवाडाक येवपाक लागलें. कोंकणींतल्या ह्या पयल्या म्हयन्याळ्यांतल्यान कितलेंशेंच कोंकणी साहित्य उजवाडाक येवपाक लागलें..

एदुआर्दा जुझे ब्रून द सौझ हांचे लेख *उ हेराल्दु* ह्या नेमाळ्याचेरूय उजवाडाक येतालें. हाच्यो प्रति  पणजेच्या वाचपघरांत मेळटात. ते बरयतना आपलें पुराय नांव घेनासतना 'एदुजोबदेजा' ह्या टोपन नांवान बरयतालो. जाचो अर्थ एदुआर्द जुझे ब्रून द सौझ आसलो.

तांचो हेर साहित्यीक वावर म्हणल्यार, 1897 वर्साक तांचें *'किस्तांवांची दोतोन गोयचे भाशेन'* 1901 वर्साक 'पियादाद सायविणीची आनी साबार *दुसरीं गितां', मीत सायविणीची आनी साबार दुसरीं गितां* आनी '*रेसुरेसांव*

*दो कोंकणीं* ही पुस्तकां ताणें रचली. तांचे ‘उ हेराल्ड’ ह्या नेमाळ्याचेर कोंकणी भाशेचेर आदारून कितलेशेच लेख उजवाडाक आयलें. *किस्तांवपणाचो घराबो, क्रिस्ताव घराबो, सरगींचो थेवो* हीं ताची हेर आनी कांय फामाद पुस्तकां.

किस्तांव घराबो ही कोंकणी साहित्यांतली पयली कादंबरी, जी 1905 वर्सां बरोवन उजवाडाक हाडली. ताच्या उपरांत 1911 वर्सा ती छापून हाडली. एका क्रिस्तांव घराब्याचें वर्णन करपी ही कादंबरी, देव भिरांतेंन जगपी ह्या क्रिस्तांव घराब्याची जीण हे कादंबरीत हाडल्या. ही कादंबरी आमकां देवनागरी लिपयेन लिप्यांतर केल्या. हालींच 2011 वर्साक हे कांदबरीचों 100 वर्सा पुराय जाल्यांत.

तांचें आनीक एक फामाद पुस्तर म्हळ्यार ‘*एव आनी मोरी*’ हें महाकाव्य, संवसारांतली पयली बायल ‘एव’ आनी जेजू क्रिस्ताची आवय ‘मोरी’ हांच्या जिणेचेर आदारिल्लें महाकाव्य ताणें रचले. एडुआर्द जुझे ब्रुनाच्या काळार गोंयांत जांव गोंया भायर समाजांत बायलांक व्हडलेशें म्हत्व नाशिल्लें. ताका लागून त्या काळार बायल मनशेचेर कोणूच साहित्य रचनाशिल्लो. पूण एडुआर्द ब्रून द सौझान पयलेच फावट ‘*एव आनी मोरी*’ हें दोन बायलांचेर महाकाव्य रचलें. एडुआर्द सौझान आपलें साहित्य रचपा खातीर रोमी लिपयेच्या आदारान आनीक एक लिपेचो सोद लायलो. ताणें ते लिपेक

'मरियन लिपी' आशें नांव दिलें. तो जेजुची आवय मेरी हिचो भक्त आशिल्ल्यान तिच्याच नांवाचेर ताणें ते लिपेक 'मरियन लिपी' अशें नांव दिलें. ताचें साहित्य हे लिपेंतल्यान उजवाडाक येतालें.

एदुआर्द जुझे ब्रून द सौझ ह्या मनशान कोंकणी भाशेच्या मोगान कोंकणी एक नवीन जिवसाण दिली. कोंकणी जी मरून गेल्ली ती इल्ली इल्ली फुलूंक लागली. हळू हळू कोंकणींत नवीन साहित्याची नर्मणी जावपाक लागली. डॉ. कुन्न रिवारान जी कोंकणीचे अस्मितायेची किट्ट पेटयल्ली ती इल्ली इल्ली पेटत वयताली. तेच किट्टीची एक जोत एडुआर्द जुझे ब्रून द सौझ हांच्या काळजांत पेटली आनी कोकणीच्या मोगान पडून तांणी कोंकणीची सेवा करपाक सुरवात केली.

**2. मो. सेबास्तियांव दाल्गाद**

मो. सेबास्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद हे एक अभ्यासके. तांच्यो कोंकणी भाशेचो आनी साहित्याचो खूब म्हत्वाचो वावर केला. ते खातीर हे आयज पासून ते कोंकणी लोकां भितर साहित्याच्या भाशेच्या वावरांतल्यान अमर उरल्यात. तांचो जल्म गोंयांतल्या बारदेज म्हालांतल्या आसगांव गांवांत 8 में 1855 वर्साक जालो. तांचें मुळावें शिक्षण म्हापश्यां एका शाळेंत जाल्या उपरांत ते राशोल सेमिनारींत गेल्ले. थंय ते 1881 वर्सा पाद्री जालें. ताच्या उपरांत ते रोमांत गेल्ले आनी थंय ताणें डॉक्टरेट ही पदवी प्राप्त केली. 1884 वर्साक

ते लिजबनांत गेल्लें. थंयच्यान ते रोकडेच परत गोंयां परतले. उपरांत सिलोनांत ताची विगार म्हण नेमणूक जाली. ताच्या उपरांत तें बंगालचे आनी उपरांत 1893 वर्साक तें होनावरचे विगार जाले. ताच्या उपरांत ते परत लिजबनांत गेल्ले आनी थंय तांची संस्कृत भाशेचो प्रोफेसर म्हण तांची नेमणूक जाली.

“मो. दाल्गाद हे एक भासविज्ञानीक आशिल्ले. तांणी संस्कृत, अरबी, फार्सी, जर्मन, ग्रीक, हिब्रू, लेटीन, फ्रेंच, पुर्तुगेज आनी हेर कितल्योशोच भासो ते शिंक्किल्ले. ताणें संस्कृत भाशेतलीं दोन क्लासीक पुर्तुगेज भाशेन अपणार केल्ल्यांत. ताच्या वावरा भितर, Influence *of Portuguese Vocabulary on Asiatic Languages* (1913) आनी *Luso - Asiatic Glossary* (1921) हे दोन म्हत्वाचे ग्रंथ.”[15]

मो. सबास्तियांव दाल्गाद हो कोंकणीतलो एक व्हड (शब्दकोशकार) ते गोंयातले पयले कोंकणी कोशकार आसात. ताणें दोन शब्दकोश तयार केले. तातूंतलो एक शब्दकोश कोंकणी पुर्तुगेज आनी दुसरो पुर्तुगेज - कोंकणी, सुरवातेच्या काळांत जेन्ना पुर्तुगेज लोक कोंकणी भास शिकताले तेन्ना तांकां शिकपा खातीर ह्या कोशांची गरज पडटाली, ताणें तयार केल्ल्या ह्या कोशांनी 15,000 - 16,000 उतरां मेळटात.) त्या काळार जो कोण कोण कोंकणी शिकतालो तांच्या खातीर हे शब्दकोश खूबच फायद्याचे जाताले,

तांचो कोंकणी - पुर्तुगेज कोश 1893 वर्साक मुंब्य छापलो तशेंच तांचो दुसरो कोश पुर्तुगेज - कोंकणी 1905 वर्सा लिजबनांत छापलो) तांचे हे दोनूय कोश अभ्यासकां खातीर म्हत्वाचे आसात. ह्या दोनूय कोशांनीं ताणें सुरवातेक लिपी, व्याकरण आदीं विशयांचेर विस्तारान बरयलां. आयच्या अभ्यासकांक आनी कोंकणीचें प्रमाणीकरणाक हे कोश खूबच फायद्याचे आसा. पूण ते पुर्तुगेज भाशेंतल्यान बरयल्या कारणान लागून ते खूब थोड्या लोकांक फायद्याचे थारल्यात.

मो. दाल्गाद हाणें ते भायर एक कोंकणी म्हण्यांचो झेलो तयार केल्ला. 1922 वर्सा ताणें तो पुर्तुगालच्या एका विद्यापीठा कडल्यान उजवाडाक हाडलो. (तातूंत सगळ्यो मेळून 2,177 कोंकणी म्हणयो आसात ताचे विश्या प्रमाण वर्गीकरण केल्लां आनी तांची फोडनीशी दिवून हेर भासां वांगडा तांची तुळां करून सांगल्यात. ह्या पुस्तकांचें सगळे भाश्य पुर्तुगेज भाशेन आशिल्ल्यान त्या पुस्तकांतल्यान कोंकणी भाशेची गिरेस्तकाय कळोवंक येता. ह्या पुस्तका भायर ताणें कोंकणी भाशेचें व्याकरण तयार केल्लां. पूण हें व्याकरण पुस्तक रुपान उजवाडाक येवूक पावलें ना. तें पणजेच्या केंद्रीय वाचनालयांत दवरिल्लें आसा. अशें तरेन सेमिनारीतल्यान शिकून ताणें केल्लो वावर कोंकणी भाशे खातीर खूब व्हडलो वावर आसा. 4 एप्रिल 1922 वर्सा तांका मरण आयलें.

# संदर्भ

1. https://racholseminarygoa.org/printing-press
2. वयलोच संदर्भ.
3. डॉ. गोमिश ओलिवीऱ्यु. कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास. (एक सुपुल्लो नियाळ) कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर- गोंय. 1989. Pg. 20.
4. https://racholseminarygoa.org/printing-press
5. Ataide de Mousinha. *Rachol*. Rachol seminary, Goa. 2010-2012. Pg. 30.
6. De lima, Edward. Introduction: The Konkani Language. *Influence of Portuguese vocabulary on Konkani language.* Vikram Publication, Porvorim Bardez, Goa, 2014, pg no.1.
7. वयलोच संदर्भ.
8. Pereira Antonio, *The makers of konkani literature*. Pg no. 13.
9. नायक, कानिनाथ. *कोंकणी भाशेचो पुर्विल्लो इतिहास*. संपा. तुकाराम शेट. कोंकण टायम्स पब्लिकेशन. कोकण टायम्स. दिवाळी अंक 2000. Pg. No. 50-51.
10. De lima, Edward. Introduction: The Konkani Language. Influence of Portuguese vocabulary on Konkani language. Vikram Publication, Porvorim Bardez, Goa, 2014, pg no.9.

11. डॉ. हळर्णकार तानाजी, कोंकणी विश्वकोश, खंड 3 ट-फ, उजवाडावपी- गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव- गोंय. छापणावळ लेद्राकॉम, शांतिनगर, फोंडे- गोंय. Pg. No. 198.

12. संपाक मंडळ. *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय,* कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय,2003, pg.no. 183.

13. Pereira Antonio, The makers of konkani literature. Pg no. 92

14. वयलो संदर्भ.

15. चसंपाक मंडळ. कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय,2003, pg.no. 187

# प्रकरण 5:

# स्वातंत्र्य उपरांत आयज मेरेन संस्थेंत चालू आशिल्ले कोंकणी खातीर काम.

5.1. धर्मीक

5.2. भाशीक शिक्षणीक

5.3. संगीत

5.4. वेग-वेगळ्यो कार्यावळी

5.4.1. आमचें दायज

# प्रकरण: 5. स्वातंत्रय उपरांत आयज मेरेन संस्थेंत चालू आशिल्ले कोंकणी खातीर काम

## 5.1. धर्मीक

रायतूर सेमिनारीक शेंकड्यांचो इतिहास आसा. सेमिनारींत धर्म परगटोपाचो वावर करतात. ह्या सेमिनारींत हजारांनीं भुरगें शिकून, पाद्री जावन आयज गोंय-दामावाच्या महा-धर्मप्रातांत धार्मीक वावर करतात.

रायतूर सेमिनारींत सुरू आशिल्ल्यो धर्मीक वावर म्हळ्यार, ह्या सेमिनारींत पवित्र सभा सेवाधर्मीक वर्स मनयतात. तातूंतल्यो कांय परब सेमिनारींत मनयतात. देखीक, भागीवंत इनास दे लोयेलाची परब, जेझूच्या भोव पवित्र काळजांची परब, आंकवार मारियेच्या गर्भ सोमबोवणेची परबो. ते भायर गोबराचो बुधवार आनी हे बारीक मोट्यो परबो मनयतात.

सेमिनारीच्या इगर्जेंत सदांच कोंकणीं भाशेंतल्यान मिसां जातात, लोकांक कुमसार कोंकणींतल्यान वा हेर भासांनीं कुमसार जावपाक पद्रि मेळतात. आनी हेर मागणी करूंक जाय जाल्यार सेमिनारीचीं दारां सदांच उगती आसतात. सेमिनारींत पाद्री आनी थंय शिकपी विद्यार्थी वेग- वेगळ्या इगर्जेनी वचून आपलें मुणयारी जिवीत जियेतात. इगर्जेंतल्या भुरग्यांक वा तरण्ट्यांक सयोग मेळटा ते भाशेंन सेमिनारींत हाडटात आनी ताची निर्मीती करतात. सेमिनारीचे भुरगे आठवडयाक एक फावट गरीब दुबळ्यांक भेट

दिवपाक वेतात. तांचे बरोबर वेळ सारतात आनी देवाचें उतर परगटायतात. सेमिनारींत वेग- वेगळे कार्याक्रम निर्माण करून, सेमिनारींतल्यांन धार्मीक वावराची पेटयतात. ते कार्याक्रम म्हणल्यार रेतीर, देव संदेशकारांक आनी दोतोनीच्या भुरग्यांक कॅथिकॅथिकल दीस, गरीब दुबळ्या बरोबर एक दीस, केरमेस आनी हेर कार्यक्रम करता.

हालींच हे सेमिनारींत पवित्र पुस्तकांची, पवित्र सेभेची आनी देव शास्त्राची शिकोवण सुरू जाल्या. ही शिकोवण सेमिनारींत आशिल्ल्या विद्‌यार्थ्यां बरोबर हेर क्रिस्ती भावार्थीयांक दितात. तेच बरोबर कांय वर्सां फाटीं युटूब ह्या माध्यमांतल्यान "*Wisdom Reflections*" हीं नियाळाचीं चलचित्रां घातल्यात. अशे तरेन नव्या युगाचो नव्या तंत्राचो वापर करून धर्मीक वावर नवे पिळगेक पावोपाचो प्रयत्न रायतूर सेमिनारी करता.

## 5.2. भाशीक शिक्षणीक

सेमिनरींत शिकपी विध्यार्थांक कोंकणी भाशेंचे गिन्यान आसप सक्तिचें आसा. कारण चडशें सेरमांव कोंकणीतल्यान जातात. त्या खातीर कोंकणी भास उलोवपाक आनी रोमी लिपेंन बरोवपाक शिकयतात. एक वर्स सोडून दुसऱ्या वर्सांक हो कोंकणींतलो कोर्स भुरग्यां खातीर आसता. हो कोर्स शिकोवपा खातीर विन्सी कुवार्डोस, आगनेंल दे बोरी, फा. रोमन रोड्रीगीस आनी फा. लुईस गोनस हांणी आपले येगदान दिलें आसा.

## 5.3. संगीत

गोंयांत संगिताक खूब म्हत्व आसा. रायतूर सेमिनारीचे कोंकणी संगिंताच्या मळार आपलें जायतें योगदान दिलां. संगीत सांबाळून दवरतलो जाल्यार, तें बरोवंक शिकूंक जाय. ताका मधूर सूर घालून, नाद घालूक तें शिकूंक जाय आनी हें सगळें करूंक रायतूर सेमिनारी हांगा शिकतल्या भुरग्यांक शिकवण दितात. संगीत शिकोपाचें कारण म्हळ्यार धर्मीक गितां, बरे तरेन गावन संगीता वरी धर्माची बरी खबर परगटूंक. तशेंच ह्या सेमिनारींत संगीत शिकतल्या पाद्रीनीं फकत धर्मीक गितांकूच आपलो तंको दिलो पूण संस्कृतीक आनी गोंयचे संगीताकूय आपलें योगदान दिल्लें आसा. ह्या सेमिनरींत शिकून गेल्लें पाद्री ह्या संगिताचो गूण घेवन आप-आपल्या गांवानी वावर करतात. दुसरें लोकां आनी भुरग्यांक संगीत शिकयतात. धर्मीक आनी संस्कृतीक मळाचेर वेग-वेगळ्यो कार्यावळी आयोजीत करतात. सेमिनारीचे गायन मंडळ 11 एप्रील 1897 ह्या वर्साक सुरू जालें. कांय सेमिनारिस्तांनी वांगडा येवन हो गायन मंडळ तयार केल्लें. हाचो हेतू धर्मीक कार्यावळीनीं धर्मीक गितां वेग- वेगळ्या सुरांनी गावप. ह्या गायन मंडळाक पयलीं *‘Orpheon Palestriniano de seminario va Caro Palestriniana’* अशें नांव पडलें. 23 मार्च 1905 वर्साक आर्च भिशप डॉम आंतोनियो साबस्तयांव हांणी *Coro de Santa Cecilia* अशें नांव दिलें.

फाटली सुमार 124 वर्सां ह्या गायन मंडळान आपली सेवा दियत आयल्या. धर्मीक गितां तशेंच संस्कृतीक गितां गावन जायत्याचें मन खुशाल केला. दर वर्साक शिकक्षणीक वर्स सोंपता तेन्ना हें गायन मंडळ एक वर्सुकी धर्मीक संगिताचो कार्यक्रम करता. तशेंच हातूंत संस्कृतीक गितां गायतात. ह्या कार्याक्रमांत सेमिनारिस्ट भाव तशेंच हेर लोक हातूंत गितां गायतात. 2007-2009 वर्साक तीन कार्यावळी जाल्यो आनी त्यो सर्गेस्त पा. रोमियो मोतेरो हाच्या मानाक घडोवन हाडल्यो. 2010 वर्साक डिसेंबराच्या म्हन्यांत मगळूंर शारांत जाल्ल्या 'मांडो गायन' हे कार्यावळीत वांटो घेतलो. 2023 वर्सा फा. वास्को रेगो हाच्या मानान गायना झेल्याची 60 वर्सां मनयलीं. *फा. वास्को रेगो* हांणी कोंकणी गायना झेल्यांत मोटे योगदान दिल्लें आसा.

सांता सिसिलिया हो गायन मंडळ तयार जावचें आदीं हे सेमिनारींत संगीत शिकोवपाची शाळा आसली. तशेंच हे सेमिनारींत फकत संगीत वाचूंक आनी गावूंक शिकयानासले पूण संगीत आनी वाद्यां वाजूंक लेगीत शिकयताले आनीक आयज लेगीत शिकयतात. सेमिनारी खंयचोय कार्याक्रम जावचो आदीं संगीत वजोवन मानेस्तांक येवकार दितात. सेमिनारीचो वडील आर्चभिशप आनी हेर म्हत्वाचे सोयरे येतात तेन्ना तांकां ब्रास बॅड वाजोवन येवकार दितात. आदल्या काळार गोंयांत फेस्ताच्या दिसाक सकाळी उटून *'आलवाराडो'* वाजोवन त्या फेस्ताक रंग हाडताले. आयज पासून सेमिनरींत

फेस्ताच्या दिसाक सकाळीं ब्रास वाजत्रां वाजोवन वेग- वेगळी गितां वाजोवन त्या काळाची याद करता. आनी परंपरा साबाळून दवरता. अशे तरेन सेमिनारी संगीताच्या मळार फुलून हें संगीताचे दायज सांबाळूक दवरतात. सेमिनारींत ब्रास बॅड मुखेल फेस्ताक वाजयतात, तें म्हळ्यार इनास द लोयेला हाच्या फेस्ताक, बाळका जेझुची भागींवंत तरेझा हाच्या परबांक, जेझूच्या काळजाचे परबेंक आनी भागिवंत जुझे वाज हाच्या परबेंक आलवारादो वाजयतात. सेमिनारींत ब्रास बॅड वजत्रां शिकयतात तीं ट्रम्पिट, ट्रोमबॉन, हॉर्न, सेक्सोफॉन, फ्लूट, क्लॅरीनॅट, सिम्बॉल, ते भायर रेबेक, पियानो, ऑर्गन आनी गितार शिकयतात.

हया सेमिनारींत शिकून जायते पाद्री नामनेचे संगीतकार जावूंक पावले. ह्या सेमिनारींत न्हय तर पुराय गोंयांत तांणी आपलो योगदान दिल्लो आसा. ***फा. लुर्दीन बारेटो*** हो ल्हानपणांत सावन संगिताचो गूण आसल्या कारणाक लागून संगीताच्या मळार परजळे. 2004 ह्या वर्साक भागिवंत फ्रान्सीस शावियेराच्या रॅलिकाची दाखवोल आसली तेन्ना त्या वर्सांचे विश्य गीत '*Latrekaram*' तांणी गायलें."[1]

***फा. बॅर्नाद कॉटा*** हांणी गोंयच्या संगीताक चड करून इगर्जेच्या धार्मीक संगीताक मोलाचो भर घातलो. ते डायसीझन मंडलांचे धर्मीक संगीत विभागाचे प्रद्यापक आसले. तांणी 200 वयर स्तूती गितांची रचना केली.

तांतूतली कांय भजना आसलीं. तशेंच अतरराष्ट्रीय संगीत सर्तीत वांटो घेवन तांणी लाटीन भाशेंन *“Paster Noster” (Amchea Bapa)* हें कास गीत रचलें 10 संगीत नाटका केली आनी तांतूतले एक चलचित्र केलें. 11 भागाची सीडी आनी एक पुस्तक सोबीत नाटका 1, गोंयचें परपरीक संगीत, मांडो आनी दुलदाचो मालो छापून हाडलो. रायतूरचे सेमिनरींत 25 वर्सां संगीत शिकयलें. गोंय संस्कृतीक आनी समाजीक केंद्र घोडून हाडलोल्या मांडो सर्तीत सेगीत तीन वर्सां ताका पुरस्कार फावो जालो. तशेंच ताकां उर्तुकृश्ट गोंयचो आनी पाशच्यात संगीत रचनाकार म्हण ताचो भोवमान केला. तशेंच मडगांव जाल्या मांडो फेस्टीवल हांतूत ताच्या वावरा खातीर ताका भोवमान केलो. तशेंच गोंय संस्कृतीक केंद्र हाणी 2007-2008 ह्या वर्साक पुरस्कार फाव जालो. तशेच ताणी रायतूर सेमिनारींत धार्मीक संगीत शिकोवपाचें वावर केलो”[2].

***“फा. रोमयो मोंतेरो*** हांणी रायतूर सेमिनारींत पाद्रीपणाचे शिक्षण घेतले. संगिताचो मोग आशिल्ल्यान तांणी रायतूर सेमिनारींत ताणी संगीत शिक्यलें आनी रोमांत वचून संगीताच्या मळार आपलें फुडलें शिक्षण केल्ले. आनी रायतूर सेमिनारींत सांता सिसिल्या गायन पंगड घेवन ते मंगळूर गांवांत मांडो स्पोर्देंत वांटो घेतलो.

***फा. सिमांव डी. कुतिनो*** हांणी संगीताच्या मळार जायतो वावर केलो. तांणी दोन संगीत नाटका बरयली. आदलें 'आमचे दीस' (जे गोंयच्या वेग-वेगळ्या वेवसायाचेर आदारिल्ले आसा) आनी 'आमी सुदोरल्यांत' (जें धर्मीक अंद विस्वासाचेर भर घालता). तांणी जायत्या तियात्रांनी संगीत बरयलें आनी संगीतकारांक मार्गदर्शन दिलें. 2013 ते सांत सिसिल्या ह्या गायन मंडळाचे गुरू आसले आनी ब्रास बॅंड सांबाळताले आनी सेमिनारिस्टांक संगीत शिकयताले. आनी धर्मीक संगीताचेर कार्यावळी घडोवन हाडताले"[3].

## 5.4 . वेग वेगळ्यो कार्यावळी

रायतूर सेमिनरींत धर्मीक, संस्कृतीक आनी हेर कार्यावळी आयोजीत करतात.

***धर्मीक कार्यावळी:*** लॉरेन्स अर्नेश्ट वाज हांणी दिल्या म्हायती प्रमाण "धर्मीक कार्यावळी म्हणल्यार हे सेमिनारींत पवित्र मिसाची भेट जातूंत पाद्रीं देवाच्या उतराची पर्गटणी करता. तशेंच देवीक काकुळटीचो तेर्स, जेझूच्या भोव पवित्र काळजाचो तेर्स, पवित्र सभेचें मागणें जें सकाळीं जाता, रातचें मागणें आनी आदीं. तशेंच कांय सेमिनारींत शिकपी विद्यार्थी पवीत्र सभेची दोतोन शिकोवंक वेग-वेगळ्या इगर्जे आपली सेवा दितात".[4] ह्या सेमिनारींत देव संदेशकारांक, भुरग्यांक तशेंच तरण्ट्यांक आनी क्रिस्ती भाव-भयणांक वेग-वेगळीं शिबिरां घोडोवन हाडतात. तशेंच सेमिनारींत शिकपी विद्यार्थ्यांची आत्मीक वाटेन वाड जावूंक रेतिंरा आसतात. हे सेमिनारींतलें पाद्री 'आमचो

सेवाधर्म' ह्या पुस्तकाचेर दर आयताराक मिसाची भेट अर्थपूर्ण जावूंक मिसाचो सेवाधर्म तयार करतात. तशेंच ह्या सेमिनारींची कांय नेमाळी म्हळ्यार "*Luceas", "Jivit", "New Leaven*". हाचेर पाद्री तशेंच सेमिनारींत शिकपी भुरगें लेख आनी कवीता बरोवन आपली कला सादर करतात.

***संस्कृतीक कार्यावळी:*** से. जॅसन कुलासो हांणी सांगलां ते प्रमाण "रायतूर सेमिनारींत संस्कृतीक मळाचेर जायत्यो कार्यावळी जातात देखीक: *L.A.C.A.R.S,* Symposium, SSVP Jete, Beneficiary day, दुयेंताची आनी हेर लोकांची भेट आदीं. *L.A.C.A.R.S. (Literally And Culturally Activities Of Rachol Seminary)* हे गोंयच्या सदर्भांन विश्य घेवन दर वर्साक 4-5 कार्यावळी घडोवन हाडता."[5] तशेंच "पयले कार्यावळ फकत सेमिनरींत शिकपी विद्यार्थीयां खातीर आसता जांतूत गोंयचो वेवसाय, गोंयचे रांदप, गोंयचो परांपारिक खेळ विशीं सर्ती आसता. दुसरें कार्यावळीत खेळ्या गावांत सावन आयिल्ले पाद्री आपलो अणभव सांगतात. आनी तिसरी *'आमाचें दायज'* इन्टर रिलिजयस डायलॉग ही कार्यावळो घडोवन हाडतात"[6]. 'आमचें दायज' म्हळ्यार आमचें गोंयचे दायज हाचेर वेग-वेगळ्या विश्याचेर शिबीरां घडोवन हाडता. जातूंत लागींच्या शाळेंतलीं आनी महाविद्याल्यांतलीं

भुरगीं भाग घेतात. दर वर्सांक ऑक्टुबंराचे दोन तारकेर गांधी जंयती दिसा "धर्मां मदीं संवाद” (Inter religious dialogue) हो कार्याक्रम जाता.

तशेंच जुलायचे तीन तारके भागिवंत थॉमास परबेक सेमिनारीचें उगतावणेंच्या दिसा मीस जालें उपरांत शेतकाम करतात. वेग-वेगळ्या गांवचो लोक शेतकाम करूंक येतात. तशेच नोव्हेंबराच्या म्हयन्याक जेझूच्या भोव पवित्र काळजाच्या दबाजीक परबें दिसा रायतूरची सेमिनारींत वर्सांवळीचें *'फेत'* आयोजीत करतात. हे कर्यावळीत वेग- वेगळ्या गांवांतलो लोक एकठांय जातात. तरे तरेचे खेळ खेळून एका- मेका लागीं भासाभास करून, जेवण-जेवन हो केरीत वेळ खुशालकायेन सारता.

तशेंच दर बुधवाराक आनी शेनवाराक सेमिनारींत शिकपी विद्यार्थी लागींच्या गावांतल्या दुखेस्त आनी पिडेवंताची भेट करूंक वतात. तशेंच चवथी दिसा हिदूं भाव भयणाक भेट दितात.

### 5.5.1. आमचें दायज

आमच्या माणकुल्या गोंयची संस्कृताय खूब गिरेस्त आसा. हे संस्कृतायेचो मोग आनी ताची जाणविकाय लोकां मेरेन पावूंक रायतूर सेमिनारीचो हावेस आसा. कोंकणी भाशेच्या इतिहासांत रायतूर सेमिनारींचे व्हड योगदान आसा. कोंकणी भास आनी रायतूरचे सिमिनारिचे खोल नातें आसा. हेच मनांत धरून रायतूर सेमिनारी दर वर्सां 'आमचें दायज' ह्या माथळ्या खाला

*Literally And Culturally Activities of Rachol.(L.A.C.A.R.S.)* मंडळ, गोव कोंकणी अकादमीच्या जोड पावलान, फाटलीं 15 वर्सां समेलन आयोजीत करता. गोंयच्या संस्कृतायेचो आनी कोंकणी भाशेचो प्रचार जावचों म्हण वेग- वेगळ्या विश्यांचेर एक दिसाचें समेलन शाळेच्या, महाविद्याल्याच्या आनी विद्यापिठाच्या भुरग्यांक घडोवन हाडता. आमचे दायज कार्यावळ 2007 वर्सांक फा. विक्टर फेरांव हांणी सुरू केली. फा. विक्टर हांणी सेमिनारींत सुमार वीस वर्सां सेवा केली. फा. विक्टर हे गोंयचे दायज कार्यावळी विशीं सांगतना म्हणटा “भुरगें ल्हान आसता तेन्ना ताचो सांबाळ करप आमच्या हातींत आसता. पूण ते भुरगें व्हड जातकच ते आमचे हातीन आसना. तेच वरीं आमचें दायज ल्हान आसतना हांवेंन ताचो सांबाळ केलो पूण आतां ते म्हज्या हातीत ना”.[7] फाटली कितलींशींच वर्सां गोवा कोंकणी अकादमी ह्या कार्याळीक आदार दिताली. पूण आतां ती आदार दिना तरी आसताना रायतूची सेमिनारी वर्सांन-वर्स ही कार्यावळ करता. आनी कार्यावळीक लागून रायतूर सेमिनारीचो भोवमान दाल्गाद कोंकणी अकदेमीन केल्लो आसा.

- **1 फेब्रुवरी 2024 ह्या दिसा 17वें आमचें दायज हाचो विशय**

  **“*गोयची परंपरीक घरां आनी देव- मंदिरां: आमचें दायज*”.**

रयतूर सेमिनारीच्या संभाघरांत 1 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा सकाळीं 9 वरांचेर 'गोंयची पंरपारीक घरां आनी देव-मदीरां- आमचें दायज ह्या विश्याचेर कार्यावळ घडोवन हाडली. गोंयच्या भुंयेच्या गिरेस्त वास्तुशिल्प दायजा विशीं, पाद्रीं आनी सेमिनारींतल्या विद्यार्थ्यां मदीं जागृताय करपाचो यत्न करपी हो अर्द दिसाचो कार्यक्रम आसलो. ह्या कार्यावळींत वास्तुशिल्प महाविद्यालयांतले दोन प्राध्यापक हाजीर आसले. कार्यावळीचे पयलें उलोवप वास्तुकार नोवा आनंद फर्नांडीस हाणी *'गोंयांतल्या उपासना सुवातींचें वास्तुकलेचें दायज'* (Architectural heritage of places of worship at Goan heritage houses) ह्या विश्याचेर केले आनी दुसरें उलोवप वास्तुकार अलिंतो कुलासो हांणी *गोंयच्या दायज घरांनी प्रार्थना आनी पुजा* (Prayer and worship at Goan Heritage houses) ह्या विश्याचेर उलोवप केलें.

- **2 फेब्रुवरी 2022 ह्या दिसा 16वें *आमचें दायज हाचो विशय "गोंयचो माड: गोंयकाराचें दायज"*.**

गोंयचो माड मतींत दवरून गोंयचो माड गोंयकाराचे दायज हो विश्य घेतलो. ही कार्यावळ रायतूर सेमिनारीच्या सभाघरांत फाब्रुवरीचे 2 तारखेर 2023 ह्या दिसा सकाळी 9 तें सांजे 5 पांच मेरेन तीन

भागानी जाली. पयले भागांत मुखेल उलोवप नेलसन फुर्तादो हांणी केले. *माडाचो इतिहास आनी लागवण आमच्या गोंयांत* Coconut: orgin and cultivation in Goa (Varieties, economy, present scenario) ह्या विशयाचेर पेपर सादर केलो. दसरें उलोवप अकशत्रा फेर्नांडीस हाणी *समाजीक आनी संस्कृतीक माडाचे म्हत्व आनी ताची राखण* (Socio-cultural significance of coconut and it's protection ह्या विश्याचेर पेपर सादर केलो आनी तिसरें उलोवपांत श्वेता गांवकर हांणी *माडांचे विद्ध उत्पनेंत विविद्ध संद्यो* (Scope in coconut production) ह्या विश्याचेर जालो. दुसरे भागांत नाल्लाचीं हात कृती, मोल्ला आनी सान्नी करप तशेंच स्वता माडार चडपाक भुरग्यांक शिकयलें. तिसरें भागांत माड हो विश्य घेवन शाळेच्या भुरग्यां खातीर वेग- वेगळ्यो सर्ती आशिल्ल्यो.

- **5 डिसेंबर 2020 ह्या दिसा 15वें आमचें दायज हाचो विशय "*गोंयचो तांदूळ गोंटो- आमचे दायज".***

  गोंयचो पंरपारीक शेती वेवसाय आनी शेतकार मतींत दवरून आनी भुरग्यांच्या कळजांत शेता विशीं मोग उत्पन करूंक (fall in love with farming) हो हेतू बाळगून रायतूर सेमिनारींन 5 डिसेंबर 2019 ह्या दिसा गोंयचो तांदूळ गोंटो- आमचें दायज विश्याचेर वर्सुकी

कार्यावळ घडोवन हाडली. ह्या कार्यावळीत मिंगेल ब्राजाझा हाणी *शेत आमचें दायज: समाज आनी पद्धत* (Heritage farming communities and practices) ह्या विश्याचेर पेपर सादर केलो. दुसरो पेपर डॉ. शिल्पा बोसले हांणी *गोंयच्या शेताचे पंरपारीक प्रकार: ताची पसरण आनी हातीची चोलची* (Traditional varities of rice in Goa: biodiversity and present scenario) ह्या विश्याचे सादर केलो. तशेंच सेमिनारीशट रेयन मास्करेनस हांणी तां*दूळ आनी आमचीं संस्कृताय: परब, लोकवेद आनी लोक गितां* (Rice and culture: Festivals, Floklore and flok song) ह्या विश्याचेर पेपर साधर केलो. उपरांत विन्सट कोस्ता हांणी साश्टीचो कडो ह्या विश्याचेर चलचित्र दाखयलें.

- **7 फेब्रुवरी 2019 ह्या दिसा 14वें आमचें दायज हाचो विशय *"गोंयच्या मातेच्यो हातकृती: गोंयकाराचें दायज"*.**

गोंयचे मातयेंत कितली गिरेस्तकाय लिपिल्ली आसा हे दाखोवपा खातीर रायतूर सेमिनारीच्या सभाघरांत 7 फेब्रुवरी 2019 ह्या दिसा गोंयच्या मातयेच्यो हातकृती: गोंयकाराचें दायज ह्या विश्याचेर ही तीन भागांनी घडेवन हाडली. पयल्या भागांत फ्रांकी कार्वाला हांणी गोंयचीं माती आनी देवस्पण ह्या विश्याचेर पेपर सादर केलो. तशेंच

विनायक विष्णू खांडेकार हांणी *संस्कृतायेन उपयोग जाल्ले वस्तूचेर विस्कटावणी* हाचेर पेपर सादर केलो आनी मातेची आयदनां, वाद्यां, आनी हेर मातेच्या वस्तुचेर भर घातली. हेसीन्ट पिटों हांणी *गोंयच्या मातयेंचीं बांदावळीक घटाय* ह्या विश्याचेर पेपर सादर केलो. आनी हातूंत ताणें आदलीं मातयेंचीं घरां कितलीं घट आसात हाचेर चित्रण केलां. ह्या कार्यावळीच्या दुसरे भागांत गोंयच्या मातेच्या वस्तुचें प्रदर्शन आसलें. तिसऱ्या भागांत शाळेच्या भुरग्यां खातीर मातयें पासून वस्त तयार करपाची सर्त घेतली गोंयच्या मांड्याची सर्त आशिल्ली.

- **8 फेब्रुवरी 2018 ह्या दिसा 13वें *आमचें दायज हाचो विशय "गोंयचें रांदप: गोंयकाराचें दायज".***

  गोंयांत पुर्तुगेज आयले उपरांत गोंयच्या खाणा जेवणचेर ताचो प्रभाव पडलो आनी गोंयच्या जेवणाचो स्वाद अदीक वाडले आनी हे दाखोवपा खातीर *गोंयचें रांदप गोंयकारचें दायज* ह्या विश्याचेर कार्यावळ घडोवन हाडली. डॉ लवीन सवियेना ब्रागाझा हांणी *गोंयचें रांदप पुर्तुगेज काळा आदीं*. (Goan Cuisine prior to the Portuguese rule ), लियोन आलबूर्क हांणी *गोंयच्या रांदपाचेर पुतुगेज संस्कृतायेचो प्रभाव*. (Portuguese influence on Goan cuisine), एलवीसन फेर्नांडीस *हांणी गोंयचें रूचीक जेवण (गोड जिनस): हिंदू समाजाची*. (Goan

delicacies of Hindu religion) आनी क्लीफर्ड फेर्नांडीस हाणी *गोंयचे रूचीक जेवण (गोड जिनस): किस्तांव आनी दुसरें संस्कृतायेची* (Goan Delicacies of Christian religion and other) ह्या ह्या विश्यांचेर पेपर साधर केलें.

- **9 फेब्रुवारी 2017 ह्या दिसा 12वें आमचें दायज हाचो विशय "*तियात्र गोंयची माची*".**

  तियात्र गोंयच्या समाजाची माची ह्या विश्याचेर आमचें दायज ही कार्यावळ रायतूर सेमिनारीन तियात्र आकादामी ऑफ गोंवा हांच्या आधारान घडोवन हाडली. कार्यावळीचे पयलें उलोवप तोमाजीन कार्दोज हांणी *गोंयच्या समाजाचें आनी संस्कृतायेचे पडबींम आनी सर्मकताय* (reflection of Goan society and culture and it's relevance of Goan society and culture) ह्या विश्याचेर सादर केलो. दूसरें उलोवप सेमिनारिस्ट वेलन्सियो फेर्नांडीस *तियात्राचो इतिहास: व्हड आनी विकास* (Evolution and development of tiatr) ह्या विश्याचेर केलें. तिसरे उलोवप सेमिनारिस्ट एल्सटन वाझ हाणी *तियात्राच्या घटकांची समजणी; खेळ तियात्राच्या सदर्भांत* (understanding the elements of tiatr with reference to khell tiatr) ह्या विश्याचेर केलें. चवथें उलोवप पालिनी फेर्नांडीस

हाणी *पाय तियात्रिश्टः ताचे योगदान आनी मुखेल तियात्राचें विश्लेशण* (Contribution and analysis of major tiartr's of pai tiatrist. ह्या विशयाचेर केले. तशेंच हिंदू मुसोलमान भावांचो तियात्र माचयेक योगदान आनी तांची आव्हाना ह्या विश्याचेर वेग-वेगळ्या तियात्रिस्टांनी पेपर साधर केले. कर्यावळीचे दुसरे भागांत शाळेच्या भुरग्यां खातीर कोंकण कॉमेडी ह्या विश्याचेर सर्त आसली.

- **25 फेब्रुवारी 2016 ह्या दिसा 11वें आमचें दायज हाचो विशय *"संगीत वाद्यां (ब्रास बैंड) - सुनारी खेळांत गोंयची संस्कृताय"* हो विश्य आसलो.**

गोंयच्या परंपारीक संगीताची वळख लोखकां मेरेन पावपा खातीर आनी गोंयचे ब्रास बैड हे साबांळून दवरपा खातीर रायतूर सेमिनारीन संगीत वाद्या (ब्रास बैंड) हया विश्याचेर कर्यावळ घडोवन हाडली. ही कार्यावळ तीन सत्रानी जाली. पयल्या सत्राचे उलोवपांत सेमिनारीश्ट केन्ट लोबो हांणी *ब्रास बैड गोंयच्या संस्कृतायेचे दायज* ह्या विशयाचेर केलें. दुसरें उलोवप *ब्रास बैडः हिंदू धर्मा द्रुश्टिकोण* ह्या विश्याचेर माधव बोरकर आनी गोपीनाथ गावस हांणी केले. तिसरें उलोवप सेमीनारीस्ट मेतीव आदमोदा हांचे रा*यतूर सिमीनारीचें गोंयच्या संगीताक योगदान* ह्या विश्याचेर जालें. दुसरें सत्रांत ब्रास बैड

बाजप्यांचे सादरीकरण आसले. आनी तिसरें सत्रांत कोंकणी त्रियो संगीत गावपाची सर्त आसली.

- **26 फेब्रुवारी 2015 ह्या दिसा 10वें आमचें दायज हाचो विशय *"गोंयचो लोक- वेद - आमचे दायज.***

  गोंयचो लोक वेद मतीन दवरून आमचें दायज ह्या वर्सुकी कार्यावळींत गोंयचो लोक-वेद आमचे दायज हो विशय हाताळो. ह्या कार्यावळीत तीन सत्रां आसलीं. पयल्या उलोवपांत जॉयझम डिसौजा हाणी गोंयचे *लोक- संगीत आनी नाच* तशेच नेहा परमेकर हांणी गोंयच्यो लोक-काणयो ह्या विश्याचेर आनी मोवीन डीकॉस्ता हांणी *गोंयचो लोक खेळ* ह्या विश्याचेर पेपर सादर केले. तशेंच कार्यावळीचे दुसरें सत्रांत प्रा. नरेश नायक हाणी *काणकोण वाठारांतलो लोक वेद* ह्या विश्याचेर तशेंच मार्कूस गोनसालवेस हांणी *साश्ट वाठारांतलो लोक वेद* आनी दिलीप धारगळकर हांणी *दिवचल वाठारांतलो लोक-* वेद ह्या विश्यांचेर पेपर सादर केलें. कार्यावळीचें तिसरें सत्रांत कोंकणी लोक गीतां स्पर्धा आसली.

- **9 फेब्रुवारी 2014 ह्या दिसा 9वें आमचें दायज हाचो विशय "*एदुआर्दा जुझे ब्रुनो द सौज".***

कोंकणीं भाश फुलपाक आनी ताचे उदरगतीक म्हत्वाचे योगदान दिवपी एदुआर्दा जुझे ब्रुनो सौज हांच्या मानाक ही कार्यावळ रायतूर सेमिनारीन घडोवन हाडली. ह्या कार्यावळीचे सादरीकरण सत्र डॉ प्रकाश पर्येंकार आसले. ह्या कार्यावळीचें पयलें सादरीकरण सॅनफर्ड रॉड्रिगीस हाणी *एदुआर्दो जुझे ब्रुनो द. सौज: जिवीत आनी वावर* ह्या विश्याचेर केले. दुसरें सादरीकरण आलफी डिक्रूज हाणी *एदुआर्दो जुझे ब्रुनो द. सौजा: पत्रकार आनी म्हाकवी* ह्या विशयाचेर केलें. तिसरें साधरीकरण पाद्री लुइस गोमीस हांणी *क्रिस्तांव घराबो: समाजशास्त्रीय अध्ययन* ह्या विश्यांचेर केले. आनी चवथे सादरीकरण पिटर डिसौजा *क्रिस्तांव घराबो: एक भासविज्ञानीक* नदर ह्या विश्याचेर केलें. उपरांत निमाण्या सत्रांत लोक काणयो सांगपाची सर्त आसली

- **12 फेब्रुवारी 2013 ह्या दिसा 8वें आमचें दायज हाचो विशय *"रायतूर सेमिनार कोंकणीचे बाल पाळणें"*.**

जेझुईट पाद्री गोंयांत आयले तेन्ना तांणी जायतो कोंकणी भाशीक, साहित्यीक, आनी धर्मीक वावर केलो. आनी हे मतींत दवरून हो विश्य विचून काडलो. ह्या कार्यावळीच्या पयले उलोपव एलरॉय गोमस हांणी फा*. दियोग रिबेर हाच्या योगदाना* विशीं पेपर सादर केलो. मारयो कारवालो हांणी *आंतोनियो साल्दाना* विशीं पेपर सादर केलो.

मेलवीन फेर्नांडीस हांणी *इनाजिओ आर्कोमोनी* हाच्या योगदाना विशीं पेपर सादर केलो. आनी मिलाग्रीस फेर्नांडीस हांणी *मिंगेल द आल्मेद* हाचे विशीं पेपर सादर केलो.

- **16 फेब्रुवारी 2012 ह्या दिसा 7वें आमचें दायज हाचो विश्य "रविंद्र केळेकार- *कोंकणी साहितीक योगदान*".**

  कोंकणी भाशेच्या उदरगतीक म्हत्वाचे योगदान दिवपी रवींद्र केळेकार हाच्या मानाक ही कार्यावळ घाडोवन हाडली. ह्या कार्यावळीचे सादरीकरण सत्र दिलीप बोरकार आशिल्लो. ह्या सत्राचे पयले उलोवप एलटीन लॉरेन्सो हांणी केले. दुसरें उलोवप जॉवीटो डिसोजा हांणी *रवींद्र केळेकार: एक मुस्शाल साहितीक आनी समाज सेवक* ह्या विश्याचेर केले. तिसरें उलोवप पिटर ब्रिटो हांणी *रवींद्र केळेकार एक लेखक* ह्या विश्याचेर केले. आनी निमाणे उलोवप एडवीन डासा हांणी *रवीन्द्र केळेकार आनी कोंकणी चळवळ* ह्या विश्याचेर केलें.

- **17 फेब्रुवारी 2011 ह्या दिसा 6वें आमचें दायज हाचो विशय "*कोंकणी देश भक्ती गिंता*".**

  ह्या विश्याचे दस्तावेजीकरण जाल्ले ना.

- **16 फेब्रुवारी 2009 ह्या दिसा 5वें आमचें दायज हाचो विश्य *"बाकिबाब बोरकार: काव्य साहित्याक योगदान* हो विश्य आसलो.**

ह्या विश्याचे दस्तावेजीकरण जाल्ले ना आनी तशेंच फुडल्या कार्यावळीचे दस्तावेजी करण जावंक ना.

**संदर्भ**

1. मेतीव आलमेदा. *संगीत वाद्यां (ब्रास बैड)- सुनारी खेळता गोंयची संस्कृताय*, आमचें दायज, सोद लेख, 2016.
2. वयलोय संदर्भ.
3. वयलोय संदर्भ.
4. 8th फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा *से. लॉरॅन्स अर्नस्ट वाज.* हांची रायतूर साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत.
5. 8th फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा *से. जॅस्न कुलासो* हांची रायतूर साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत.
6. 4th फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा *से. बॅनी फेर्नांडीस* हांची रायतूर साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत.
7. 10th एप्रील 2024 ह्या दिसा बोरी इगर्जेचो पातकूर *फा. विटर फेरांव* हांची घेतिली मुलाखत.

## प्रकरण 6

## 6. निश्कर्श

'पुर्तुगेज काळांत स्थापन जाल्या रायतूर सेमिनारीचें कोंकणी योगदान' ह्या विश्याचेर अभ्यास करता आसतना म्हाका जायत्या गजालींचो अभ्यास जालो. पयले सुवातेर रायतूर गांव आनी रायतुर सेमिनारींत वचून थंयचे वातावरण, सरभोंवतणचो परिसर अणभवपाची संद मेळ्ळी. रायतुर गांवचो आनी सेमिनारीचो इतिहास जाणून घेवपाक मेळ्ळो. हो इतिहास जाणून घेवपा खातीर खुबश्यो मुलाखती घेवपाक पडल्यो.

आमची माय भास कोंकणीक चालना दिवूंक, सांबाळूक आनी तिचें म्हत्व सगळ्यां मेरेन पावूंक रायतूरचे सेमिनारींन साबार तरेचो वावर आदीं आनी आतां करीत आयल्या. फुडाराची नदर दवरून ती आपली तयारी करीत आसा.

पुर्तुगेजाच्या काळांत एक म्हत्वाची गजाल घडली आनी कोंकणीचे उदरगतीक खूब उपकाराची पडली. ती गजाल म्हण्ल्यार 1556 वर्सांक गोंयांत छापकानो पावलो. हो छापखानो आशिया खंडांतलो पयलो छापखानो. 1616 ते 1674 मेरेन छापखानो वावरलो आनी कोंकणी साहित्याच्या उपादनांत आनी प्रकाशनांत म्हत्वाचो वांटो आशिल्लो. छापखानो मुखेलपणात गोंयांत क्रिस्तांव धर्माचो प्रसार करपाच्या मिशनाऱ्यांचे सेवेंत आसलो तरी

कोंकणींतलें पयलो गद्य ग्रंथ रोमी भाशेंत छापून हाडलो. ताका लागून कोंकणी साहित्यांत मोलादीक भर पडली. रायतूर सेमिनारींत कोंकणीचो मोगी फा. थॉमस स्टीफन्स हांणी 1616 वर्साक पयलेंच फावट *'क्रिस्त पुराण'* हे गोयंच्या थळयाव्या भाशेन छापलें. तशेंच 1622 ह्या वर्सात ताणें *'दोत्रीना क्रिस्तां'* हें पुस्तक उजवाडाक हाडलें, कातॉलीक दोतोन साभार क्रिस्ती भाव भयणाक दिली आनी जेजूची बरी खबर जाणा जावपाक आदाराक पडलो. उपरांत '*अर्त द लिवां कानारी*' हें कोंकणी व्याकरणाचें पुस्तक छापून हाडून साबार जाणांक कोंकणी शिकूंक आनी बरोवंक फायदयाचें जालें. सोळाव्या आनी सतराव्या शेंकडयांतल्या जेजुईट पद्रिनीं रायतूर हांगा संकलीत केल्लो शब्दसंग्रह वा पुर्तुगेज- कोंकणी उतरांची वळेरी निर्माण जावपाचें एक म्हत्वाचें पावल आसा. तशेच दियोग रिबैर, आंतोनियु साल्दाना, साबस्तियांव रुडोल्फ दालगाद हाचो वावर खूब मोलाचो आसा. तशेंच आदीं फकत लातीन, पुर्तुगेज आदीं ह्या भाशेंत क्रिस्ती धर्माचीं गितां आसलीं, पूण कोंकणीतल्यांन खूब थोडीं आसली, देखून फा. वास्को दे रेगो हांणीं साभार क्रिस्ती धर्माची कोंकणी गितां रचलीं आनी आपल्या सांगात्यां वांगडां साबार गितां एक करून *'गायेनाचो झेलो'* हें धर्मीक पुस्तक रायतूरच्या सेमिनारींतल्यांन उजवाडक हाडलें. आयज मेरेन हीं गितां साभार क्रिस्ती लोकांच्या ओठांर घोळटात. तशेंच आयज लगीत सभार संगिताचे कॉनस्ट ह्या गांयनाच्या झेल्यांन

जातात. जेन्ना गोंयांत स्वताचे कोंकणी भाशेंत नातालाचें गीत नाशिल्लें तेन्ना कोंकणींतल्यान नाताल गीत रचलें. अशे तरेन संगिताच्या आदारान कोंकणी भास, साभार विदेशाच्या कानार सादता. अशें तरेन गोंयची अस्मिताय लकलकीत जाता. रायतूर सेमिनरी हें एक इतिहासीक घर आनी हांगां जायत्यो परंपरां साबाळून दवरल्यात. गोंयची संस्कृताय राकूंक, सांबाळूक आनी फूलून आपलें योगदान दिल्ले आसा. सांतां सिसिल्या गायन मडलांन वेग-वेगळी वाजंत्रां वाजोवन गोंयची संस्कृताय आनी दायज सांबाळून दवरल्या.

आयज रायतूरची सेमिनार उमेदीन आनी मोगान कोंकणी भास राखूंक आपलो पुराय भर घालता. ‘*आमचें दायज*’ हो एक व्हड कार्याक्रम, हो रातूरचे सेमिनारींत वर्सांन वर्सां जाता. हातूंत साभार शाळा आनी विद्यालयां भाग घेतात. दर वर्साक एक एक विश्याचेर भर घालून कोंकणी राखूंक आनी सांबाळूंक जायत्यो संदयो अलब्द करतात. तशेंच ‘कोंकणी दालगादो’ हे समिती वांगडां कांय वर्सां सांगांताक वावरून ‘आमचें दायज’ हे कार्यावळीतल्यांन माय भास-कोंकणी राखूंक तेंखो दिता. तशेंच सेमिनारींतल्यांन साभार दिसाळीं जशें, *Jivit, New leaven*, हातूंत कांय कोंकणीतल्यांन छापून हाडतात. तशेंच रायतूचे सेमिनारींचे मुखेल नेमाळे *LUCEAS* हाचेर ह्या वर्साक कोंकणीतल्यान लेखणी छापल्या. हें नेमाळें

रोम शारांत लेगीत धाडून दितात. रायतूची सेमिनारी, फुडाराक कोंकणी भास राखूंक आनी सांबाळूंक आपल्या फुडाराच्या पाद्रींक तयार करतात. कोंकणी भास उलोवपाक आनी बरोवंक शिकयतात. तशेंच प्रवचनातल्यांन आनी लिखणेंतल्यांन गोंयकारांच्या काळजांत कोंकणी भाशेचे म्हत्व आनी मोग रिगयतात.

रायतूर सेमनारीतल्यान शिकून पाद्री जावन जायते पादीनी कोंकणीचो वावर फुडें वेलो आसा. फा. मायरन बर्रेटो हांणी ताळो हें पुस्तक उजवाजक हाडला आनी ताका 2021 ह्या वर्साक युवा सुरजन पुरस्कार फावो जाला. फा. लुईश गोमस कोंकणीचो प्राध्यापक आसा आनी तियात्र ह्या विश्यांत आपलो सोद वावर केला. फा. रोमन राड्रीगीस कोंकणी प्राध्यापक आनी कोंकणीतल्यान जायतें पेपर सादर केल्यांत. मानुवेल गोमस हांणी भागिवतांचेर कोंकणीन पुस्तक बरयलां, फा. सुकूर रिबेलो खुरसाच्या वाटेचे कोंकणीतल्यान पुस्तक रचलां. फा. नेवील ग्रेशीयस हो तियात्राच्या मळार खूब परजळा. फा. मिलाग्रीस हे तियात्राच्या मळार खूब फामाद आसात. आनी कोंकणीतल्यान कांतारा रचता. तशेच फा. विक्टर फेरांव हांणी कोंकणी भाशेक आपले योगदान दिल्ले आसा.

कोंकणी भाशेंची सुरवात रोमी लिपेतल्यांन जाल्या आनी ती रायतूर गांवांतल्यान सुरू जाल्या, कारण छापखानो रायतूर गांवांत पावलो आनी तो

छापखानो रोमी लिपेतल्यांन आशिल्लो. 16व्या तें 17 व्या शेकडांयत चड ग्रंथ रोमी भाशेतल्यान छापले. तशेंच रायतूर सेमिनारीच्या स्थापणुके सावन गोंय स्वातंत्रय मेरेन जाल्लो कोंकणीचो वावर मिशनरी पाद्रीनी दिल्ल्या योगदानांत स्पश्टपणांत दिसता. हाचे पुरवो म्हळ्यार स्वातंत्रय उपरांत ते आयज मेरेन चालू आशिल्लें कोंकणीचें काम. हें काम आयज स्पश्टपणांत दिसना, कारण हाचेर दस्ताविजीकरण केल्लें ना. पूण गोंय स्वातंत्रताये आदीं सेमिनारींत रोमी लिपेन चड वावर जाला आनी आतां कमी जाता असो ह्या प्रबंधांचेर निरीक्षण आसा.

रायतूर सेमिनारी वाडंगां रायतुर गांव कोंकणी भाशेक आपले योगदान दिता. दर दिसाक गांवांत कोंकणींतल्यांन मीस, तेर्स, रेतीर, सायबीण, लग्नाच्यो आनी मरणाच्यो आनी हेर विदी कोंकणींतल्यांन जातात. तशेंच गांवांत कोंकणी भास उलयतात. तशेंच गांवांत फेस्ताच्या दिसाक कोंकणीतल्यांन तियात्र जाता. तशेंच कार्निवालाच्या दिसांनीं खेळ जातात. साजुंवा, कार्निवाल, नाताल, पास्क आनी हेर कार्यक्रमांत कोंकणींतल्यान सूत्रसंचालन जाता. अशें तरेन रायतूरचो गांव आनी सेमिनारी कोंकणी भास राखून दवरपाक आधार दिता.

# 8. आदारावळ

## पुस्तकां


1. सोद, तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, Konkani sod potrika:11.
2. Fr. Mascarenhas. Nascimento J. Follow me Vol. 111. Printed by Rama Harmalkar. 2010.
3. Ataide de Mousinho. Rachol. Rachol seminary,Goa. 2010-2012.
4. म्हामल मिलिंद. गोंय मुक्तीचो इतिहास. एरिअल प्रिंट, गोवा वेल्हा गोंय, 2022.
5. Luceas (2022-2023)
6. डॉ. गोमिश ओलिवीञ्यु. *कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास.* कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय. 1989


## मुलाखती


1. 2nd डिसेंबर 2023 ह्या दिसा रायतूर गावांत रावपी *आतोनियो फेर्नांडीस.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
2. 10th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *सरिना तावारीस.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
3. 10th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *आगनेलो तावारीस.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.

4. 10th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *फातीमा तावारीस.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
5. 10th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *स्वीजल तावारीस.* हांचे कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
6. 10th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *आमिता डिसोजा.* कडेन रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
7. 14th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *आंतोनेत रोड्रीगीस.* हांची रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
8. 14th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *जॉन रोड्रीगीस.* हांची रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
9. 14th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *सावियो फर्नांडीस.* हांची रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
10. 14th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *ब्लेनसी रोड्रीगीस.* हांची रायतूर साश्टी गोंय हांगां घेतिली मुलाखत.
11. 18th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *फ्रांसीक फर्नांडीस* हांची राय साश्टी गोंय हागां घेतिली मुलाखत.
12. 20th जानेवरी 2024 ह्या दिसा *आयवन* फेर्नांदीस हांची राय साश्टी गोंय हागां घेतिली मुलाखत.

13. 4th फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा *से. बॅनी फेर्नांडीस* हांची रायतूर सेमिनारी साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत.

14. 4th फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा से*. जॉफ्रो किरसपिनो* हांची रायतूर सेमिनारी साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत.

15. 4th फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा से*. डियोन फेर्नांडीस* हांची रायतूर सेमिनारी साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत.

16. 8th फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा से*. जॅस्न कुलासो* हांची रायतूर सेमिनारी साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत.

17. 8th फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा *से. लॉरॅन्स अर्नस्ट वाज* हांची रायतूर सेमिनारी साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत.

18. 30th मार्च 2024 ह्या दिसा *नेवीस आलेमाव* रायतूर पंचायत सेमिनरी साश्टी गोंय हांगा घेतली मुलाखत .

**Websites**

1. https://en.m.wikipedia.org/wiki/Rachol
2. https://en.m.wikipedia.org/wiki/Rachol_Seminary
3. https://youtu.be/it3sYOWhchQ?si=f4oetNwyiWCyqoFz
4. https://racholseminarygoa.org/heritage-of-rachol
5. https://www.mangoansongs.travelgoa.in/2023/10/vhoddekar-konkani-song-lyrics-shailendra-singh-dilraj-kaur/